चिमटे धुमके

कृ. म. सुखठणकार

चिमटे धुमके

चिमटे धमके

कृ. म. सुखठणकार

बिम्ब
प्रकाशन

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY ✱ MANGALORE ✱
विश्व कोंकणी ग्रंथालय

प्रकाशक / बिम्ब प्रकाशन, 'धर्म-लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशी - गोंय ४०३ २०४.

दूरध्वनी / (०८३२) २४३८३५५.

प्रकाशन क्र. / १०२. अक्षर जुळणी / बिम्ब प्रकाशन.

छापणावळ / इम्प्रेशन्स - बेळगांव.

© मंजुषा सुखठणकार.

पयली आवृत्ती / १८ ऑक्टोबर २०१४.

मुखपृश्ठ / डॉ. सुबोध केरकार.

चिमटे धुमके (विनोदी ललित) कृ. म. सुखठणकार.

Chimtte Dhumke (Satire) by *K. M. Sukhthankar*.

मोल : रु. [illegible]८०/-

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY * MANGALORE

बिम्ब
प्रकाशन

म्हजो पयलो
वाचक
जाका
हांव बरयतां तें
हेरांकडेनूय पावचें
अशें दिसलें
त्या

मोहिताक....

मनोगत

हें म्हजें पयलें पुस्तक उजवाडाक येता. म्हाका अजाप जालें. पयल्या पुस्तकाच्या प्रकाशनाचो आनी पयल्या भुरग्याच्या जल्माचो आनंद एकूच आसता अशें म्हाका एका म्हालगड्या लेखकान सांगलें. हांवें म्हाका दोनूय खेपे अजापूच जालां अशें जेन्ना ताका सांगलें तेन्ना ताका अजाप जालें (तेन्ना, हांव आनी बापूय? आनी आतां, हांव आनी लेखक? हें चिंतून).

म्हजे तकलेंत केन्नाय विचार आयलो की ताचेर बरोवप जाता. मागीर ताका भाशा, लिपी अश्यो सीमा उरनात. अशें शाळेंतल्यान घडत आयलां. म्हाका हें छापून येवचें अशें केन्नाच दिसलेंना. अण्णाची चळवळ तेंगशेर आसतना तातूंतल्या काय गजालींचेर म्हाका बरोवचेंशें दिसलें. हातांत म्हजो बँकेचो स्टेटमेन्ट पडलो. तातूंत कांय पळोवपा सारकें नाशिल्ल्या कारणान ताच्या फाटल्यान *मैं अण्णा हूँ* हो लेख बरयलो आनी सदचेवरी कोनश्याक उडयलो. तो म्हज्या पुताच्या हाताक लागलो. ताणें तो वाचलो आनी म्हाका अजापान पळेलें, कित्याक खबर ना. मागीर ताणेंच तो निवळ करुन सुनापरान्ताक दिलो. त्या लेखाक वाचकांचो उपाट प्रतिसाद मेळिल्ल्यान हांवें फुडें सुनापरान्तांत चिमटे-धुमके हें सदर सुमार अडेज वर्सां बरयलें. म्हाका हांगां अशें मुद्दम नमूद करीन दिसता की म्हाका वाचकांचो उपाट मोग मेळ्ळो आनी मेळत आसा. तांच्याच आग्रहाक लागून म्हजें साहित्य पुस्तक रुपान येता म्हळ्यार जाता.

साहित्या भितर विनोद हाताळप खूब कठीण काम हें सगळ्यांनीच मान्य केलां. ताचो दर्जो राखप आनीकूय कठीण. विनोदाचो दर्जो सांबाळून आनी below the belt विनोदाचो आसपाव म्हज्या साहित्यांत आसचोना हाचें भान दवरुन हांव सतत बरयत आयलां. हाका लागूनूच हांवें जें जें बरयलें, मागीर ती डायरी जावं वा विनोदी रहस्य कथा जावं म्हज्या वाचकांक भावलें. आजूय हांव तांकां मेळटां तेन्ना वाचक, संध्याची (बरडाल्या), सावळ्याची, वितोराची खबर घेतल्या शिवाय रावनात. लेखकाक आनी कितें जाय?

आज सगळ्यांचीच जीण धकाधकीची जाल्या. जिणेंत एक प्रकारचो तणाव

निर्माण जाला. लोकांच्या तोंडार हांसो कमी, कपलाक आटयो चड दिश्टी पडटात. आमी हांसतात तेंय अडेचें, लाफ्टर क्लबांत. कोंकणी साहित्यांतूय विनोद ना जायत चल्ला. हाचीं खूब कारणां जावं येता. म्हालगडे लेखक दोतोर दत्ताराम सुखठणकार एके कडें बरयतात, विनोद ही एक अप्रूप गजाल. ती सगळ्यांकूच जमना. मुळचें विनोदाचें आंग आसचें पडटा. पूण तें आसलें म्हणुनूय मनीस विनोदी वाङमय निर्माण करुंक पावना. विनोदी वाङमय निर्माण जावपाक खूब कला लागता. बरें विनोदी वाङमय थोडेंच निर्माण जाता. अश्या वेळार म्हजें हें पुस्तक तुमच्या हातांत दितना खूब खोस भोगता.

हांवें हें पुस्तक म्हज्या पुताक मोहिताक भेटयलां. कारण ताणेंच खऱ्या अर्थान धव्याचेर काळें केलें. हांव म्हजे विचार मंजुषाक (म्हजी घरकान्न) डिक्टेट करतां आनी तें मागीर टायप करता. हातूंतल्यान दोन गोश्टी हाशील जातात. एक म्हजी साहित्य निर्मिती जाता आनी दुसरी (म्हत्वाची) गजाल म्हाका बायलेक 'डिक्टेट' केल्ल्याचें समाधान मेळटा. ताचेय व्हड उपकार. सुनापरान्ताक कशें विसरुं येता? ताणीं सुमार अडेज वर्सां म्हाका बरोवपाची संद दिली. ह्या पुस्तकांत आस्पाविल्ले सगळे लेख सुनापरान्तांत उजवाडाक आयल्यात. ह्या पुस्तकाक फावो तशें सोबीत चित्र काडपी चित्रकार डॉ. सुबोध केरकार आनी चित्रकार श्रीधर कामत बांबोळकार जाणीं आकर्शक रेखांकन केलें तांचो हांव आभारी आसां. स्वताक विनोदी आंग आसल्या कारणान सुंदर अशी प्रस्तावना बरोवन भौ. दिलीपबाबान म्हाका उपकारांत दवरला. आपलेंच पुस्तक जाल्लेवरी ह्या पुस्तक प्रकाशनाची जबाबदारी उखलपी बिम्ब प्रकाशन आनी ताची वेवस्थापक कामिनीबाय किणी हांचे उपकार मानतां तितले थोडे.

हें पुस्तक तुमच्या हातांत आसूं वा नासूं, तुमच्या तोंडार मात सदांच हांसो आसचो हें 'ताचेकडेन' म्हजें मागणे. आमेन...!

– कृ.म.सुखठणकार

रायबंदर – गोंय. मो. : ९८५०५३०७५६

कृमसारुपण...!

कृ. म. सुखठणकाराच्या 'चिमटे धुमके' ह्या पयल्या वयल्या पुस्तकाक हांवें प्रस्तावना बरोवप आनी बिम्ब परिवारानूच तें उजवाडाक हाडप हाका प्राक्तन म्हणचें न्हय तर कितें?

आपल्या पुस्तकाक प्रस्तावना हांवेंच बरोवंक जाय आनी पुस्तक काडपाचें जालें जाल्यार तें बिम्ब प्रकाशनानूच काडूंक जाय हे दोनूय कृमचे हट्ट! बिम्ब प्रकाशनान आपलें पुस्तक काडूंक जाय हो हट्ट हांव समजूंक शकतां. बिम्ब प्रकाशन दर्जेदार, सुबक पुस्तकां काडटा आनी त्या पुस्तकांक पुरस्कार मेळटात हें जरी ताचे फाटलें कारण आसलें तरी कृम फाटलें वर्सभर बिम्ब मासिकांतल्यान *गरनाल* हें सदर नेमान चलयता आनी ताच्या बरपान आपलो खाशेलो असो वाचकवर्ग तयार केला. बिम्ब हातांत पडले बराबर आमी 'गरनाल' वाचतात वो 'गरनाल' वाचपा खातीरूच आमी 'बिम्ब' घेतात अशें सांगपीय म्हाका मेळ्ळयात. तेन्ना ह्या फुडें 'बिम्ब' हें नांव बदलून मासिकाक 'गरनाल' अशें नांव दवरचें पडचेना मू? अशें दिसप जरी अतिशयोक्ती मानलें तरी कृमचें सदर इज मस्ट अशी परिस्थिती नक्कीच आसा. तेन्ना सेलेबल लेखकाचें पुस्तक काडचें अशें

आमकां दिसप साहजिकच, तेच वांगडा 'बिम्ब', कोंकणींतल्या विनोदी साहित्य बरोवप्यांक जो *शंकर भांडारी स्मृती पुरस्कार* भेटयता तो एका वर्सा कृम 'बिम्ब' मासिकांत एकूय उतर बरोवंक लागनासतनाय, ताका दिवंचो म्हूण नामांकन करतात आनी ताका पुरस्कार दिवन पुरस्काराचोय सन्मान जातलो अशें निवड समितीक दिसता आनी कृम आपले विनोदी लेखनाचे तांकीन पुरस्कार झोंबून व्हरता. कृमक हो पुरस्कार लाभिल्ल्यान ताणें कांय ट्रेन्ड घाले वो मोडले अशें म्हणले बगर रावूंक जायना.

बिम्ब मासिकांत सातत्यान बरयता तांचोच मुखेलपणान बिम्ब पुरस्कारा खातीर विचार जावंचो अशें आसूंक फावना तर हेर कडेन छापून आयिल्ल्याय साहित्याक बिम्बान पुरस्कार दिवंचे, बिम्ब प्रकाशीत करता त्या पुस्तकाक पुरस्कार मेळटात अशें न्हय तर पुरस्कार प्राप्त साहित्यीकाचेंय साहित्य बिम्ब प्रकाशीत करता अशे हे ट्रेंड आसात. म्हणटकच बिम्ब असल्या लेखकाचें पुस्तक छापल्या बगर कशें रावत?

आतां प्रस्न उरलो प्रस्तावनेचो. कृमचे 'चिमटे धुमके' प्रकाशीत करपाचो निर्णय जाल्लोच. ताच्या पुस्तकाक विनोदी साहित्याची जाण आशिल्ल्या, जिवितांत विनोदाचें म्हत्व खबर आशिल्ल्या आनी विनोदी साहित्य प्रकाराचें वाचन आशिल्ल्या चोखंदळ वाचका कडल्यान कृमच्या बरपाचेर भाश्य जावंचें अशें म्हाका दिसतालें. तेच नदरेन म्हजें 'सोदप' चलतालें. पूण ती प्रस्तावना हांवेंच बरोवंची असो कृमचो हट्टच आशिल्लो जो म्हज्यान टाळूंक जालो ना. जिवितांत यशस्वी जातलो जाल्यार 'ना' म्हणूंक जमूंक जाय अशें विद्वान सांगतात. कृमच्या हट्टाक 'ना' म्हणून हांव खंयचें यश जोडूंक पावतलों हाची म्हाका कल्पना आयलीना. आनी दुसरी गजाल म्हळयार बालहट्ट आनी स्त्रीहट्ट हे सहसा टाळप शक्य ना अशेंय म्हणटात. बिरबलान तें उदारणासयत अकबराक केन्नातरी

पटोवन दिल्लें. हांगा म्हाका तेंय शक्य ना. पूण एक गजाल खरी, कृमन जेन्ना 'तुमी प्रस्तावना बरयात न्ही!' अशें म्हाका सुचयलें तेन्ना ताच्या मुखामळार एका ल्हान भुरग्याचे निर्व्याज भाव आशिल्ले. ते तसे ताच्या तोंडार सदांच आसतात. हो आनी कोणाक चिमटायतलो, धुमकायतलो काय? अशें ताच्या तोंडाकडेन पळोवन कोणाकूय दिसत अशे ते भाव. प्रस्तावना हांवें बरोवंची अशी विनवणी करपाच्या वेळार ते अतीच जाल्ले. कोणूय बळी पडपा इतले.

दुसरी गजाल स्त्री हट्टाची! सुंदर स्त्री जेन्ना उण्यात उणे कपडे घालता तेन्ना जातीवंत रसिकाचें तिचेकडेन विशेश लक्ष वचना. हो अणभव सिनेमांतल्या सुंदरीं कडेन पळोवन आमकां येताच. पूण सुंदर आसूं वो नासूं आंगभर कपडे केल्ले ललनेन मुखावेल्यान पासार जातना आपलो पदर सारको करतकच जशें लक्ष वता आनी पदरा पोंदा अशें कितें आसा काय असो प्रस्न कारण नासतना मनांत निर्माण जाता वो पावसाच्या उदकांत आपली साडी भिजची न्हय म्हूण ती मातशी वयर करून उदक टाळपी ललना चलतना तिच्या पांयांकडेन नाय म्हणटना लक्ष वता आनी तिणें आनीकूय मातशी साडी वयर येवंची अशें दिसता तशें कितें तरी कृमचें साहित्य वाचून दिसता. ह्या दोनूय गजालींक लागून म्हजे तकलेंत 'बाल-स्त्री'चो संदर्भ आयलो जाचो कृमकडेन लागसुनय संबंद ना.

आतां हांव ही प्रस्तावना बरोवंक बसलां तेन्ना हें सगळें म्हजे तकलेंत घोळटा आनी भितरल्या भितर हांव हांसतां. 'नियती कसो सूड घेता पळय!' असो सो कितें विचार करीत. आतां दाखय लिपय तरी कित्याक करूया? स्पश्टपणानूच सांगतां-

कृमक हांव वळखऽ नाशिल्लों. ताचेकडेन खंयच्याच मळार संपर्क येवंक नाशिल्लो. सुनापरान्तात म्हजें 'बोरकारी' हें सदर तेन्ना बरोच

काळासावन चलतालें. त्या सदरान कोंकणी मळार खवदळ घाल्लो. वाचपी दर आयतारा सुनापराल्ताची वाट पळयताले ते 'बोरकारी' पासत आनी सुनापरान्त वाचूंक आरंभ करताले बोरकारी वाचूनच. म्हाका हाचो फिडबॅक मेळटालो. मदीं वर्सभर सदर बंद केल्लें तेन्ना 'बोरकारी बगर पेपर हातांत घेन दिसना' अशेंय आयकूंक मेळटालें. तें सदर पर्थून सुरू करपाची विनवणी आयली तेन्ना ताची ती पावतीच अशें म्हाका दिसलें. हांव अशें तशें म्हणून तत्वगिन्यान कितलेंय सांगू, शेवटी हांवूय एक मनीसूच! म्हज्यांतूय राग, लोभ, मत्सर बी सगळ्यो गजाली आसात. हांव त्यो लिपोवंकूय सोदिना आनी दमनूय करूंक धडपडना. 'बोरकारी' बगर पर्याय ना अशें दिसून म्हजें हड्डें वयर सरतालेंच! कांय काळान सदर बंद केलें. खूऽब जालें. पुरो आतां! म्हणत. तेच वांगडा दुसरोय विचार तकलेंत आयले बगर रावलोना. आतां कशें जातलें काय सुनापरान्ताचें? पूण कोणा बगर संवसार अडना. जो कोण असो विचार करता तो स्वताक फसयता.

एक दीस म्हजी सुवात एका खाडयान आडायल्ली म्हजे नदरेक पडलें. ताचो तो फोटो, ताचें तें हातभर लांब खाड ओशो सारकें, वक्लांतल्यान दिसपी ते भेदक दोळे पळोवनूच ताचें तें सदर वाचचें अशें म्हाका दिसलें ना. कोण हो जाणटो, रूक्ष मनीस? ताका विनोदांतलें कितें माती कळटा? हांव वाचीच नाशिल्लों. पूण ताच्या लिखाणाची तोखणाय कानार पडटाली. मागीर हांवेंच आत्मपरिक्षण केलें. ताचें सदर हांव कित्याक वाचिना? ताच्या फोटवाक पळोवन काय म्हजी सुवात ताणें आडायल्या हे मत्सर भावनेन? बरें आसूं वो वायट, आपली सुवात कोण तरी आडावन बसला ही गजालूच म्हाका पिडटाली आनी कृमचें वाचूंक परावृत्त करताली. म्हळें हें धड न्हय, एक दीस हांवें वाचलें ताचें

सदर आनी रावंक जायना जावन ते खिणाक ताका फोन केलो, 'कृम सुखठणकार? हांव दिलीप बोरकार, तुजें सदर वाचलें. खूऽब्ब आवडलें!' ते वटेनच्यानूय तितलोच प्रतिसाद. मागीर नित्य नेमान वाचन सुरू. फोनाफोनी. मागीर कृम मेळ्ळो, शंकर भांडारी स्मृती पुरस्कारा निमतान. आरे, हो हांव चिंततालों तसलो न्हय मरे! हो म्हज्याय परस भुरगो! हाचे वक्लांतले दोळे भेदक न्हय. ते हांसरे आनी मिश्कील! हाचें खाड सामकेंच वायट ना. ते भायर तो म्हजे 'बोरकारी'चो फॅन. समाजाकडेन पळोवपाची आपलीशी नदर आसा. धोंगांपोंगां अचूक सोदपाची खाशेली कळाशी आसा आनी म्हत्वाचें म्हळ्यार प्रचंड वाचन आसा. रसीक भाववृत्तीचो हो मनीस म्हज्या कलेक्शनांत इतलो काळ कसो आयलोना? ताचो आरसाव म्हज्या कुटुंबांत जालो. जाचो हांव मत्सर करतालों तोच आपल्या लिखाणान बिम्ब सजोवंक लागलो आनी आज ताकाच हांव प्रस्तावना बरयतां. नियती इज ग्रेट म्हणचीच पडटा ती हेच खातीर आनी तेंच येवजून हें बरयतना अदीं मदीं म्हाका खूक खूक करून हांसूंक येता.

कृमचें साहित्य हांवें हे आदीं जेन्ना जेन्ना वाचलां तेन्ना तेन्ना काळजांतल्यानूच न्हय तर काळजाचे खरायेंतले खरायेंतल्यान हांव खूऽक करून हांसलां. विनोदी कलाकृतीचें हें एक म्हत्वाचें यश. विनोदी नाटक, सिनेमा आसूं, विनोदी साहित्य आसूं, काव्यवाचन आसूं वो चित्रां-कार्टून आसूं, तातूंतल्या विनोदाक दाद दितना जो कोण खोखो करून हांसता वो जाका पोट धरून हांसता अशें म्हणटात ती तांतल्या विनोदा खातीरची दाद म्हणू येता. केन्ना केन्नाय ही असली दाद देखावोय आसूं येता. विनोदी प्रहसन, काव्यवाचन बी चलता तेन्ना ह्या हांसपाचो प्रत्यय येता. लाफ्टर क्लबांतले उक्त्या मळार हांसतात तांच्या हांसपामदीं आनी ह्या हांसप्यांमदीं तसो व्हडलो फरक जाणवना. पूण कांय लोक हांसतात,

तांकां विनोद आवडला म्हणपाचें तांच्या मुखामळार नदर भोंवडायल्यार होलमना. पूण जो कोण तांचेकडेन बारीकसाणेन पळयता, ताच्या तोंडावेलो हावभाव पारखिता ताका तो भितरल्यान हांसता म्हणपाची कल्पना येता. वयर शांत दिसपी समुद्र भितर खंवदळटा तसो! हो! हो! खो! खो! बी करून हाडिल्लो अडेचो हांसो सट्ट करून बंद करूं येता आनी तोंडार खिणा भितर गांभिर्य हाडूं येता. पूण काळजाचे खरायेंतले खरायेंतल्यान आयिल्लो हांसो बंद करप शक्य आसना. तो चिडडून दवरलो म्हूण चिड्डना, वयर येताच आनी येतना कुडींतलें रुंवान रूंव हालोवन सोडटा. हें असलें हांसप कोंकणी मनशाची वळख घडयता आनी कृमच्या साहित्याक दाद मेळटा ती असल्याच रसिकांची, तांच्या सभावगुणांसयत. आनी तांचे मदलोच हांवूय एक कोंकणी मनीस!

खंयच्याय पुस्तकाक प्रस्तावना बरोवप म्हळ्यार त्या पुस्तकाच्या लेखका परस आपूण खूब किर्ते जाणां असो समज करून येवन शाणपणा सांगप न्हय, टिका स्वयंवर रचप न्हय आनी समिक्षा करप तर न्हयच न्हय. प्रस्तावना बरोवप म्हळ्यार लेखक तुजो हात धरून तुका जंय जंय व्हरून भोंवडायता थंय थंय मोन्यानी वचप, ताचे कलाकृतीचो आस्वाद घेवप आनी ताचे निर्मितींतलीं नदरेक भरपा सारकीं थळां वेंचप, तीं हेरांक दाखोवन दिवप, जशें आमी कोणालेंय पोरसूं पळयतात, घर पळयतात आनी तें भावलें जाल्यार हेरांक म्हणटात, 'जमता जाल्यार अमक्या अमक्यालें पोरसूं/घर पळय आं!' म्हूण. पळयतल्यान मागीर आपले तांकी प्रमाणे जो किर्ते आस्वाद घेवपाचो आसा तो घेवंदी!

आयज हांसप हें दुर्मीळूच न्हय तर दैवदुर्मीळ जावन गेलां. निर्भेळ हांसो आयज खंयच नदरेक पडना. पडटा तो कृत्रीम टिवी चॅनल संस्कृतायेंतल्यान रुजवणा आयिल्लो. तार्चे कारण म्हळ्यार आयज मनीस

आपल्या पूर्वजांचें गिरेस्त दायज विसरत चल्ला आनी मनीसपण, अध्यात्म, विचार बी गजाली गौण मानून योग आनी भोग हाच्या गुस्पागोंदळांत गोंदळून गेला. भोगवादाक, चंगळवादाक जीवन अशें समजून प्रचंड गतीन धांवपाक लागला. खीणभर हांसतलो, मन रिजवण करतलो अशें कोणाकूच दिसना. लोक आपले मदली सोसणिकायूच शेणोवन बसल्यात. दरेकलो एकमेकाचेर फुरफुरत आसता. रस्त्यावेल्यान वतना एकल्याची दुसऱ्याक मात जरी आडखळ जायत जाल्यार ते एकमेकांच्या आंगार धांवतात. हातूंत दोगांयच्याय मनावेलो ताण वाडत वता. दुस्मानकाय वाडिल्ल्यान मागीर हो ताण फुडाराकूय चालू उरता. असल्या वगतार कोणेंयतरी हो ताण हलको करपाची गरज आसता. त्या मानान अस्तंतेकडले लोक हे बाबतींत उजवे. तेय जिवितांतले सर्तीनी गतीमान आसात, तरीपूण तांकां जिवित कशें जगप तें कळटा. ते आनंदान जियेतात आनी तातूंत हास्य विनोदाचो वांटो चड आसता. तांचें साहित्य जावं, सिनेमा जावं वो टिवी चॅनलावेल्यो कार्यावळी जावं ताणीं मनीस सतत हांसत कसो उरतलो, प्रसन्न कसो आसतलो हाचेर जाणिवपूर्वक लक्ष दिल्ल्याचें दिसून येता. देखूनच तांची जिविताकडेन आशिल्ली ओड दिसता.

तांच्या मानान आमी भारतीय ह्या मळाचेर खूब फाटीं आसात आनी ताचो परिणाम म्हणून आमचे मदली सोशिकताय उणी जायत गेल्या. आयज जावपी सामाजिक दंगे, वाडटे आत्महत्त्येचे प्रकार, मनशाच्या कपलावेल्यो आटयो आनी अगतीक जावन भोंदू बाबांच्या पांयांकडेन शरण वचप हो सगळो प्रकार ह्या गजालींचें द्योतक आसा. हाचें कारण म्हळ्यार मनशामदले विनोदी भावनेचो अभाव. ही भावना थोड्यां भितर निजाचीच आसता जाल्यार थोड्यांक ती केळोवची पडटा. जांचे भितर आसता ते तिचो विकास करतात. बाकीच्यांक ती केळोवपाक वेळ नासता, ते भोगवादा फाटल्यान धांवत

आसतात आनी जेन्ना ताची जाण तांकां जाता तेन्ना खूब उशीर जाल्लो आसता. विनोदी काव्यसंमेलनां, टिवीवेले विनोदी कार्यक्रम, माकडा सारक्यो उडयो मारून ॲक्टींगेच्या नांवान जावपी विनोदी नाटकां, तातूंतले धाडोवन बडोवन तयार केल्ले विनोद, हास्यक्लबांची वाडटी मागणी हें ह्याच दुर्येसाचें उपफळ जावन आसा.

केन्नातरी एका येवरोपी संपादकाचें मनोगत वाचिल्लें. तो खूब बरो ना जालो खंय! खंयच्च्याच वखदान आनी उपायांनी तो सारको जालो ना. वखदां घेवन घेवन तो कंटाळ्ळो आनी शेवटाक तो जबरदस्तीन त्या हॉस्पिटलांतल्यान भायर सरलो. घरा आयलो आनी आपले भितर हांसत रावलो. हळुहळू हांसपाची पट्टी आनी वेळ वाडयलो. लोक ताचेकडेन अजापान 'सुटला हो' हे नदरेन पळयताले. पूण तो किर्तें करता हें ताका खबर आशिल्लें. हे हास्यथेरपींतल्यानूच ताणें आपल्या दुर्येसाचेर मात केली.

हेच घडणुके सारकी एक घडणूक मुंबयत घडली. 'हास्ययोगा'चे प्रवर्तक डॉ. मदन कटारिया हाणीं सांगिल्ली एक गजाल. डॉ. कटारिया हे मुंबयचे एक नामनेचे डॉक्टर. ते स्वता हास्ययोगाचेर अभ्यास करतात. ते आनी तांची घरकान्न माधुरी कटारिया हाणीं संवसारांतल्या ७२ देशांनी हास्ययोग लोकप्रिय केलो. ते हातूंत कशे आयले? हास्ययोगशास्त्राचेर अभ्यास करतना तांकां एक गजाल जाणवली ती म्हळ्यार आमी दिसांतल्यान खूब थोडे हांसतात. आमचीं गुडघ्याचीं दुखणीं, मधुमेह, उच्च रक्तदाब हीं जीं दुखणीं - पिडा बी आसात तांचेर हो हास्ययोग खूब बरो उपाय आसा. ताणीं हाचेर प्रयोग करपाचें थारायलें. चारपांच जाणांक तो सकाळीं मैदानार घेवन गेलो आनी तांकां विनोद सांगून हांसोवंक आरंब केलो. ताचे सकारात्मक परिणाम दिसून आयले. हातूंततल्यान

हास्यक्लबाची संकल्पना आयली आनी ताचो प्रसार ताणीं संवसारभर केलो.

ह्या क्लबांत वचपी लोकांमदीं तळागाळांतल्या लोकांपासून गिरेस्त, उच्चशिक्षीत लोकां मेरेनचो आसपाव आसता. हास्ययोगाच्या निमतान एकठांय आयिल्ल्यान तांचेमदीं इश्टागत घडून येता, अहंकार पयस जाता असो तांचो अणभव आसा.

विनोद हो मनांत खोस, उमेद, आनंद निर्माण करपाचें एक म्हत्वाचें साधन. तुमी खऱ्यानीच खोशी आसात वो खोशी आशिल्ल्याची कल्पना करतात, तें तुमचे कुडीक जरी कळना आसलें तरी मनाक तें कळटा. कृत्रीम कांय जायना, असो हांसो केलो काय शरिरांत ज्यो तरातरांच्यो ग्रंथी आसात तांतल्यो कांय ग्रंथी वेदना पयस करपी स्त्राव सोडपाक लागतात. कुडीच्या ह्या कार्याक लागून मनशाची कूड ताण रहीत, वेदना रहीत जावंक पावता.

मन प्रसन्न उरत वो तें दवरीत जाल्यार कुडींत सकारात्मक उर्जेची निर्मिती जाता, वैफल्य, नकारात्मक विचार, ताण ह्यो गजाली पयस जातात अशी हास्यक्लबांत वचप्यांची धारणा आसा. ह्या लोकांनी हो जो हांसपाचो वसो येतला ताचें तत्व म्हळ्यार 'हांव स्वता हांसत रावतलों, हेरांक हांसयतलों पूण कोणाक केन्नाच हांसचोना.'

हांसोवपाचें काम हें श्रेश्ठ दर्जाचें काम. आदल्या काळार राजा महाराजा आपल्या दरबारांत विदुशक दवरताले. सर्कशींत विदुशक आसले बगर सर्कस लोकप्रिय जायना. खंयचेंय साहित्य, सिनेमा, नाटक कितलेंय गंभीर आसूं, तातूंत अदींमदीं विनोदाची फाफुडणी केल्ली नासत जाल्यार तें रसिकांचे पसंतीक उतरना. विनोदाबगर तातूंत अळणीपणा, रूक्षताय येता. विनोद मुद्दम केल्ले आसूं वो नातुराल, तातूंततल्यान निर्माण जाल्लो हांसो सहज आसूं वा अडेचो. कसलेंय तरेचो हांसो आसलो तरी आमचें मन

तो हांसोच धरता अशें तज्ज्ञाचें मत आसा. तेच नदरेन मेंदू मागीर कुडींतले ग्रंथींक एंडॉर्फिन हो स्त्राव सोडपाचो आदेश दिता. ह्या स्त्रावाक लागून मन प्रसन्न उरता. कुडीक कसलीच पिडा आफडूंक पावना.

हें सगळें जर खरें आसत जाल्यार मागीर वेगवेगळ्या ताणाखाल चिड्डून गेल्ल्या समाजा भितर हांसो कोण निर्माण करतलो? 'हांव स्वता हांसत रावतलों, हेरांक हांसयतलों पूण कोणाक केन्नाच हांसचोना' हें तत्व कोण राबयतलो? जेन्ना म्हजे मुखार हो प्रस्न उबो रावता तेन्ना ताका जाप म्हूण म्हज्या मुखार कृमचें लेखन उबें रावता. कोंकणी समाजांत आयज निर्भेळ विनोदाचें दुर्भिक्ष्य आसा. वयर सांगिल्ले प्रमाण विनोदाचो बाजार जाल्लो दिसता. धाडोवन बडोवन विनोद पिकयतात आनी तो गरजेक आयिल्ल्यांक विकपाचें रॅकेट गोंयांत चलता तेन्ना कृम सारको समाजांतल्या ह्या धोंगांपोंगाचेर बोटां दवरपी मुखार सरता ताका येवकार मेळटा.

आमच्या सरभोंवतणी समाजांत दिसपट्ट्यो कितल्योतरी घडणुको घडटात. पूण त्या घडणुकांतलो विरोधाभास कोणाच्या लक्षांत येना, ती करणी करतल्यांच्याय आनी पळयतल्यांच्याय बी. भ्रश्टाचारा आड आवाज काडपा खातीर अण्णा हजारेन चळवळ सुरू केली. हे असले चळवळींत हांव सुर्वेक सावन आसां. म्हाका लागींच्यान खूबशो गजाली पळोवंक मेळ्ळ्यात. जांचें भ्रश्टाचार केल्या बगर वो करूंक दिले बगर एकूय पावल मुखार पडना, तांकां हे चळवळींत सामके मुखार पळोवन म्हाका हांसचें काय रडचें हेंच कळनाशिल्लें. एका मोर्चांत आमकां चडांत चड लोक जाय आशिल्ले. 'मैं अण्णा हूँ'चो व्हायरस तसो बरोच फाफसल्लो. तरणें रगत तर अतीच उचंबळीत जाल्लें. भ्रश्टाचारा आड पेटून उठिल्ले तीग तरनाटे माथ्याक 'मैं अण्णा हूँ'च्यो तोपयो घालून एकेच मोटर

सायकलीन मोर्चाक आयिल्ले. पर्थून वतना तांकां पुलिसेन आडायले. तालांव नाका म्हूण तांतल्या एकल्यान पुलीसेच्या बोल्सांत शंबर रुपया घाले. जाका विरोध करूंक हे भुरगे आयिल्ले तेंच ते करताले. खरें सांगपाचें जाल्यार म्हज्या तें लक्षांतूय येवंक ना. इतले संवकळीचें, नित्यनेमाचें जाल्लें हें!

पूण जेन्ना हांवें कृमचो ह्याच पुस्तकांतलो आरंबाचोच लेख वाचलो तेन्ना हांव तटाकलों. कृमन 'मैं अण्णा हूँ' ह्या लेखांत आपले भितर संचारिल्लो अण्णा, उपोशणाची खुमखुमी आनी वास्तवीक जिवीत, घरांतली लायट गेल्या, घरकान्न लायट ना म्हूण मिक्सर सुरू करपाक अडचल्या, लेखक अण्णा जावन भ्रश्टाचारा आड उपोशण करपाक वता, घराकडेन रांदपा खातीर घरकान्न अडचल्या. ती फोन करून तुजो उपास म्हत्वाचो न्हय, म्हजें रांदप म्हत्वाचें अशें सांगता. रींग टोनूय 'मैं अण्णा हूँ' असोच आसता फोनाचो. उपास थंयच सोडून मागीर लेखकाचें लायटीकाराक सोदूंक वचप, तो बाडगना तें पळोवन ताच्या बोल्सांत पन्नासांची नोट घालप आनी तो लायट सारकी करतलो हाची खात्री करून मागीर भ्रश्टाचारा आडच्या उपासाक बसप हो सगळो प्रकारूच आयचे सामाजीक अवतिकायेचें भाश्य करपी.

खंयच्याय पुस्तकाविशीं दोन शब्द बरोवपी बी जे कोण आसात ते त्या बरपांतले कांय प्रसंग येवन ताचेर आपलें भाश्य करतात. लेखक केदो तांकीचो हें दाखोवंक जगावेल्या कांय लेखकांकडेन, तांचीं नांवां दिवन तुळा करतात. पूण कृमच्या 'चिमटे धुमके' कोणाचकडेन तुळा करपा सारके नात. ते फक्त कृमचे! तरी लेगीत अण्णाची गजाल हांवें घेतली ती हांव चळवळींत आसूनय म्हजे नदरेक हें पडलेंना आनी कृमन अचूक ती पडणूक कशी हेरली हें सांगपा खातीर!

कृमच्च्या बरपाचो हांव एक निरिसिम भक्त म्हणपाचें हांवें मान्य केलांच. जे जे कोण म्हाका मेळळ्यात, जाणीं कृम वाचला ताणीं तर ताच्या लेखनाची भरभरून तुस्त तोखणाय केल्या. ती करतना सुर्वेक हांसल्यात आनी हांसतां हांसतां जे पध्दतीन ते ती तोखणाय करतात तें पळोवन हांव आनी किर्ते कपल भाश्य करतलों कृमच्च्या बरपाचेर? अशी म्हजी अवस्था जाल्या.

कृमच्च्या दरेक लेखांत, लेखांतल्या दरेक पानार, पानावेल्या दरेक परिच्छेदांत, परिच्छेदांतल्या दरेक उतरांत ताणें कोणाची तरी उडयल्या हाची कल्पना येता. एक दोनूच अपुर्बायेचे प्रसंग आसल्यार मोरत्र म्हूण ते सांगूं येतात पूण हांगा दरेक उतरूच त्रोसां मारीत मारीत वता. तेन्ना खंयच्च्या प्रसंगाच्या वर्णनाक हांसचें आनी खंयच्च्या प्रसंगान अंतर्मूख जावचें तेंच कळना. त्रोसां मारलीं, ताचेर कोणूय हांसलो म्हूण साहित्य उजवें आसना, पूण अंतर्मूख जावन ताचेर विचार करूंक लायता, हांसतां हांसतां मनांत तिडक हाडटा तें साहित्य मोलावप भोव कठीण.

लेखकाचें यश कित्यांत आसता? लेखकान बरयलें काय ताचें कार्य सोंपलें. मागीर वाचप्यांचें सुरू जाता. वाचप्यान लेखकाचे नदरेन वाचूंक आरंब केलें आनी लेखकाचे नदरेन आस्वाद घेतलो जाल्यार त्या साहित्याचें यश कितलें हें खबर ना. पूण बरपी वाचकाची नदर उक्ती करता आनी ताका वेगवेगळ्या आयामानी विचार करूंक लावन आस्वाद घेवपाची उर्मी ताचे भितर निर्माण करता तेन्ना वाचक तृप्त जाता. तातूंतच बरोवप्याचे साहित्यकृतीचें यश आसपावता. कृमचें यश तें हें.

कृमच्च्या ह्या 'चिमटे धुमक्यां'तलो खंयचोय लेख घेयात. तो वाचतना तातूंतली दरेक व्यक्तीरेखा तुमचे मुखार डायलॉगां सयत उबी रावतली. आमच्या शाळा-कॉलेजीनी विनोदी एकांकींचो दुकळ पडटा. मागीर

कोणतरी गरजेक आयिल्लो हाचे ताचेकडेन तोंड फाफुडटा. कोणूय आपूण पाडटा वो दुसऱ्याक पाडूंक फोर्सार करता. तातूंत सैमीक विनोद नासताच, आसतात हीन दर्जाचे, हीन अभिरूचीचे विनोद. लोकांक हांसोवप ही एकूच मोख दवरून कलाकार मागीर मर्कटलिला करतात. ते वेळार प्रेक्षकांक हांसचें काय रडचें तेंच कळना. ते सोंसून येतात. ह्या विनोदी नाटकांनी ना विनोद ना सामाजीक संदेश आसता. कृम सुखठणकार असल्या बरोवप्यांक आपल्या विनोदी लेखांतल्यान बरे विशय दिता. तातूंतल्यान उत्कृश्ट दर्जाची विनोदी एकांकी निर्माण करूं येता, जाका लागून प्रेक्षकांच्या पोटांत हांसूं हांसून मुड्डी पडूं येता तें जालेंच, ते भायर समाजाचीं धोंगांपोंगां बारकायेन चित्रायल्ल्या कारणान समाजाची मानसिकतायूय हातूंतल्यान बदलूं येता.

त्रोसात्मक, उपहासात्मक लिखाणांत बुचकप जावंक फावना. म्हजे बोरकारींत तें जातालें खूब खेप! मांजर पांयांकडेन बी खेळटा. पूण ताचीं नाखटां लागून ओरखडे येतात तशे ओरखडे म्हज्या बरोवपांतल्यान आयिल्ले दिसताले. माजराचो जातालो खेळ पूण हेरांक मात भगभगतालें. कृमच्या चिमटे धुमक्यांत तें ना. वांस्वेल खंय खेळोवन खेळोवन खातकुतल्यो करून सावदाक मारता. म्हाका अणभव ना. भोवतेक कृमचें बरप तेच जातीचें आसत! कांयच कळूंक दिनासतना तो वेवस्तीत उडयता.

कृम बरयता तसल्या साहित्य निर्मणे खातीर प्रचंड वाचन आनीक निरिक्षण शक्त आसची पडटा. निखळ निरिक्षणशक्त आसली म्हूण उपकारना. हे शक्तीचो अचूक आनी दरेक प्रसंगार वापर जावंक जाय. मुखेल म्हळ्यार घट्ट बरी याद गांठीक उरूंक जाय आनी जेन्ना बरोवंक बसता तेन्ना खंयचे गांठींत किर्ते आसा हाची अचूक बरी याद करून त्या त्या वाक्यांत मुदयेर थीक शी तांची मांडणी जावंक जाय. खूब कठीण

कला ती! जाका साधता वो ही सिकंदर. कृमक हेच खातीर हांव सिकंदर मानतां ह्या साहित्य प्रकारांतलो.

कृमन म्हळ्यार लेखकान आपल्या साहित्यांत चित्रायल्लो आपलो घराबो, शेजारी पाजारी, इश्ट मित्र, वळखी पाळखीचे हांकां सगळ्यांक हांव वळखतां. हांवच न्हय ताचो दरेक वाचक वळखता. हांव जंय जंय वतां थंय म्हाका हे कॅरेक्टर सांपडटात. ते नदरेक पडले बराबर म्हाका याद जायना आनीक हांव चिंतूंक पडटां, हांकां हांव वळखतां खरो, पूण खंय काय? मागीर फट्ट करून याद जाता, 'आरे ही/हो कृमची पिल्लावळ मरे!' मागीर तांचेर नदर थिरावता, ती नदरेआड जायसर! उप्रांत काळीज हांसत रावता, खूक खूक करून, भितरल्या भितर! भायर दाखोवंक मेळना तें, कोणूय पळयतलो 'हो सुटला दिसता' अशें म्हणत म्हूण! तांकां खंय खबर, हांव कृमचें साहित्य वाचतां म्हूण!

सहसा खंयचोच लेखक दुसऱ्याविशीं इतली तुस्त करिना. हातचें राखून दवरता. क्रिस्तांव धर्मांत कुमसार जावप म्हण आसता. आपल्या मनांतलें पाद्री मुखार उक्तावन हे लोक निर्मळ जातात आनी मनावेलो ताण पयस करतात. हांव केन्ना कुमसार जावंक ना. पूण हे खेपे मात जाले बगर रावूंक जालें ना. मागीर म्हणूं ताका कोर्णेय... हें तर कुमसारपण मरे...!

– दिलीप बोरकार

आगशी – गोंय.
मो. : ९८२२१३६८८५

मांडावळ

मैं अण्णा हूँ / १

देवतेऽऽ पाव / ६

चीट / ११

दीस कोणा कोणाचे? / १६

म्हजें दुवेंस / २०

दुस्याकडली दसण / २६

आय हाव ! पानार ना कांय ! / ३२

समुन्दर में नहा के ... / ३८

कोजागिरी / ४२

सोयरीक जमोवप - एक कला / ४९

महिला सबलीकरण / ५५

महिला दिन - तोय बी आमगेर / ६०

६६ / दिल माँगे मोर

७१ / म्हजेर आकांत केन्ना येता...

७७ / सिनालां

८३ / सिरियल किलर

८९ / चलता है...

९६ / ज्याच्या हातांत स्टेअरींग

१०२ / जावरात

१०८ / जेथे जातो तेथे

११४ / घटस्फोट

१२१ / माय तापता

१२६ / हांवूय लेखक

मैं अण्णा हूँ

आमच्या अण्णान भ्रश्टाचारा आड आंदोलन सुरु केल्ल्याक तांकां देशांतल्यानूच न्हय तर अख्ख्या संवसारांतल्यान तेंको मेळटा. सगळे बाबतींत आमचो गांव फुडें, ह्या वेळार तो फाटी रावता? रोखडेंच थळाव्या आमदारान (उदका टांकी फेम) आनी थळाव्या पंचान थारायलें की अण्णाक सांखळी उपोशण करुन तेंको उक्तावपाचो.

उपोशणाची सुरवात आमच्या वार्डांतल्यान आनी तीय बी आमच्या घरांतल्यान जावपाची. हें कळ्ळ्या बरोबर आमचें घर 'अण्णामय' जालें (मायनस घरकान्न मायनस आई). अण्णाक तेंको आमच्या घरांत सकाळ पासून सुरु जालो. तोंड धुवपाक पेस्ट हातांत घेतल्या मात,

"बाबा, अण्णा सामको खादी आनी व्हॅज आं, तुमी ओगीच पेस्टीन तोंड धूंव नाकात! थंय तुमच्या खातीर कोळसो काडून दवरला."– आमगेलें पात्र नं.२ (इकरावी आर्टस्, एटीकेटी).

"ताणी कित्यानूय तोंड धुल्यार काल घेतलां ताचो दुसऱ्याय दिसा दनपार म्हणसर वास येता." – आमगेली ही (महिला मंडळ अध्यक्ष २००८)

“आसूं आं.” हांव आनी वाद घालपाच्या मुडांत नाशिल्लों.

तोंड धुतना एकदम याद जाली, अण्णाक तेंको दिवप म्हळ्यार माथ्यार *'I am Anna'* ही तोपी जायच, नाजाल्यार सगलें फुकट. तोपये बगर उपोशणाक बसप म्हळ्यार जगार हांशें करुन घेवप.

“आगो माथ्यार *'I am Anna'* तोपी जाय आशिल्ली मगो!” हांवें हिका म्हळें.

“ती आनी आतां खंयच्यान हाडूं?” ही ताणशेली.

“तुवें मनार घेतल्यार कितेंय जाता. मनार मात घेवपाक जाय.” हांवें हिका मात्शी फुलयली. नाजाल्यार आमचीं कामां जातात?

ही रोखडीच भुल्लुसली आनी आपलो नवोताल्ल धवो घागरो कापून एक तोपी हातांत दवरली. हांवें ताचेर स्केच पेनान *'I am Anna'* बरयलें.

“बाबा तुमी *BBSM* मंचाचे वांगडी न्हय, इंग्लीशींत बरोवन कशें जातलें?” आमचें पात्र नं.३ (‘आठवी मेरेन नापास ना’ ह्या सरकारी धोरणाची पयली बॅच.) ताणें *I am Anna* मुखार *Not in English* जोडलें. आमचो हो सामकोच भोटो न्हय. हांवें मनांत ताका तोखेलो.

“सकाळच्यान अण्णा अण्णा कितें पालुपद लायलां?” भितरल्यान आई पिरंगली. अण्णा म्हणटना तिका खोकलेची उबळ शी आयली.

“आगे पापणी तुका अण्णा खबर ना? आमचो सगल्यांचो गांधी मगे तो!”

“म्हाका सकयल्या वाड्या वयलोच अण्णा खबर आशिल्लो. तो आसतना आमगेर म्हशीचें दूद घालतालो. तो गेलो आनी दाट दुदूय गेलें... आतां गोवा डेरीच्या दुदाक चुट्टी लाय व्हरुन....!”

इतल्यान “बाबा कोण पळय!” माळयेच्या सोपणां कडल्यान आवाज आयलो. पळयल्यार आमचें पात्र नं.१(उगतें मळब फेम).

“आगो हो कितें अवतार घेतला! सल्वार कमीज आनी ताचेर जाकीट!” हें जातनाच चार आणें फाल्त असो म्हाका दुबाव मारत आयला.

“बाबा तुमी म्हण सामकेच. हांव किरऽऽण. जहाँ अण्णा वहाँ किरण!”

“आनी ते हात रेल्वे गार्डा सारकें हालयता शे?”

“किरण फ्लॅग हालयतना पळोवंक ना तुमी? माचयेर चडटकच हांव फ्लॅग हालयतलें अश्शेंऽऽऽ.” ताणें नक्कल करुन दाखयली.

“बाबा म्हाका पळय.” –पात्र नं.२.

“आरे तुवें, हांवें चवथीक हाडिल्लो शर्ट सो घाला?” आतां म्हाका भिरभिरी मारली.

“तुमी केजरीवालाक पळोवंक ना?”

“आरे पूण तो तुका केदो व्हडलो जाता रे?”

“पूण केजरीवाल धोंपरा मेरेन *out shirt* करता न्हय!”

“तुमी उपोशणाक येतलीं काय फॅन्सी ड्रेस कोंपिटिशनाक येतलीं?” हांवें तिडकीन विचारलें.

“बाबा वातावरण निर्मिती माचयेर जावं नाका?”

“दोन भूषण कमी पडले ते आमच्या फामिलींत ना. देव पावलो!”

“आतां दोन मनीस आमचे फामिलींत कमी पडले जाल्यार भुरग्यांचो कितें गुन्यांव?” ही आपले परीन जोक सो करून पदर तोंडार धरुन किटकिटली.

“आसूं आसूं. पुरो तुजो इनोद.” हांव भायर सरपाचे तयारेक लागलों.

धवो फुल्ल कुर्ता पिजाम आनी तकलेर *I am Anna not in English* आनी मैं अण्णा हूँ अशी तोपी घालून भायर आयलां मात दारांत आमगेलें संवंग हातांत निरंजन आशिल्लें तबक घेवन उबी.

“हें आनी कितें?”

“दिसभर मटक्याचो हिशोब करपाचें सोडून मात्शे मराठी सिरियली

पळेयात, मागीर कळटलें कितें तें!'' (सांजेचें ७.३० 'म्हाजं तुम्हाला पडलच नाही' आम्हीच मराठी चेनल) अशें म्हणत म्हाका हिणें ओवाळ्ळो.

''केन्ना न्हय तें बऱ्या कामाक भायर सरल्यात तेन्ना अशें ओवाळचें आसता.'' हिणें सांगलें.

हावा शिवा करुन हांव माचयेर पावलों. वयर चडून जमिल्ल्या गांवच्या लोकांक हात हालयलो. आमचें किरण फ्लॅग हालोवपाक लागलें. माचयेर हातरुण आनी लोडां दवरिल्लीं थंय घालून घेतलें. इतल्यान आमगेलो केजरीवाल येवन काना कडेन फुतफुतपाक लागलो.

''आरे काना कडेन कितें फुतफुतता?''

''बाबा पत्रकार आयल्यात. फोटू काडटात.''

''मागीर?''

''तुमी सगळ्या दिसाळ्यांनी अण्णाचे फोटे पळोवंक नात? तातूंत केजरीवाल सदांच अण्णाच्या काना कडेन फुतफुतता. म्हणून हांवें ही पोज घेतली.''

इतल्यान 'मैं अण्णा हूँ..... मैं अण्णा हूँ.....' असो आवाज म्हज्या सकयल्या बॉल्सांतल्यान येवपाक लागलो. बॉल्सांत हात घाल्यार म्हजो मोबायल.

''हें आनी कितें?''

''वातावरणाक फावो असो रिंगटोन.''

फोन घरचो, घरकान्नीलो.

''हांवें हुमणाक वाटूंक घेतिल्लें. ज्यूस्त लायट गेली. वाड्यार सगळे कडेन आसा. मात्शे पळेता न्हय?''

''आगो हांव माचयेर उपोशणाक बसलां खबर ना?''

''तुमी उपोशणाक बसले म्हूण हांगां खावपी तोंडां ना? पयलीं लायटीच्या ऑफिसांत वचात आनी मागीर थंय बसात.''

हांवें मनांतल्यान गाळी घालीत कार्यकर्त्यांक रोखडो येतां म्हणून सांगलें. लायटीच्या ऑफिसांत आयल्यार दामू लायनमॅन दांत कोरीत बसला.

“आरे आमची लायट ना मरे. वाड्यार सगळे कडेन आसा.”

“खांब्यावेलो फ्यूज गेला आसतलो!” दोळे धांपून आतां तो दाड कोरपाक लागलो.

“मागीर?”

“आमचे कडेन एकूच नीसण आसा ती सावळो व्हडल्या शिगम्याक घेवन गेला. आतां आमी जाण्टे जाल्या, चडोंक जायना.... तातूंत पावसान आनीक शेळो धरला!” दामून दांत कोरपाचें पवित्र कार्य चालूच दवरिल्लें.

हांवें मोन्यानी ‘मैं अण्णा हूँ’ तकले वयल्यान काडली आनी तातूंतली पन्नासाची नोट दामूच्या हातांत दवरली.

“हांवें तुमकां केन्नाच ना म्हणलां पात्रांव?” दामून हातांतली काडी कोनशाक मारली आनी उठलो. “तुमी बसात उपोशणाक हांव सावळ्याक घेवन वतां घरा कडेन.”

हांव फाट करुन उपोशणाक वचपाक भायर सरलों. बॉल्सांत ‘मैं अण्णा हूँ ...मैं अण्णा हूँ...’ म्हजो मोबायल वाजतालो.

देवतेऽऽऽ पाऽऽऽव

देव देंवचार हांचेर विश्वास दवरप्यां पयकी हांव न्हय. 'किसूळ' वाचून वाचून म्हजी अशी स्थिती जाल्या अशें आई म्हणटा. खरें फट देव जाणा. घरचीं म्हज्या उरफाटीं. घरकान्न तर पावला पावलाक 'देवतेऽऽऽ पावगेऽऽऽ' म्हूण आड्डत आसता. आईक तर देवाचेरुच न्हय फाटल्या जल्माचेर लेगीत विस्वास आसा. 'फाटल्या जल्मांत खंय बसून तप केल्लें देव जाणा म्हणून तुजे सारकें अरवळ जल्माक आयलें' अशें म्हणत ती म्हाका त्रोसां मारीत आसता.

आमगेलें व्हडलें (उगतें मळब फेम) येतना आवयचें रुप आनी राशीक मंगळ घेवन आयलां. बापायक आपल्या खातीर बरींच जोतीं झरोवचीं पडटलीं हाची ताका कल्पना आसा. म्हणटकच तें आतां सावनूच शेनवार बी करपाक लागलां. आमगेली शुक्रार करता (मैं तो आरती उतारुं रेऽऽऽ संतोषी माता कीऽऽऽ, ही आरती दर शुक्रारा हिच्या आवाजांत आयकुची पडटा. संतोषी मातेक म्हजी काकुळट केन्ना येतली तिकाच खबर!).

अश्या ह्या घरांत हांव नास्तीक म्हळ्यार जाता. अंदू कितें जालें कोण जाणा अचकीत मनांत आयलें की नवरात्रांनी कवळ्यां वचचें. देवतेचें दर्शन घेवन किर्तन बी आयकून येवचें. किर्तन आयकल्यार वर्सांच जालीं. हांवें तशें हिका म्हळां मात, ही आपले पोले फोडून घेवपाक लागली.

''जावं! देवताच पावली! तिकाच म्हजी काकुळट आयली आनी तुमकां ही बुद्द दिली! म्हजी आई (म्हणचे म्हजी मांय, हय अजून घटमूट आसा) सदांच सांगताली देवतेन सपनांत येवन म्हाका मागिल्लें खंय!''

हें आयकून म्हजो देवतेचेर आशिल्लो नाशिल्लो विस्वास उडलो.

नवरात्रांनी, पंचमीक आमी कवळ्यां गेलीं. महापंचम आशिल्ल्यान दर्शन घेवपाक व्हडली रांक आशिल्ली. व्होंट भरपा खातीर रांकेंत बायलांच चड आशिल्लीं. दोळे धांपून हांवें हात जोडल्या मात...

''देवीक न्हेसयला तो शालू कमीच कमी २६ हजारांचो आंऽऽऽ शामली!'' म्हज्या फाटल्यांतल्यान कॉमेंट आयलो. फाटल्यान पळेल्यार एक बॉबकट.

''म्हजेय कडेन पोपटी कोराचो आसा गो शालू, तेन्ना २६ हजारांक घेतिल्लो पूण न्हेंसपाक खंय पावतां? निमणें शुभमाचे मुजीक न्हेशिल्लें तितलेंच!''–दुसरो बॉबकट.

''देवतेच्या गळ्यांत लॉकेट पळेलां मगो? म्हजेच असलें. नॉट लॅस दॅन ८० थावजंड आंऽऽऽ!! आयज रमेश म्हाका तेंच घालून यो म्हणटालो. घाल्लें जाल्यार देवतेचें आनी म्हजें काय बरें मॅचिंग जावपाचें न्हय!''–पयलो बॉबकट.

''भटाक पळय गो! वळखिच्या बायलांक बऱ्यो फातयो काडून दिता. आमचे सारक्यांक मात फुलांच्यो पाकळ्यो!''–म्हजे फुडलो पिकिल्लो आंबाडो.

''हो तो आमगेल्या सुधालो जावपी जांवय गोऽऽऽ? जोडी अजिबात सोबची ना आं, आमचें लता काऽऽय बरें दिसता!'' –तोच आंबाडो पर्थून.

थंड तकलेन देवतेचें दर्शन म्हज्या नशिबांत ना तें रोखडेंच म्हज्या लक्षांत आयलें. कशें बशें दर्शन घेतलें आनी खूब वर्सांनी किर्तन आयकुपाक खांब्याक तेंकून बसलों. 'महिलांनी ह्या बाजूला बसावे' हे पाटये वटेन ल्हवूच नदर घुंवडायली आनी म्हज्यो कितल्योशोच यादी चाळवल्यो. कांय यादी दोन भुरग्यांच्यो आवयो जाल्ल्यो, थोड्यो यादी आंगान सुटिल्ल्यो (एका टायमा वयली आशा पारेख).

'देवळात शांतता पाळावी' हे पाटये खाला बशिल्ल्यांचेर नदर मारली आनी मनाची शांतताय भंग जाली. कॉलेजीच्या दिसानी पावलों. वक्ल काडलें आनी मात्शें पुसलें (तितलेंच आतां म्हज्या हातांत आसलें).

आमगेली 'महिलांनी ह्या बाजूला बसावे' वटेन गेली आनी बायलांमदीं वचून बसली. तेवटेन बशिल्ल्या सुंदर बायलांक दिश्ट लागत म्हूण हिका बसयल्या काय अशें म्हाका दिसलें.

हांव आतां बुवा किर्तनांत कितें सांगता तें लक्ष दिवन आयकुपाक लागलों.

'यस्य भार्या गृहे नास्ति साध्वीच प्रियवादिनी ।
अरण्य तेन गन्तव्यं, यथा अरण्यम तथा गृहम ।'

"भीष्म म्हणटात सच्छील व प्रीय भाषण करणारी अशी भार्या ज्याच्या घरात नाही त्याने अरण्यात जावे कारण जसे अरण्य तसे त्याचे घर आहे." बुवा सांगतालो. हांवें तेवटेन आमचे भार्येकडेन नदर मारली आनी आमच्या घरा कडेन खंय अरण्य आसा काय हें चिंतपाक लागलों.

"अहो रेगे, केन्हां आलात?" हांवें आंग काडलें. फाटल्यान नदर मारल्यार जायते मुंबयकार म्हाजन बशिल्ले.

"आज सकाळीच पोहोचलो, पावलूनी आलो. कसला स्लीपर कोच हो? सगळं अंग शेकून निघालं!" रेगेन जाप दिली.

"न मौख्याद अधिको लोके कचिद अस्ति इह दुःखद ।"

‘‘मुर्ख माणसांपेक्षा दुःखदायक असे जगात काही नाही.’’ बुवान हें वाक्य ओगीच म्हाका पळोवन म्हणलां शें दिसलें. हांव सावरुन बसलों.

‘‘शिरवईकर तुमचा मुलगा यू. एस. ला सेटल झाला की काय?’’– आनीक एकलो.

‘‘मग काय! आजची शिकलेली पिढी ती! थोडीच इकडे राहणार.’’ –दुसरो.

‘‘सोरी अं! पोटात गॅस झाला, भटजीकडे तीन दिवस सतत डाळीचा मारा!’’

थोडो वेळ म्हाका गॅस चेंबरांत आशिल्लेवरी दिसलें. फाटल्यान पळेल्यार सगळ्यांनी नाकार हात धरल्या. तांचीय परिस्थिती म्हजे सारकीच जाल्ली आसुंये!

‘‘देवळाच्या बाजूला घरगुती मासळीचं जेवण मिळतं. आम्ही आल्या बरोबर अभिषेक करुन टाकला मग मासळी खायला मोकळेऽऽऽ!’’ – आनीक एक बुदवंत.

‘‘अहो आपण सगळे वर्षातून एकदा चुकून किर्तनाला येता तेव्हा शांतपणे किर्तन ऐकावे ही माझी प्रार्थना आहे.’’ बुवा काकुळटेक आयलो.

‘‘अगं ह्या वेळेला सुका बाजार मिळालाच नाही.’’ महिलानी ह्या बाजूला बसावे तेवटेंतल्यान डायलॉग सुरु जाले.

‘‘गेल्या वर्षी बाणस्तारीला शुक्रवारी स्पेशल जाऊन सुका बाजार आणला होता.’’ –पोपटी साडी.

‘‘गेल्या वर्षी दसऱ्या पर्यंत चांगलं उन होतं. मुंबईला जायच्या अगोदर बाजार एकदम सुकून नेला होता.’’– तांबडी साडी.

‘‘आगो सुमनाल्या व्हडल्याची नविदाद आसा काय कितें गो? पोट मात्शें दिसता. मायांत लग्न जाल्लें न्ही गो ताचें?’’ –एक आतीबाय.

‘‘आगो चलयांनी अशें बसप सोबना! लोक म्हणटले आपणेन काय

विश्व कोंकणी
MANGALURE

देख दिली ना म्हूण.'' –एक व्हनीबाय आपले मिनी घाल्ले चलयेक देख दिताली.

''आगो फाटलें दार आड केलां मगो सारकें? तूं शीलाचेर पातयेंव नाका आं! भजर तें सामकें. ओगीच भंय दिसता गो, आमचो लॉकर ल्हान मगो सगळें भांगर जायना तातूंत. अर्दें घरांत दवरचें पडटा.''–एक ताईबाय.

''मीरा धुवे बरोबर आयलां काय कितें गो? सुने बरोबर पटऽना शें दिसता.'' –वयली व्हनीबाय खबऱ्यांच्या रंगार आयिल्ली.

''मीरा धुल्लो तांदूळ समजुनाका आं! ताचेंय कोणाच कडेन पटना.'' आतां ताईबाय व्हनीबायची जुगलबंदी सुरु जाली.

''आता आम्ही देवीच्या नांवाने गजर करुया म्हणजे ज्याचं लक्ष किर्तनाकडे नाही ते किर्तनाकडे वळेल.'' बुवा पर्थून काकूळटेक आयलो.

''टायम काय झाला हो? पांयांना मुंग्या आल्या.'' कोणाच्या तरी पांयांक मुंग्यो आयिल्ल्यो आनी म्हजे तकलेक हाणीं मुंयो हाडिल्ल्यो. हांवें हिका उठ म्हूण सिनाल केलें. ती शेजान्नीच्या गळ्यांतल्या हाराक पळेत उठली.

कित्याक म्हूण कोण जाणा देवते सामकार म्हजी तकली आपशींच बागवली. सायबिणी भोगोस आमकां, सगल्यांचे वतीन हांवें मनांत मागलें. आमी भायर आयलीं आनी गाडयेंत बसलीं.

''ज्याना गप्पा गोष्टीत रस आहे त्यानी देवळा बाहेर जावे.'' बुवाचें पासियेंस आतां काबार जाल्लें.

''आचार प्रभवो धर्मः
धर्माचा उगम चांगल्या आचरणांत आहे.''

गाडी पयस पावली तरी किर्तन म्हज्या कानार पडटालें.

चीट

काल टेबलाचो खण निवळ करतना हिणें आमचो तेर्म जातकच बरयिल्ली चीट सांपडली. चीट आयज वाचतकच, दादलो लग्नेतकच कुड्डो जाता हें पटलें. दोळ्यांत दुकां आयलीं. चिटयेंतलीं 'प्राणनाथ', 'पांयांची दासी' हीं उतरां वाचतकच हुंडक्यार हुंडके आयले. ती चीट अशी आशिल्ली.

।। श्री चौरंगीनाथ प्रसन्न ।।

०२.०५.१९९०

मोगाळ प्राणनाथ,

चीट बरोवपाक उशीर जालो म्हण रागार जावं नाकात आं! आतां लांब लचक चीट बरोवन तुमचो शीण पयस करपाचो यत्न करतां. आमचो तेर्म जातकच हांव दिसभर तुमचेंच चिंतत आसां. विद्येच्यान तर! हे फावटी चीट बरोवपाक कळाव जवपाचें कारण म्हणल्यार, आमगेर पापड करपाक घेतल्यात. बाबान कुंवाळे हाडल्या. वडयोय करपाक घेतल्यात. आतां हें सगळें आमच्याच खातीर न्हय? मात्शें चिंतात. तुमचे चिटयेची हांव दोळे लावन वाट पळयतां. नरेंद्र पोस्टमॅन पयलीं 'डाकिया डाक लाया' अशें

म्हणत म्हाका चीट दितालो. आमची सोयरीक जाल्ल्याक तो हें पद म्हणपाचो बंद जाला. पयर तर ताणें तुमचें पत्र पोरसांत उडयलें!! हालीं म्हाका सगळीं जाणा तुमचे वयल्यान चाळयतात! पयर शोभान तुमी लागीं आसतना शिंकू पसून नाका अशी शिटकावणी दिल्या. हांव शिंकल्यार तुमचो बत्तीस किलोचो देह खंयच्या खंय उडून वतलो खंय, सुबेज खंयचे कडलें!! लग्न जातकच सगळे दादले सुटून पडटात, तुमीय सुट्टले. म्हजें वजन मात देंवोवपाक जाय. सद्या ८२ कील आसा. हांवें उश्या कवरां भरपाक घेतल्यांत, स्पेलिंगां चुकयल्यां. *Sweet* स्पेलिंग हांवें *Swit* आनी *Dreams* स्पेलिंग हांवें *Drim* अशें भरलां, चलता न्हय? आमच्या बेडरुमांत कोण पळोवपाक येतलो? स्पेलिंग चुकलां म्हण कितें जालें स्वीट ड्रीम पडटकच जालें. जोक केलो आं!

पयर तुमी आमगेर आयिल्ले तेन्ना दोडीचें पॉस्त तुमकां चणक म्हूण वाडलें, तुमकां कळ्ळें लेगीत ना! आई म्हणटाली हो जांवय सामको सादो मेळ्ळो म्हण. तुमकां नुस्त्यांतलो फरक कळऽना हें पळोवन सगल्यांक अजाप जालें.

काल 'फुल और कांटे' सिनेमा पळयलो. अख्ख्या सिनेमांत अजय देवगणाच्या जाग्यार तुमकांच पळेतालें. सिनेमा आवडलो, तुमीय पळेयात. तुमी लग्ना उपरांत म्हज्या दांतांक ब्रेसी घालतले अशें हांवें आईक सांगलें. आईन लग्ना उपरांत जाय तें कर अशें सांगलां. सद्या लग्न जाय म्हणसर दातांक हात लावं नाका अशें शिटकायलां. म्हज्यो चार दाडयो भरुन घेवपाच्यो आसात, तेंय काम तेन्नाच करुन घेंवया. ह्या दातां पासत म्हाका सात जाणांनी रिजेक्ट केल्लें. तुमी तुमचे चिटयेंत म्हज्या लांब केसांची तुस्त केल्या. हांव तयार नाशिल्लें पूण आईन त्या दिसा फोर्सान गंगावन घालपाक लायिल्लें, तुमकां फटोवपाचें म्हाका नाशिल्लें. म्हजे केंस मुळचेच लांब पूण आठ वर्सांचें आसतना टायफोयडान म्हजे केंस गेले अशें आई

म्हणटा. तुमी 'सुहाग रात है घुंगट उठा रहा हूँ मैं' हें पद म्हणपाचे आसा अशें तुमचे चिटये वयल्यान कळ्ळें. तुमचो विरस जावचो न्हय म्हण हो पॉयंट आतांच क्लियर केलो. आनीक एक गजाल, तुमी माळ घालतना म्हाका सगले जाण उखलपाचे आसात. हें सिक्रेट आं तरी तुमकां सांगतां. म्हजो ८२ किलांचो देह कशे उखलतले देव जाणा!!

तुमी तुमकां तोय आनी बटाट्याच्यो फोडी करपाक येता अशें बरयलां. कांय नजऽ, म्हाका म्हूण व्हडलीं पक्वानां खंय येतात? हांव तेंच खावन दीस काडपाक तयार आसां. आमचे आईक फट उलोवपाक येता तशें म्हाका येना. तुमी आयिल्ले त्या दिसा पुलाव आईन केल्लो आनी चिकन अन्नपुर्णा हॉटेलांतल्यान हाडिल्लें. आईक जेवण करपाक वाज येतकच आमी सगलें थंयच्यानूच हाडटात. तुमच्या घरा लागीं खंयचें हॉटेल बरें आसा? हरशींच विचारतां आं! बेटोच दुसरो अर्थ काडू नाकात आं!

तुमी त्या दिसा म्हजो पांय समजून पांयानी काडिल्लो चिमटो आईक काडलो. आईन तुमकां लग्न जायसर थार धरा असो निरोप दिला. म्हाका कसली लज जाली म्हूण सांगूं! पूण तुमी रोमॅन्टीक म्हूण सगळ्यांक कळ्ळें. म्हज्या गालाक न्हय शर्मिला टागोरा भशेन खळी पडटा पूण म्हजे दांत भायर आशिल्ल्यान कळऽना. खळी पडटा म्हण सांगचें पडटा, बारीक नोट केल्यार कळटा. दुसरे फावट मुद्दम पळेयात.

म्हाका 'साजन' तुमचे बरोबर पळोवपाक जाय आसलो. संजय दत्ताचें काम बरेंऽऽऽ जालां खंय. पूण तुमची आई परमिशन दिवची ना अशें तुमी म्हणलां. आमचो तेर्म जालो. आतां आमचें ऑफिशियल लग्न जालें हें आईक खबर आसा मूं? खरें सांगूं? आमकां तुमचे आईचें इन्फॉर्मेशन बरें मेळूंक नाशिल्लें. पूण आमी आयिल्लीं अकलेक. आनी बाबा म्हणपाक लागलो तुका लग्न जांवचें आसा तिच्या पुता बरोबर. तिचे बरोबर न्हय. आनी ती काडून काडून कितले शे दीस काडटली? बाबान जोक केल्लो

आं! आतां तुमी आमच्याच घरांतले जाल्या म्हूण 'आतील गोटांतील' गजाली तुमकां सांगल्यो. आईक कळ्ळ्यार खातली म्हाका.

आमी वाड्यार तुमी 'इंश्युरन्स एजंट' म्हूण सांगलां. 'मटका एजंट' म्हूण सांगल्यार लग्ना दिसाच सव्यारुच तुमचे कडेन मटको लावपाक पयशे दितले. वाड्या वयले लोक धड न्ही. म्हज्या नांवार तीन फिक्स डेपोजिटां आसात. १५००, २५००, ३५०० *Respectively* (*Respectively* शब्दाचो अर्थ खबर ना. पयलेच खेप वापरतां. एका वयर एक नग आसतकच *Respectively* आनी *etc* शब्द वापरतात तें जाणां). आई म्हणटा त्यो म्हज्याच नांवार दवर म्हूण. म्हणचे ल्हान ल्हान कामांक तुमचे मुखार हात फुडें करचो पडचोना. हांव हांचे जोयंट अकांवट करचें ना. हांवें हे पयशे पयली ते तिसरी भुरग्यांक शिकोवन जोडल्या. चवथेचें ट्यूशन गणित विशयाक लागून शक्य जालें ना. आतां गणितां खूब कठीण. पुताचें वय दिवन बापायचें वय काडपाक लायतात. देखीक रामाचे वय २५ वर्षे आहे मोठ्या भावाचे वय दुप्पट आहे तर रामाच्या वडिलांचे वय काय? हांवें हें गणित सोडयलें आनी रामाच्या बापायचें वय १०६ मेळ्ळें. मागीर हांवें चवथेक ट्यूशन घेवपाचें सोडून दिलें.

म्हाका आनीक एक टेन्शन जालां. तुमी तुमगेर ब्लॅक अँड व्हायट टि.व्ही आसा म्हूण सांगलां, कलर्ड टि. व्ही. कित्याक घेवंक ना?? आई मटक्याची जोड खंय घालता काय म्हूण विचारताली. म्हाका महाभारत कलर्ड टि.व्ही.चेर पळोवपाची संवय जाल्या. 'मैं समय हूँ' हें टि.व्ही.चेर कलर्ड बरें दिसता. कोणाक, खंय बाण लागल्या तें सारखें दिसता. लग्न जांवचे पयलीं कलर्ड टि.व्ही घेयात आं तुमकां पयलींच सांगतां!

तुमकां कसलेंच व्यसन ना तें कळ्ळें. केन्नाय तुमी कुट्ट बी करतात जाल्यार म्हजें कांयच ऑब्जेक्शन ना. हांव मात सकाळचें आनी सांजेचें डॅन्टोबॅक पेस्ट ब्रशाक लावन तोंडांत घालून एक वर बसतां. बरी किक

येता. तुमीय मागीर ट्राय करात. न्हिदतना हांव चांदोबा वाचतां. ना जाल्यार न्हीद येना. मागीर आपकी फरमाईश आयकत न्हिदतां आनी सकाळीं भूले बिसरे गीत लागतकच उठ्टां.

आतां पत्र हांगाच सोपयतां. सगळें आतांच सांगल्यार मागीर सरप्रायज कितें? तुमी तुमची चीट सोपयतना बरयलां तशें म्हाका बरोवंक जमना. तुमी खूब बोल्ड, आमी आई बाबाच्या धाकान वाडिल्लीं. चीट पावतकच रोखडी जाप धाडात.

तुमचीच,

तुमच्या पांयांची दासी

दीस कोणा-कोणाचे?

“आयज मज्जाऽऽऽ आयज मदर्स डे सॅलेब्रेशन.” आमगेलें व्हडलें (उगतें मळब फेम) गुलाबांचो बुके घेवन भितर सरलें.

“कितें? कसलो डे? नवे कसले थेर तुजे? सोबना तुका आं हें! तुजे येदें आशिल्लें तेन्ना एका भुरग्याची आवय आशिल्ली हांव. आनी दीस कोणाचे करतात तें खबर आसा मगो तुका पापया? गेल्ल्यांचे!” आई वाती वळत.

“ते दीस गेले.” - व्हडलें.

“आयज सूर्य खंयच्च्यान उदेला?” -हांव.

“आयज दीस मम्माचो! तिका याद करपाचो! मदर्स डे!”

“आनी बकिच्यांक चुट्टी लावपाचो? आनी उरिल्ले ३६४ दीस कितें करतलें?”- आई.

“आगो भायल्या देशांचे थेर ते, ग्रिटिंग कार्ड कंपन्यो तुमकां पिशें लायता. ताणींच ते मदर्स डे, फादर्स डे हें फॅड हाडलां. कुत्रे माजरांचे लेगीत दीस आसात.” -हांव.

“ग्रिटिंग कार्ड कंपनीचें सोड! हांगां सीतारामाच्या गाड्यावयले गुलाब खपले! आनीक वाड्यार कोणाल्या आवयलो दीस गो बाय? आनी कोणें गुलाब घेतल्या?”–आई.

“पोरोबाल्या सुरेखान व्हेल्या. आनी कोणें व्हेल्या जाल्यार खबर ना.” –व्हडलें.

“म्हणचे अखख्या गांवान तुमीच आवयक याद करता तर?” –आई.

“आगे भायल्या देशांनी, जाल्ल्या दिसा सावन भुरगें वेगळे कुडींत न्हिदता. ताका आवय–बापायची ओड नासता. मागीर असले डे साजरे करपाच्या निमतान तीं एकठांय येतात. हांगां तशें ना.” –हांव.

“हांगां हें अजुनूय एक हात आनी एक पांय म्हजेर उडोवन न्हिदता.” ही ताका बाटली हालयत भायर आयली.

“म्हाका आज मेरेन संकश्टी, विनायकी आनी पंचम इतलेंच खबर आशिल्लें. तातूंत आतां मदर्स डेची भर पडली.” –आई.

“वॅलेंटायन्स डे म्हूण आसता.” –व्हडलें.

“ते दिसा कोणाची याद जाता?” –आई.

“आपल्या मोग्याची. तो कोणय जावं येता. आपलो घोव, बॉयफ्रँड.” हें सांगतना व्हडल्यान आपले दोळे धांपून व्हडलो स्वास सो घेतलो. हालीं म्हाका हाचीं लक्षणां धड शीं दिसना.

“आगो! आतां डायवोर्स डे साजरो करा. ताची आतां तुमकां चड गरज आसा. एकाच दिसा सगळ्यांनी डायवोर्साक अर्ज करपाचो. कटकट आनी ना.” –आई.

“आज्जे! हें कितें? तुजें चड जाता आंऽऽऽ!”

“चड जाता म्हणचे कितें? बारीक चिंतून पळय. काल दिसाळ्यांत वाचलें, कुकरान मांस शिजयलां म्हूण डायवोर्स, फॅमिली दोतोर बदल्लो

म्हूण डायवोर्स...राव गो! आज मदर्स डे म्हूण खास कितें करतलें?'' -आई.

''मदर्स डे म्हूण आज तिका याद करप.''

''तूं आवयचो दिसभर जप करता मगो, माँ म्हजीं लिगां खंय? माँ आलफिनेत दी, माँ कपडे खंय दवरल्या? माँ शेकपाक उदकाची बाटली दी. (आमगेर उदकाचे बाटलेन शेकतात). तिका आनीक कसली याद करता?'' -आई.

''हांव आज तिका कामांत मजत करतलें.''

''आगो आयकलां? आज मदर्स डे निमतान तें तुका कामांत मजत करतलें खंय! तूं आयजूच पापडाक पिठी कालय, तें पणसूल चाख्याक शिनून घे हाचे कडल्यान.'' -आई.

''तुमी म्हजी करड काडूंक सोदतात काय कितें?''

''करड काडटा? हीं सगळीं कामां तुजी आवय करता मगो? हाचो अर्थ तुमी तिची करड काडटा असो जालो. हें तुमकां मदर्स डे दिसा कळपाक नाका?''- आई.

''खरें तुजें.'' -हांव.

''आतां लायट गेल्या तशी आवयक हुमणाचें वानार वाटून दी.''- आई.

''आज्जे कितें गेऽऽऽ'' -व्हडलें.

''आगो आज्जेचो दीस ना गो? आज्याचो दीस सोड, ताणें दीस मनोवचे पयलींच दोळे धांपले.'' -आई.

''आसा तर! ग्रॅनीज डे! कित्याक?'' -व्हडलें.

''ना त्या दिसा तुजे कडल्यान थोड्यो वाती करुन घेवंक सोदतालीं.'' -आई.

''फादर्स डे आसा बाबा.''

''त्या दिसा तूं कितें मटक्या बीट घेवपाक वतलें?'' -आई.

''आमचोय दीस आसता आं आई! लेबर्स डे!'' सावळो भितर सरलो.

''बरें जाणा मरे तूं.'' -आई.

''पूण आमकां कितें फायदो? त्या दिसा घरा रावल्यार तुगेलो बाबा खाडें जालें म्हूण दिसवडो कापून घेता. एक तारखेर सुटी आशिल्ल्या कारणान तुमी सगळीं घरा आसतात. ताका लागून म्हाका एक मे क दोबराद आयदना घांसचीं पडटा.'' -शेंवतें.

''तुमचेंच खरें.'' -आमगेली.

''आयज म्हगेलो फॅमिली डॉक्टर डे. दोन दशणिचीं फुलां घेवन दोतोर रायकारागेर वचून प्रेसांव चेक करुन घेतां.'' अशें म्हणून आई दोतोरागेर वचपाक भायर सरली.

म्हजें दुर्येंस

त्या दिसा म्हाका दावे वटेन ओगीच कसकसपाक लागलें. हांवें हिका तशें म्हणलें.

“काळीज आसल्यार कसकसतलें न्हय? तुमकां काळीज आसा शें म्हाका दिसना. म्हणटकच गॅस आसतलो.”

ही फाटले दोन दीस म्हजेर बेजार. तिणें म्हाका रेबनाचें गॉगल हाड म्हूण सांगिल्लें. तिका खंय शेजान्नीन (मिसेस पोरोब) सांगलां की वय वाडटा तशें तिरशेंपणूय वाडटा म्हण. म्हणून ती म्हज्या फाटल्यान गॉगल घे म्हूण लागल्या.

“आगो तुजीं तीं कुचित्रीपणा नाका आं! खऱ्यानीच काळजान दुखता.”

“आनीक चिकन खा! तीन भुरग्यांचो बापूय जालो, खंयच ताबो म्हणटा तो ना.” आई आड्डली. ‘बायल करता हो खाता!’

इतल्यान आमची वावराडी शेवतें भितर सरलें.

“कितें जालें बाबाक?” (तें म्हाका बाबा म्हणटा. कोण ना तेन्ना

तें म्हाका राजेश म्हणटा. ताका हांव राजेश खन्ना सो दिसतां आनी हांव ताका रेखा म्हणटां, तें म्हाका 'सावन भादों'तली रेखा कशी दिसता.)

"देवा म्हाका तूंच आदार आशिल्लो रे! कोणाची दिश्ट लागली रेऽऽऽ, आतां हांवें कोणा कडेन पळोवचें?" शेवतें बोब मारपाक लागलें. इतल्यांत ही भितर आयली. हिका पळोवन, "म्हजें सोड, म्हाका घरकार आसा. भाभी तुजें कशें जातलें गे?" आमच्या आनीक कसल्याय संबंधाक वाचा फुटची न्हय म्हण शेवत्याक थंयच ओगी केलें.

आतां आमच्या व्हडल्यान (उगतें मळब फेम) हेळे काडपाक सुरवात केली.

"बाबा म्हजे खातीर छप्पन जोतीं झरोवचीं पडटलीं म्हणटालो, एकूय झरयनासतना वता रेऽऽऽ?"

मागीर दुसऱ्यान सूर लायलो.

"बाबा म्हाका अभ्यासान ना ती ना, मटक्यानूय ना. म्हजे कशें जातलें रेऽऽऽ?" पात्र नं.२ (इकरावी कला. एटीकेटी).

"म्हजी धाव्वी लेगीत जावंक ना आनी जावपाचीय गॅरेण्टी ना, म्हाका कोण रे बाबाऽऽऽ?" पात्र नं.३ (आठवी मेरेन नापास ना सरकारी धोरणाची बॅच १).

तिगानीय लायन लायली. हांची बोब आयकून शेजाऱ्न मिसेस पोरोब धांवन आयली. "कितें जालां हांकां?"

"आगो हांच्या काळजांत कसकसता खंय." ही सवकासायेन केसां वयल्यान फणी ओडीत म्हणपाक लागली.

"म्हणपाक जाय म्हूण म्हणना आं, खरेंच सज्जन मनीस आशिल्ले ते!" (श्रीमती पोरोबान म्हाका भूतकाळांत दाखल केलो). "हांव नायटी घालून झाडांक उदक घालपाक भायर येतालें, केन्नाच म्हाका वयर नदर काडून पळोवंक ना. हांव मात तांकां ते न्हावन वालो न्हेसून भायर येताले

तेन्ना चोरयां पळेतालें. आतां आनी कितें निमणे वेळार लिपोवपाचें?''

म्हज्या ३८ किलोच्या सांपळ्याक कोण तरी चोरयां पळयतालो हें आयकून म्हाका आनीकूय धडधडपाक लागलें. म्हजें तोंड पळोवन हिणें बेगिबेगीन दोतोर रायकाराक (२००५ बॅच जीएमसी) फोन लायलो. दोतोर रायकार आयलो.

''आंऽ कर काका.''

मागीर ताणें प्रिस्क्रिपशनाचेर '१०८' बरयलें आनी म्हज्या हातार दवरलें.

''दोतोर ह्या परिस्थितीन हांव मटको घेवंक शकना!''

''हो मटको लावपाक नंबर दिवंक ना.''

''मागीर?''

''१०८त घालून तुमकां बेगोबेग हॉस्पिटलांत हालोवपाक बरयलां. दुर्येसाचें निदान जायना जाल्यार रोखडेंच प्रिस्क्रिपशनाचेर '१०८' बरया म्हूण आमकां शिकयलां. चडशा केशींनी आमकां निदान जायच ना.''

''१०८ हांव आफयतां, म्हज्या टच स्क्रीना वेल्यान!'' ही भुरग्यांभशेन मोबायल हाडपाक धांवली. मागीर तिणें टच स्क्रीना वेल्यान २०८, मागीर ३०८ घुंवडायलो.

''आगो सायबिणी, एकदांची आपय १०८! हांव मरतकच आपयतलें?'' म्हाका घरघरशी लागली.

''बाबा १०८ डेड बॉडीज व्हरता रे?'' – पात्र नं.२.

''तुका हांगाच फोंड काडून पुरतां!'' हांव तेय परिस्थितींत आड्डलों. ''आगो ती स्क्रीन केदी? तुजीं नरकासुरा भशेन बोटां केदीं? ती फस्का काडी घेवन डायल कर आनी आपय एकदांची १०८.''

शेवटीं १०८ डायल जालो.

म्हाका दिशिल्लें म्हाका १०८त व्हरता म्हूण वाड्यार गर्दी बी जातली काय! पूण १०८त घालतना.....

"आरे बाबाक १०८त व्हेलो, आतां नंबर लावपाक आमकां पांय ओडीत बाजारांत वच्चें पडटलें. पोडों पाडऽऽऽ." हीं उतरां कानार पडलीं.

१०८तल्यान म्हाका पणजे हॉस्पिटलांत हाडलो. दोतोरान सांगिल्ले प्रमाण म्हाका कार्डियाक डिपार्टमेंटांत आय. सी. यू. लागसार हाडलो. दोतोरान म्हज्या हातांत एक फॉर्म दिलो. हांवें फॉर्मार नदर मारली,

१. नांव

२. पिराय

३. राजकी पक्षाचें नांव

४. कितलीं वर्सां राजकारणाच्या धंद्यांत आसा?

५. तुमी केल्ले घोटाळ्याचें विवरण (मायनींग घोटाळो जाल्यार ताचो आंकडो बरयात).

६. कसली ख्यास्त जाल्या म्हूण तुमी ॲडमिट जावंक सोदता?

७. कितले दीस रावंक सोदता? (त्या प्रमाणे तुमकां फिटनेस सर्टिफिकेट दितले, ही म्हायती गुप्त दवरतले)

८. बेलीक अप्लाय केलां?

९. बेल नामंजूर जाल्यार परत येतले?

१०. ह्या पयलीं ख्यास्त जातकच तुमी हांगां ॲडमिट जाल्या?(जर 'हय' जाल्यार तुमचो अणभव बरयात).

११. आमच्या हॉस्पिटलाचें नांव तुमी ख्यास्त जाल्ल्या दुसऱ्या राजकारण्यांक सुचयतले? (हें बरोवपाकूच जाय अशें बंधन ना).

१२. तुमचे भलायकेचें बुलेटीन वरा-वरान प्रसिद्ध करपाक जाय? (वेगळे पयशे पडटले).

१३. तुमची भलायकी हुस्को करपा सारकी आसा अशें कितलो तेंप सांगपाचें (वेगळे पयशे पडटले).

सय, पक्षाचो शिक्को

तुमचो हांगांचो राबितो आनंदमय जावपा खातीर आमी खपतले.

देव बरें करुं

"दोतोर हो कसलो फॉर्म?"

"कार्डियाक युनीट सद्याक आमी राजकारण्या खातीर राखीव दवरलां कारण तांकां ख्यास्त जातकच तांच्या अचकीत काळजांत दुखता आनी ते सरळ हांगाच ॲडमिट जातात. त्या खातीर आमी हो वॉर्ड वर्सभर तांचे खातीर राखून दवरतात. ह्याच हॉस्पिटलांत म्हूण न्हय, तुमी खंयच्याय हॉस्पिटलांत वचात हेंच चित्र दिश्टी पडटलें. तुमी राजकारणी न्हय म्हूण कळिल्लें जाल्यार तुमकां आमी ॲडमिटूच करचे नाशिल्ले. जावं आतां."

इतल्यांत वॉर्डा भायर बोवाळ आयकूंक आयलो.

"पळेयात, हांवें सांगूंक नाशिल्लें तुमकां? भायर मिडियावाले आयल्यात. ते हांगाच वॉर्डा भायर बसून आसतात. तांकां दिसलां कोण तरी राजकारणी ॲडमिट जाला म्हण."

"दोतोर खंयच्या पक्षाचो नेतो? व्हडलो घोटाळो करुन आयला?" एकल्यान दोतोराक विचारलें.

कॅमेरो पळयतकच आई फुडें सरली,

"म्हजे म्हायती प्रमाण म्हजो पूत 'साई मंडळाचो' वांगडी, वयलो वाडो 'गणेश मंडळाचो' सेक्रेटरी, 'आम्ही आमचा परिसर स्वच्छ ठेवुया' संघटनेचो अध्यक्ष आनी देवुळवाडा 'नरकासूर वध मंडळाचो' खजीनदार. घोटाळ्या संबंदी सांगपाचें जाल्यार, एक दीस हांव मान्न्यांत आशिल्लीं.

हाका हांवें भाज्जेन इल्ली साखर घाल म्हण सांगलें जाल्यार हाणें मीठ घालें. आयुश्यान इतलोच घोटाळो हाणें केला. घोटाळो करपा इतली हाका अक्कल आशिल्ली जाल्यार आमी खंय पावपाचीं!'' अशें सांगून तिणें दार मारलें.

इतल्यांत घरकान्न सोदा बाटली घेवन आयली.

''हांव तुमकां सांगतां हें सोद घटाघट पियेयात. कांय धाड मारुंना तुमकां. गॅस तो.''

हांव सोद पियेलों. बरेऽऽऽ दोन तीन धेकर आयले आनी हांव खऱ्यानीच निवळ्ळों. कितेंय जावं ही म्हाका ज्यूस्त वळखल्या.

दुरगाकडली दसण

“पोरोबाल्या व्हडल्यान आमच्या दसणीचें एक्कूय पान दवरुंना.” घरकान्न हांव भितर सरल्या बरोबर पिरंगुपाक लागली. “भायर मातशी नदर मारात न्ही.”

जनेलांतल्यान भायर पळेल्यार पोरोबाली व्हडली चली सुरेखा दुरगार बसून बायकार आशिल्ल्या एका चल्या कडेन उलयता आनी उलयतना दसीण बुड्डिता.

“हागेलें अशेंच चालू उरलें जाल्यार आमचें पोरसूं बोडकें जातलें. आतरे पयऱ्यान एक नवो तोमसूळ मोटारसायकलीर बसून येता. मागीर वरां दोन वरां कितें उलयतात म्हूण खबर ना. पूण दसणीचें मात मरण जालां. दुरगा कडेन नदर मारा, लायनीन पळे झाडां बोडकीं केल्यां.” – ही.

इतल्यान मोटारसायकलीवेल्या तोमसुळाची नदर आमचेर पडली आनी तो बेगिबेगीन मोटारसायकल स्टार्ट मारुन गेलो. हांवें कुरवानी सुरेखाक भितर आपयलें.

सुरेखा ‘बायकवाले तू ही मेरी जान’ अशें कितें तरी गुणगुणत भितर आयलें.

''श्रीराम जयराम... सामकें चळ्ळां शें दिसता.'' आई देवा कुडींत जप करता थंयच्यान पुटपुटली.

''कितें गो सुरेखा? हीं कितें अवचिन्नपणां? काकी सांगता नवे नवे हिरो बायकार बसून हांगां येता आनी वरांची वरां तूं थंय गजाली मारत बसता खंय. गजाली मारता तें मारता, आमच्या झाडांचीं पानां शें बुड्डिता?''

''काका कितें तुमीऽऽऽ?'' सुरेखा लाडांत आयलें. ''हांगाच्यान हांव आई बाबाक दिसना, हो कोनसो सामको सेफ.''

''ते येता ते कोण?''

''ते म्हजे वुड बी बॉयफ्रॅन्डस.''

''वुड बी बॉयफ्रँडस? हांवें वुड बी हजबंड मेरेन आयकल्लें!'' हांव आड्डलों.

''तुमी खंयच्या काळान आसा काकाऽऽऽ. म्हजो हो बॉयफ्रँड हें थारावच्या पयलीं हांव तांचें स्क्रिनींग करतां.''

''म्हणचे?''

''तांकां कांय प्रस्न विचारतां, आवडी निवडी पळयतां आनी मागीर कितें तें थारायतां.''

''पापया हांचेर सांवार आयला.'' आई भितरल्यान आड्डली. ''जाणां मगो सुरेखा, काकाच्या (म्हणचे म्हज्या) बापायक माळ घालीसर हांवें पळोवंक नाशिल्लो. तो कितें करता तें लेगीत खबर नाशिल्लें. बापायन सांगलें जा लग्न, रावलें सव्यार उबें. आमकां सांगिल्लें हाचो बापूय डेरीन कामाक आसता म्हूण. हांगां येवन पळयत जाल्यार हो गांवांत दूद घालता. मागीर हांवेंच ताका वळखीन शिपयार्डान लायलो. म्हणून ताच्या नांवान पेन्शन खातां.'' (बाबाल्या आत्म्याक शांती मेळूं. दर माह सोळा हजार पेन्शन). ''तो तिरसो आशिल्लो हें काका जाल्या उपरांत कळ्ळें. नाजाल्यार तुमी! तुमचें फुडें कितें जातलें कोण जाणा. आवयबापायची मात काकुळट.''

आईन त्या बोवाळान जप सोंपयलो.

"जाणा आज्जेऽऽऽ सुरेखा ताईन १३९ भुरग्यांक न्हयकार दिला." आमगेलें व्हडलें (उगतें मळब फेम) भितरल्यान धांवत भायर आयलें. हाका असले गजालींनी भंयकर इंटरेस्ट. "पोरोब काकान खंय एक रेजिस्टरच उगडला कितल्यो सोयरिगती हाडल्यो त्यो बरोवपाक."

"आवंय आवंय!" आमगेली घरकान्न ताकाबाटली हालयत भायर आयली (अजुनूय आमगेर ताक बाटलेनूच चाळटात).

"आनी न्हयकार दिवपाक न्ही कारणां सो फनीऽऽऽ" -आमगेलें पिसांट.

"म्हणचे?" म्हजो ताळो सुकलो.

"एकशें इकूणचाळीसांतले लागीं लागीं पंचवीस टक्के रिजेक्ट केले बजाज पल्सर चलोवंक येना म्हणून."

"आय एम सो क्रेजी अबाऊट बायक्स." -सुरेखा.

"उरिल्ले गो?" म्हाका घुंवळ येवपाक लागली.

"थोड्यांक एका टायरार बायक चलोवंक येना म्हूण." -सुरेखा.

"थोड्यांक गाडी रिव्हर्सान घेवंक येना म्हण." -आमचें पिसांट.

"आनी उरिल्ले फूड हॅबिट्स. कोणाक निबर शीत जाय तर कोणाक सामोसान गाजर नाकात, खतखत्यान मुंडल्यो जाय, तेंफळां नाकात. दाळीच्या रोसान सांगो जाय पूण भेंडे नाकात. आनी तुका खबर आसा काकाऽऽऽ, अजुनूय थोड्या गोंयकारांक खंयचें नुस्तें कांद्याचें आनी खंयचें तेफळांचें तें खबर ना. असल्या घरानी हांव वतांऽऽऽ! माय फूट." -सुरेखा नाक फुलोवन.

"तें सोड गो. जाणा मरेऽऽऽ बाबा! हांगेर पळोवपाचो प्रोग्राम आशिल्लो. चल्यान हाका सांगटांचें आमट तीख करपाक येता काय विचारलें. सामको ओल्ड फॅशन्ड प्रस्न रेऽऽऽ. सुरेखा ताईन खबर ना तुका

कितें केलें तें! ताका तोंडान अशीं बोटां घालून शिटी मारुंक येता काय विचारलें (हांगा आमगेल्यान अभिनय करुन दाखयलो). ताणें ना म्हणटकच ताईन ताका सोमतो रिजेक्ट केलो. सो डेरिंग न्ही रे बाबाऽऽऽ?''

एक सरदारान मैदान गाजोवन येवचें आनी राजान ताका कवतूक आनी अभिमानान पळोवचें तशें आमगेलें सुरेखाक पळेतालें. आमगेल्यालो रोल मॉडेल कोण हें म्हाका कळ्ळें आनी पोटांत कुळ्ळ जालें.

''सादी चल्या भशेन शिटी (शिळोणी) घालपाक येना ॲण्ड ही एक्सपेक्टस मी टू मेक आमट तीख! माय फूट.'' हांगां अशें म्हणत ताणें खऱ्यानीच फूट आपटिलो.

''आनीक एक बाबा, शी इज व्हेरी पर्टिकुलर अबाऊट डिओड्रन्ट ॲण्ड हॅअर स्टायल.''

''आगो सायबिणी चल्याचे फकत गूण पळोवपाचे आसतात गो.'' हांव काकुळटेक आयलों.

''काका ते दीस गेले. म्हगेले आत्ते भावान म्हाका मागणी घाल्ली, स्टेट्साक आसता.''

''मागीर?'' म्हाका पोरोबालो फुडार दिसपाक लागलो.

''हांवें ताका स्ट्रेट न्हयकार दिलो. ही वॉज युजिंग एक्स इफेक्ट.''

''अँड हर फेवरेट इज पार्क ॲवेन्यू. आनी ताचें सांग गो, प्रोफेसराचें.'' आमगेलें आतां बरें तालार आयिल्लें.

''म्हाका एका प्रोफेसरानूय मागणी घाल्ली. आमकां तो एम. ए.क शिकयतालो. सगलें बरें आशिल्लें. पल्सर चलयतालो, एका टायरारुय चलयतालो, गाडीय रिव्हर्सान सारकी घेतालो.''

''मागीर खंय अडलें?''

''भांग तेल घालून मदीं काडटालो, इडियट! आयच्या चल्यांक टेस्टूच ना कसलीच. एकट्याक हांवें विचारलें, *MTV* पळेता काय म्हूण,

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी
MANGALORE

जाल्यार तो म्हाका विचारता हो टि.व्ही केन्ना आयलो बाजारांत? आतां तुमीच सांगा काका, असल्या बोंड्या बरोबर लग्न जावपाचें? हे बॉयफ्रँड तरी करपाचे लायकीचे?''

''आवंय आवंय खरोच काळ आयला गो तुमचेर. जाणां, हागेली आवय सांगताली हाणें पुरशाबाबाल्या चल्याक न्हयकार दिलो. कारण ताणें खंय म्हणलें ताका यमला पगला दिवानातलो धर्मेंद्राचो रोल आवडलो म्हणून.'' आमगेली ताकावयलें लोणी काडीत.

''सो फनीऽऽऽ.'' आमगेलें किटकिटलें.

''तूं भितर वच गो अभ्यासाक!'' हिणें आमगेल्याक भितर धांवडांयलें.

''काका हांव हाचेर तुमकां एक सांगूं?''

''कितें उरलां आनीक?'' हांव जाम जाल्लों.

''हांवें त्या अरवळाक विचारलें कोलावेरी डी आवडलें काय म्हणून....''

''ताणें म्हणलें ना आनी तुजी तकली फिरली, म्हाकाय आवडूना तें.'' आतां हांव तापलों.

''ना काका म्हाका हें उतर चलतालें. तो म्हाका परतें विचारता, 'भीमसेनाचे अभंग कोणाक आवडना' काय म्हणून. आतां तुमी म्हाका सांगात कोलावेरी डी भीमसेनाच्या तोंडान घालप्याक तुमी जांवय करुन घेशात?''

''आगो पापया संवसार जेनरल नॉलेजीचेर चलता? कोलावेरी डी काय ई तुज्या संवसाराक पावतली?'' आमगेली आतां तांबडी भाजी शिनपाक लागली. ''आमचें लग्न थारतकच हांवें अपुर्बायेन हांकां म्हणलें, हनीमुनाक आमी ऊटी वच्चें. तर हाणी म्हाका ऊटी दोडामार्गा आयल्यान काय विचारलें. मागीर आमी हनीमुनाक दोडामार्गार लेगीत पावलींना तें सोड. आतां हांकां ऊटी खंय तें खबर ना म्हण हांवें लग्न मोडलें?''

“काकी तूं हें तें उलयता ती, एक सांग गे म्हाका, ‘तू मेरा कान्हा’ सिरियल तूं पळेता. तातूंत रमेशाक सुप्रिया दावकुरो म्हणून रिजेक्ट करता मगे आनी ‘काळ आला तुमच्यावर’ हातूंत राधा शैलेशाक चपाती वांयग्यां भरताक लावन खायना म्हणून सोडटा. तें बरें पट्टा मगे तुमकां. ताचेर माँ आनी तूं वरांचीं वरां डिस्कशन करतात आनी वयल्यान तूं काकाकूय कारात्याचीं कापां खायना म्हूण सोडपाचो अशें सांगताली. आतां उलय!”

“आगो पापया, तीं सिरियलां खरी न्हय. काका बद्दल हांवें फकांडांनी म्हणिल्लें. तिगां भुरगीं जालीं, आतां आनी कितें सोडटलें?”

“म्हणचे तुजें अशेंच चलपाचें फुडें?” हांवें सपशेल हार मानली.

“यस सर!”

“पूण तुजें स्क्रिनींग काय कितें तें चालू आसतना तूं आमच्या झाडांचीं पानां शीं बुड्डिता?” –हांव.

“*असं मला का होतं* ह्या सिरियलांत कामिनी, राजा कडेन उलयतना एक्सायट जाता तेन्ना अशेंच पानां बुड्डिता.”

“आगो दुरगा कडेन आतां करबील लाय. हाणें बुड्डिल्लीं पानां आमकां फोण्णां घालपाक तरी उपेग जातलीं.” हांवें हिका म्हणलें आनी हांव न्हावपाक गेलों.

आय हाय ! पानार ना कांय !

नवरात्री उपरांत बरें मेंमें पानार पडलें ना. म्हणलें आयज बाजारांत वचून बरेंऽऽऽ कप्यांचें नुस्तें हाडटलों. बरी व्हडली कपड्याची पोती घेतली आनी मारली स्कूटरीक स्टार्ट. बाजारांत यो जाल्यार शुकशुकाट. नुस्तें आशिल्लें पूण झेलांतलें. म्हाका सामकें फडफडीत खावपाची रुच आयिल्ली. इतल्यान एक रिक्षा थांबली आनी एक नुस्तेकार फडफडीत, चकचकपी, धवेफुल्ल वेल्ल्यांचें पांटें घेवन देंवलो. घेऽऽऽ ताच्या फुड्यांत गर्दी. हांवें आनीक वेळ केलो ना, पिशवी फुडें करुन पयलो वांटो सोमतो पदरांत घेतलो.

"कितले दिवपाचे?"– हांव (भियेत).

"शेंबोर शाण्या" – तो.

हांवें शंबरांची नोट मोन्यानी ताच्या हातार तेंकयली.

फाटीं हांवें नुस्तेकान्नीक पापलेटांची जोडी कशी काय म्हणून विचारतकच तिणें म्हज्या तोंडाक पळोवन 'बाबा तुवें घेवपाचें नुस्तें हेऽथंय आसा' अशें म्हणीत करबट घेवन बशिल्ले नुस्तेकान्नी कडेन बोट

दाखयिल्लें. हांवें लागीं कोण वळखिचो ना हाची खात्री केली आनी थंयच्यान कूस मारली.

हांव वेल्ल्यांचो वांटो घेवन कुशीक सरलां मात, म्हजे फाटीर कोणें तरी थापट मारलें. फाटल्यान वळून पळेल्यार सफारी घाल्लो एक काळोच दादलो.

"जरा बाजू में आईए." ताणें म्हणलें.

आनीक दोग जाण त्याच भेसांत ताका येवन मेळ्ळे. ताणें बोल्सांतल्यान वळख पत्र काडलें आनी म्हजे फुडें धरलें. 'श्री. एम. वी. पी. एल. राव इन्कम टॅक्स अधिकारी.' म्हाका चिर्रर जालें.

"मैंने क्या किया साबजी? मैं सिर्फ मटके का बीट लेता हूँ."

"वो हमको मालूम नही. मटके का डिपार्टमेंट पोलीस देखती है." अशें म्हणून तो आदल्या हिंदी सिनेमांतलो व्हिलन 'शेट्टी' भशेन हांसलो. "योजना आयोग क्या कहता है पता है? पेपर पढते हो की नही? वे कहते हैं रु.३२/- खर्च करनेवाले गरिबी रेखा के दायरे में नहीं आते. आप तो मछली पे सौ रुपये उडा रहे हैं, इस हिसाब से आप करोडपति होंगे. हमारे कमिशनर साब ने कहा है खासकर मछली मार्केट पे कडी नजर रखो और जो सौ रुपये मछली पर खर्चा करता है उसकी कडी तलाशी लो."

"उसका क्या हुआ साब, हम कर्बट के सिवा कुछ खाते ही नहीं. आज ही मैने कपे का अच्छा मछली खाने का सोचा. अब सौ के नीचे कौनसा वाटा आता है साब?" हांव रडपाक पावलों.

"वो हमें पता नही. अब आपके घर की तलाशी लेनी पडेगी."

रावसायबाचेर कांयच परिणाम जायना तो पळोवन हांव दुसरे सफारी कडेन वळ्ळों.

"नवरात्र में पुरा शिवराक खाया साब. नवरात्र में घर पर आठ मालें थीं." हांगां राष्ट्रभाशेन म्हजो ज्यूस्त घात मारलो. म्हाका म्हणपाचें आशिल्लें

नवरात्रांनी आमगेर आठ माळो आसतात म्हणून. म्हजें स्पशटीकरण आयकून तो रावसायबाच्या कानांत फुतफुतलो.

''आय वॉज रायट. वी हॅव बिग फिश इन अवर बॅग. ही इज हॅविंग ८ स्टोरी बिल्डींग.''

हें आयकून म्हज्या पोटांत कुळ्ळ जालें. आमचो संवाद शेजारचो नुस्तेकार आयकतालो. ताणें म्हजी अवतिकाय पळेली आनी शंबर रुपयांक स्मरुन मत्स्य अवतार कसो म्हजे मजतीक धांवून आयलो.

''अवरु एन्टू माली वोन्नु नवरात्री एल्ली अरपी सी दरे.''

''औदु''- रावसायब. ''अभी हम आपके घर चलते हैं'' (हें म्हाका म्हळें).

हांवें स्कूटर थंयच दवरली आनी तांचे गाडयेन बसून घरा आयलों. गाडयेंतल्यान देंवतना हिणें पळेलो.

''नुस्तें स्कूटरीर जालें ना काय कितें, म्हणून गाडी हाडली?'' हिणें इनोद केलो.

''आनी हे आनी कोण? हजार फावटीं सांगलें मटको बाजारांतूच घे, तांकां घेवन घरा कडेन येवं नाका म्हण.'' आई देवा कुडींतल्यान आड्डली.

''आगे सायबिणीनो, ओगी रावशात! कचऽ कचऽ कितें करतात गे? ते इन्कम टॅक्स अधिकारी. शंबर रुपयांचो नुस्त्या वांटो घेतला म्हूण घर तपासपाक आयल्यात.''

''वॉव! मागीर रे? ते आतां आमचें घर उस्तितले आनी उस्तिल्ल्या घराच्या फोट्या सयत फायच्या दिसाळ्यांत बातमी, मटका एजंटाच्या घरावर आयकर अधिकाऱ्यांचा छापा!'' - आमगेलें व्हडलें (उगतें मळब फेम). हें तोंड उगडटा म्हळ्यारुच म्हाका भंय दिसता तें ह्या खातीर.

''हें आनी कितें सायबा? आतां कितल्याचो वांटो घेवचो तेंय बी

सरकार थारायतलें? मागीर आमी फकत गालम्याचेर दीस काडपाचे? तुका हांवें कारवारा वचून सुकें हाड म्हण सांगिल्लें तेंय हाडलेंना.'' - आई.

''आगे म्हजे सायबिणी, प्रसंग कसलो? तो निस्तारतासर म्हजो जीव वचपाक पावला. तुका आनी हें कशें सुचता गे? नियोजन आयोगान म्हळां खंय बत्तीस रुपया जोडटा काय मोडटात ते गरीब न्हय म्हणून. त्या हिशोबान हांवें शंबर रुपयांचें नुस्तें घेतलां म्हणून हे म्हणटात हांव कोट्याधीश आसपाक जाय.''- हांव घाम पुशीत.

''हें आनी कसलें नियोजन रे सायबा! कुटुंब नियोजन करतां करतां तुगेर तिगां जार्लीं.'' आईच्या कपलार आटयो.

''नियोजन आयोग म्हूण दिल्लीक आसता गे पापणी.''

''तो नुस्त्या वांटो कोण कितल्याचो घेता तें पळयता? तुका खबर आशिल्लें जाल्यार शंबर रुपयांचो वांटो कित्याक घेतलो? सरकार कित्याचेर लक्ष दवरीत सांगूं नजऽ पापया. तुमकांच तो कप्यांचें नुस्तें खावपाचो घोस्त. हांवें तुका बुरांटे हाड सांगिल्लें, खाल्यार तेंप जालो. कितले सुवादीक आसतात! आमगेल्या बाकीबाबाक बुरांटो घोस्ताक जाय आसतालो. ताणी खंय बुरांटो आसल्यार गोंयकार वीर म्हणून बरयिल्लें. मागीर हेंच नुस्त्याचें नांव कित्याक घालें, त्या कित्याक घालें ना? असो वाद जायत म्हूण ताणें फकत नुस्तें आसल्यार गोंयकार वीर अशें बरयलें.'' - आई. (हाका म्हणटात कल्पना शक्तिची भरारी).

आमी कितें उलयता तें त्या तीग अधिकाऱ्यांक कांयच समजनाशिल्लें.

''ये बुरांटे बुरांटे क्या है?'' एकल्यान विचारलें.

''ये बुरांटे नाऽऽऽ एक प्रकार का मछली होता है. बारीक होने के कारण उजरायनेको कुस्तार है पर सुवादीक है. अगर इस सायड में कभी आया तो सुकें करके डालूँगी.'' - आमगेली ही.

''चलो तुम्हारे घर की तलाशी लेंगे.'' अशें म्हणत ते आमच्या

कुडींनी भितर सरले. तांच्या हाताक फकत हांवें वर्सा प्रमाण दाळिल्ल्यो मटक्याच्यो पट्ट्यो मेळ्ळ्यो. एकलो देवा कुडींत भितर सरपाक लागलो तशी आई ताच्या आंगार गेली.

“आंत येणे कामा नाय! सांवांर आया तुमपे? हमारे घर में शाळीग्राम है!” आई आड्डली.

हें आयकलां मात येदोळचो परत रावसायबाच्या कानांत फुतफुतलो.

“वी हॅव टू सी धीस केस इन अदर एँगल. दॅर इज वन मिस्टर शाळीग्राम इन धीस हाऊज.”

हांव परतोय रडपाक पावलों. “साब वो जो पडगो में काला काला वाटकुळा सा है उसको शाळीग्राम भगवान कहते हैं.” म्हजे फाटले जन्माचे पुण्यायेक लागून म्हजें म्हणणें सायबाक पटलें.

इतल्यान एक अधिकारी रांदचे कुडींतल्यान एक निरपणस घेवन आड्डत आयलो (‘युरेका युरेका’ धरतेचेर पूण ताच्या आंगार सफारी आशिल्ली).

“सर लूक एट धीस. नॉट लॅस दॅन टू हन्ड्रेड रुपीज, ये आपको किधर मिला? ये तो बहुत किमती है?”

परतीय आमची म्हायती अधिकारी फुडें सरली.

“ये नाऽऽऽ हमारी पडोसन श्रीमती पोरोब के मागीलदार में उसका पेड है. उसने हमको गिफ्ट दिया. अगर टायम है तो उसकी फोडी बना डालूँगी, बहुत सोफ्ट होती है.”

“नो थँक्स.” – रावसायब.

मागीर ते सगळे मागिलदारा गेले. पोरोबाचें खरेंच निरपणसाचें झाड आसा काय ना हाची खात्री केली, झाडाक कितले निरपणस आसा ते मेजले आनी देडशें रुपया एक ह्या हिशोबान कोंत केलें.

“वी हॅव टू चेक इफ ही हॅज डिक्लॅर्ड धिस इन हिज एसेट्स.” (अशें कितें तरी म्हज्या कानार पडलें).

तांकां कळ्ळें म्हजी केस ताणीं चितिल्ली तशी न्हय म्हणून. म्हाका परत शंबर रुपयांचो वांटो घेवपाचे भानगडींत पडूं नाका अशी शिटकावणी दिवन ते गेले.

आतां हें वर्स हांवें फकत बुरांट्यांचेर काडलां. बुरांट्यांचो सुवाद कप्यांच्या नुस्त्याक ना हें खरें, पूण खरें कितें तें म्हाका आनी पाना वयल्या बुरांट्यांकूच खबर.

समुन्दर में नहाके...

“हज यात्रेक वचपाक आतां सरकार मजत करतली खंय, आमी खारें उदक न्हावपाक वता तांकांय सरकारान हातभार लावपाक जाय आशिल्लो.” आई वाती करत.

“तुमी खारें उदक न्हावपी जाणटेल्यांनी मुख्यमंत्र्याची भेट घेवपाची बजेटा पयलीं, कितेंय तरतूद करतलो आशिल्लो तो तुमचे खातीर.”- हांव.

“बाबा म्हाकाय मुख्यमंत्र्याक मेळपाक जाय, आई सारको.” सावळो भितर सरलो (३६०/- दिसवडो).

“तुका आनी कसलें काम मुख्यमंत्र्या कडेन?” ही रांदचे कुडींतल्यान.

“म्हाका एक कदंबा जाय. रायबंदरच्यान चरवणें व्हाया ठाणे वाळपय.” सावळो दांत कोरत.

“हो खंयचो रुट रे?”

“आमचें मावोडें न्हूं थंय? हांव एकटों पॅसेंजर जाल्यार जाता पूण म्हाका कदंबा ह्या रुटार जाय. मुख्यमंत्री ना म्हणचो ना.”

“मेळ रे बाबा तूं मुख्यमंत्र्याक. आई, हे फावटीं हांवूय येवपी आं!

तुज्या बरोबर खारें उदक न्हावपाक. म्हजे पांय सुजपाक शे लागल्या.''-आमगेली.

''पापणी तुज्या पांयांक ती सूज न्हय! तुजे पांय मुळचे तशेच.''-आई.

''तुमकां कशें खबर?''

''आगे त्या पांयांनी माप फुटबॉल कशें उडोवन तूं ह्या घरांत भितर सरली, तो खीण हांव कशें विसरन? ती याद काडल्यार पसून आंगार कांटो येता. तांचो तर कांटोच काडलो.'' (बाबाच्या आत्म्याक शांती मेळूं. दर माह १६ हजार पेन्शन). ही नाक फुलोवन भितर गेली.

''आई म्हाकाय बी भूक लागना, जेवणूच नाका शें दिसता. खारें उदक न्हातकच भूक बरी लागता खंय, खरें?'' हांव पोटा वयल्यान हात फिरयत.

''आरे पापया, तुजी वान्सा उडल्या जेवणा वयली. तूं जेवता तें जेवण रे? (आई वेगळें रांदता) आरे पेडव्यां सुक्याक कोण भिकणां पूड मारता रे?''

''आई तूं म्हणटा तें सारकें! पयर म्हाका वेल्लेच्या हुमणान मॅगी नुडल्स मेळिल्ल्यो.'' - सावळो.

''सावळ्या तूं नेमां मारपाक वच पळोवया!'' ही रांदचे कुडींतल्यान तापली.

''बाबा तूं नसती संवय करुन घेंव नाका आं! *There is nothing more dangerous than habit* अशें ब्रावन म्हणटा. ताईक पळय. केंसांत उयो ना पूण चोवीस तास हात केंसांत. *We are creatures of habit* . आनी खारें उदक न्हावन अशें जाता, तशें जाता हाका सायन्टिफीक बेज ना!''-नंबर २ (इकरावी कला. एटीकेटी).

''आरे म्हज्या शाण्याक कोणाचे दोळे बी लागत रे! शाण्या तुजे

कडेन इतलें ज्ञान भांडार आसूनूय तूं इकरावी पास कसो जायना रे?'' – आई.

''तुमी मगे अशे कितेंय मुद्दे उपस्थित करतकच अशेंच उलोवन म्हजें तोंड बंद करतात. तुजे सोमार, शुक्रार, पंचमीक दांत घासपाक वेगळे ब्रश कित्याक? हाची जाप तुवें अजुनूय दिवंक ना!'' नंबर २ तापलो.

''खाऱ्या उदकांत गूण आसात बाबू. हरशीं अर्दवर काम करतकच एक वर ब्रेक घेन दिसता. खारें उदक न्हातकच हांव अर्द वर सेगीत काम करतां कासेद जायना.''– सावळो.

''म्हाका तर खारें उदक न्हातकच *आज मैं जवान हो गई हूँ* असलीं पदां ओंठार येतात.'' शेंवतें वावर करपाक आयलें.

''हें मात खरें! कॅटरिना, करिना हांणी आपल्या सौंदर्याचें आनी फिटनेसाचें रहस्य खारें उदक अशें खंयतरी म्हणलां अशें म्हाका दिसता.'' – व्हडलें (उगतें मळब फेम) आमचे चर्चेंत वांटेकार जालें.

''हांव तर अशें म्हणन पंचमदाचें *समुन्दर में नहाके और भी नमकीन हो गई हो* हें पद खारें उदक न्हावपाचेरूच आधारीत आसा.''– नंबर ३ (आठवी मेरेन नापास ना, सरकारी धोरण बॅच १).

''तुमी सगलीं जाणां कामां सोडून म्हज्या खारें उदक न्हावपा फाटल्यान कित्याक लागल्यांत? रिसर्च करता?''– आई हांसत.

''ना गे! आमकां सगल्यांक दिसता की तुजें घटमूट उरपा फाटल्यान हेंच्च रहस्य आसपाक जाय.''– आमगेली.

''तूं मात्शी वयर टेर्रासाचेर वचून सदां कपडे हाड, सडसडीत जातली. कपडे वतांत उरुन रंग पसून उडटा. देवळा कडेन एकटी विचारताली, सुनेचे साडयांचे शेड्स नदरेंत भरऽ सारके आसतात. साडयो खंय घेतात काय विचारताली. हांवें मनांत म्हळें तूंय बी साडयो दोन दोन दीस वतांत दवरशी जाल्यार कलर सुनेच्च्या साडयां सारकोच जातलो म्हूण!''

हिणें परत किचनांत धांव मारली.

“ना गे आई! खाऱ्या उदकांत कितेंतरी गूण आसा. अंदू बाबुली भट आपल्या बापायक व्हरपाचो आसा वेळेर. तो खंय फाटल्या वर्सा अनंत चतुर्दशीक अक्षता उडयतना घट जाल्लो तो तसोच आसा. अंदू सारको जालोना जाल्यार चवथी कडेन ताचो देखावो करतले असो ताचो नातू म्हणटालो.” –सावळो.

“खाऱ्या उदकाची चर्चा चल्ल्या काय कितें?” मिसेस पोरोब मेळांय व्हरपाक आयली. “म्हजी नणंद, माय लागलो रे लागलो, खारें उदक न्हावपाक वता. नाजाल्यार तिचो माय तापता. वेळेर गेलीना जाल्यार ती रोखडीच पदां म्हणपाक लागता.”

“कसलीं? हें आनी नवेंच!”– आमगेली.

“कोळी गितां. *माझ्या सारंगा* बी.”

“आंवंय आंवंय!”– ही.

“पोरुं मात्सो आनीक लेट जालो तेन्ना तिणें *सागरा प्राण तळमळला* लेगीत म्हणलें खंय.”

“अंदू हांव येतलों आं तुजे बरोबर आज्जे!” – नंबर ३.

“नाका रे बाबा! पोरुं तुका कपडे आनी चपलां राखपाक दवरलो, चपलां नाच्च जालीं, पातळ णव वारी म्हणून उरलें.”

“सामको घळयो मरे तूं!”– मिसेस पोरोब.

“हो फॉरेनराक खाऱ्या उदकाचें न्हाण समजायतालो *You take bath this year then you will have to take bath every year*. तो बाबडो फॉरेनर नाच्च जालो आनी हेवटेन आईचीं चपलां.” –हांव.

“आतां तुमी हांगांच उलयत बसून घट जालीं जाल्यार तुमकांय म्हजे बरोबर खारें उदक न्हावपाक व्हरचें पडटलें.” अशें म्हणून आई देवा कुडींत जपाक बसली.

कोजागिरी

“**अं**दूं आमी कोजागिरी जागोवपाची थारायल्या.” ही म्हाका म्हणपाक लागली.

“तूं रात भर घोरेवन म्हाका ३६५ राती जागयता ताचें कितें?”

“तें मागीर पळोवया.”

“जागोवपाचें म्हणचे कितें करतलीं आनी आमी म्हणचे कोण?”

“आमी टेर्रासाचेर कविता वाचन करतलीं. आनी आमी म्हणचे आमी बायलां. हांव, आई, आमगेलें आनी मिसेस पोरोब.”

“हें आनी नवेंच शें? तुमी आनी कविता? आनी आई आनी तूं?” म्हाका हांसपाक येवंक लागलें.

“तुमकां मात म्हण अपुर्बाय ना! हांगां लोक आपल्या घराक कसलें तरी आंगण म्हूण नांव दिता आनी आतऱ्या पयऱ्यान टेर्रासाचेर व्हडलीं व्हडलीं कवि सम्मेलनां भरयतात. आमचो येदो व्हडलो टेर्रास, पापड-वडयो सुकत घालपाकूच उरलो. कांयच ना जाल्यार आमचे कपडे.

तें रगतांतूच आसपाक जाय, अडेचें हाडलें म्हणून जायना. तुमचे कडेन कसलीच कला म्हणटा ती ना. आमचो बाबा काय बरो पेटयेर *गुनगुना रहे है भंवरे खिल रही है कली कली* वाजयतालो.''

''आगो राव गो, तुका पळोवंक आयिल्लों तेन्ना हावा शिवा करत तें पद म्हाका वाजोवन दाखयल्लें. आतां नातरांकूय तेंच वाजोवन दाखयता. एकूच पद वाजयता तो?''

''*रुप तेरा मस्ताना* ताका जमलेंना जाल्यार तो कितें करतलो? कितेंय जावं एक जाल्यार एक, कला आसा न्ही आंगान! आतां हेवटेन आमगेल्या व्हडल्याक (उगतें मळब फेम) मात्शें आयलां ताचें म्हळ्यार तुमकां मात्तूय कवतूक ना. तें खंय व्हडले व्हडले टेर्रास गाजयता.''

''आई तयार जाली तुमच्या ह्या पिशेपणान वांटेकार जावपाक? ती आनी कसली कविता करतली ह्या वयांत?''

''म्हणचे? म्हाका समजुना तुमी कितें म्हणपाक सोदता तें. आमी कितें सर्तीक बी वतात? रात जागोवपाची. आमी व्हडल्यो कविता करचिना, आमी तिकल्यो वाचतलीं. तुमचीं तीं शाणेपणां म्हाका आयकुपाचीं ना! तुमी फकत वयर एक टेबल आनी खुर्च्यो घालात. पियेवपाक हांव केसर आनी बदाम घालून थंड दूद दितलें सगळ्यांक. सगळ्यांक म्हणचे आमकांच, मिसेस पोरोब एक भायली.'' अशें फर्मावन ही रांदचे कुडींत गेली.

''कितें गे आई, तूं कविता करपाक लागल्या हें खरें?''

असलीं फकांडां करपाची कापाजदाद हांव केन्नाय करतां.

''आरे तुगेलें म्हणपाक लागलें प्रत्येकाच्या भितर खंय कवी आसता. तो सोदचो पडटा. सोदल्यार मेळटा खंय. हांवें वाती वळटां वळटां म्हजे भितर पळयलें. म्हजे भितरल्या कवीक भायर काडलो आनी चार वळी बरयल्यो. चारुच वळी बरोवंक सांगल्या. म्हाका कितें जमना म्हण आसा? तुगेली कवयित्री धूव म्हाका सांगता जो न देखे रवि वो देखे कवि खंय!

शेंवतें हांगां व्होटयेन नाल्ल घेवन वता तें वयल्या रविकूय दिसना आनी घरांतल्या कविकूय दिसना. तें म्हाका देवा कुडींत जप करता थंय दिसता. हांसू नाका. खरें तें सांगतां.'' अशें म्हणत आई हांसूंक लागली.

वयर हांवें एक टेबल, खुर्च्यो घाल्यो आनी एक ट्यूब लायली. रातची सगळी भुरावळ वयर जमली. हांव आनी आमगेलें पात्र नं. २ (इकरावी कला. एटीकेटी) कोनश्याक खुर्च्यो घालून बसले. आमगेलेन टेबलाचेर, धवोफुल्ल टेबल क्लॉथ आनी एक फुलदाणी शी दवरली. व्हडल्यान एक तांबयो आनी पेलो हाडून दवरलो. बाकीकडेन अशेंच करतात जांवये! मागीर आमगेली उलोवपाक उबी रावली. अचानक फाट करुन पायां पडपाक लागली.

''आगो फाट करुन शें पांयां पडटा?'' हांवें विचारलें.

''कवळ्यां हे दिकेन पडटा, देवतेक पांयां पडलें. तुमकां कांय खबर ना जाल्यार ओगी बसा थंय!''

''आयज आमी हांगां पयलेच फावट आमच्या टेर्रासार जमल्यां. टेर्रासाक तशें कांय नांव दिवंक ना. गोंयां जायत्या टेर्रासांचेर कविता वाचन जाता. कोंकणीचे उदरगतीक ह्या टेर्रासानी हातभार लायला. सगल्या कोंकणी मोगींनी घर बांदतना टेर्रासाक प्रोव्हीजन दवरचें अशें हांव मागतां.''

''आगो हें कोणाक सांगता? हांगां आमीच आसात.'' - हांव.

''मदींच पचपचूं नाका पळोवया, म्हजी उलोवपाची लींक तुटता. नाजाल्यार सकयल वचून न्हिदाव्याक पडात.'' आमगेली ही ताणशेली.

''तर आतां आमी आमच्यो तिकल्यो वाचुया आनी मागीर तांचेर थोडी भासाभास करुया. तूं पयलीं वाच गो.'' हिणें व्हडल्याक म्हणलें.

आमगेलें कविता वाचपाक उबें रावलें.

''म्हजे पयले कवितेचें म्हणल्यार तिकलेचें नांव आसा डेन्टोबॅक.

काल तुजी याद आयली दांत घासतना
'क्लोज-अप'च्या जाग्यार डेन्टोबॅक लायली
तुजे यादीन घुस्पतना''

सगल्यांनी ताळयो वाजयल्यो.

"कितली सुंऽऽऽदर तिकली. हातूंत कवयित्री आपल्या मोग्याचे यादीन सामकी बुडल्या हें आमकां जाणवता. तिका क्लोज अप आनी डेन्टोबॅक हांच्या मदल्या चवीचो फरक लेगीत जाणवना.'' -मिसेस पोरोब.

"तुवें डॅन्टोबॅक एवजीं रॅटोल कित्याक म्हणलें ना?'' आमगेली ही.

"ना. रॅटोल म्हणिल्लें जाल्यार चड वायलन्ट जातलें आशिल्लें अशें म्हाका दिसता. आतां हांव म्हजी दुसरी तिकली वाचतां, ताचें नांव आसा पेपर.

म्हजो एक पेपर उरलो तेन्ना म्हाका जाली खंत
जेन्ना कळ्ळें तुजे उरले दोन
तेन्ना दुख्खाक उरलो न अंत.''

"बाबा ही कविता हाणें म्हजेर बरयल्या. म्हजे दोन पेपर उरल्या.''- आमगेलो दुसरो.

"आरे ताका तुजे वयल्यान कविता तरी सुचली. म्हाका तुका पळोवन कांयच सुचना. तकली सुन्न जाता, बस सकयल.'' हांव तापलों.

"तर हे तिकलेन कवयित्री *विश्वची माझे घर* प्रमाण आपलें दुख्ख शेअर करुंक सोदता.'' - मिसेस पोरोब.

"म्हाका आनीक ऍड करपाचें आसा. कवयित्री परस तिचो मोगी शिकपाक फ्राक हें हांगां दिसून येता.''- आमगेलो दुसरो.

"तुका कोणें मदीं पचकूंक सांगलां? ओगी बस थंय.'' - आमगेली ही.

''म्हजे तिसरे तिकलेचें नांव आसा *यमक.*

म्हज्या मोगाचें यमक कोणाच कडेन जमना
एप्रिलान धा जाले मायान कितले खबर ना.''

''हांगां कवयित्रीची सोयरीक खंयच जमना शी दिसता. तिणें यमक हो शब्द हांगां वापरला. एप्रिलान तिका धा पळोवपाचे प्रोग्राम जाल्या जांवये. मायान लग्नाचो सीजन आशिल्ल्या कारणान अशे कितले प्रोग्राम जातले तें तिका खबर ना.'' –मिसेस पोरोब.

सगल्यांच्यो ताळयो.

''आतां तुमी तुमच्यो तिकल्यो वाचात न्ही.'' आमगेलेन मिसेस पोरोबाक विनयली.

मिसेस पोरोब आंबाडो, साडी सारकी करीत उबी रावली.

''म्हजे पयले तिकलेचें नांव आसा *न्हीद.*

आयज तो पयस गेला म्हाका येना न्हीद
मागीर याद जाली रातीं जेवुंना शीत.''

ताळयो....

''हांगां कवयित्री मात्शी मिश्कील आसा हाचो प्रत्यय येता. पयलीं आमकां दिसता की घरकार पयस गेला म्हणून हिका न्हीद येना काय. मागीर कळटा की शीत जेवुना म्हणून हिका न्हीद येना'' – आमगेलें.

''म्हाकाय शीत जेविना जाल्यार न्हीद येना.'' – हांव.

''तुमच्यो तोखणायो हांगां नाका, त्यो फाल्यांक दवरात.'' – आमगेली.

''म्हजे दुसरे तिकलेचें नांव आसा *चंद्रिम.*

पुनवेचो चंद्रिम मागीलदारा उदेलो
सांगांनी भरिल्ल्या म्हस्का आड लिपलो.''

''हांगां कवयित्री कमीत कमी एके कुडीच्या मागीलदार आशिल्ल्या

घरांत रावता हें आमकां जाणवता. पणस वा आंब्या आड चंद्रिम लिपला म्हणिनासतना म्हस्का आड लिपला अशें म्हणटा. तेन्ना तिका सांगो प्रिय हें आमकां कळटा. दाळीचो रोस सांगो घालून तिका आवडटा जांवये.'' – आमगेली ही.

परत्योय ताळयो. मिसेस पोरोब लजून तांबडी जाली. ''आतां तुमी वाचतात न्ही?''– मिसेस पोरोबान हिका म्हळें. ही पदर खोवन उबी रावली.

''म्हजे तिकलेचें नांव आसा *स्त्री शक्ती.*

आयज चारुय दिकांनी फांकल्या
दिदी अम्मा बहना
मटकेकाराची बायल जावन लेगीत
हांव खंयच कमी ना.''

ताळयांचो कडकडाट...

''हांगां देशांतल्या फाकिवंत बायलांचो कवयित्रीचेर प्रभाव दिसून येता आनी ताका लागून तिचे भितर जागिल्लो आत्मविस्वास दिसून येता. मटकेकाराची बायल जावन लेगीत आपूण खंयच कमी ना म्हणटा हाचो अर्थ ती घरकाराच्या खांद्याक खांदो लावन मटक्याची बीट घेता जांवये.'' – मिसेस पोरोब.

''आतां आमची आई आपल्यो तिकल्यो वाचतली. ह्या वयांत लेगीत ती बरप करता हें कवतूक करपा सारकें. तिणें कितें बरयलां तें जाणून घेवपाची सगळ्यांक उमळशीक आसतलीच.'' – आमगेलें.

''हय तर! हांव हांगां कितें तुमचें आयकुपाक बसलां?'' – हांव.

''आज्जे उठ मगे.'' – आमगेलें.

''कितें धोंगशिता गो? घालतलें खोंट तुजेर.'' आई जागी जाली. ''आं म्हजी तिकली काय तिबो ताचें नांव आसा *संवळें.*

एकविसाव्या शतकांत संवसार खंय फुडें पावला
ना लेप ना संवळें सगल्यांचेर सांवार आयला.''

''हांगां कवयित्री जेन्ना ना लेप म्हणटा तेन्ना तिगेर वावराडी आसूंये.'' - आमगेली.

''वावराडी वावराडी म्हणून शेंवत्याचेर कित्याक घालता? तूं तपल्याचो हात सगळ्याक लायना गे?'' आई हिच्या आंगार आयली.

''हांगां कोणाचीं नांवां घेवप समा न्हय.'' मिसेस पोरोब मदीं पडली.

''आज्जे तूं तुजी दुसरी तिकली वाच पळोवया.'' - आमगेलें.

''दुसरी तिकली कपलाची! हांगां थंड वाऱ्यान तकली जड जाल्या.''- आई

''वाच मगे आतां. बाबा लेगीत तुजें आयकुपाकूच रावला. बेटो शो मारुं नाका.''- आमगेलें.

''बरें बाये, म्हजे दुसरे तिकलेचें नांव आसा *वार*.

सोमार केलो, मंगळार केलो
बुधवार केलो, बिरेस्तार केलो
तरी शुक्रारा जावपाचें तेंच जालें''

''तुमकां हे तिकलेंत कितें म्हणपाचें आसा? बरेंऽऽऽ समजलें ना.''- मिसेस पोरोब.

''म्हाका हे तिकलेंत कांयच म्हणपाचें ना. लायट काड रे न्हिदूंक या!''- आई.

हांवें पयलीं सकयल न्हिदपाक धांव मारली.

सोयरीक जमोवप-एक कला

सोयरिको जुळोवप ही एक कला अशें हांव मानतां. नुस्तें तव्यार परतप, ओलीं दाणयेर सुकत घालप हिवूय बी हांव एक कलाच मानतां. आमगेली नुस्तें तळटना सदांच रवो करपयता. आसूं.

सोयरिको जमोवप सोपें काम न्हय. हें पुण्य काम करपाक आंगांत ढवळूकपणां, इन्फॉरमेसांव काडपाचें पासियेंस आसपाक जाय. पासियेंस हांव इतलेच खातीर म्हणटां कारण हें इन्फॉरमेसांव सादेपणान हाताक लागना. हाताक लागल्यारूय तें सदांच खरें आसता अशें ना. जायत्या फावटीं सोयरिको जुळोवपी त्या जोडप्याक घेवन फोंडांत पडटा. हांवें वाड्यावयल्या दत्ताचे धुवेक उजोवपाचें काम करुन म्हज्या पदरांत पूण्य घालून घेवपाचो प्रयत्न केलो. भुरगो रेडयेचो. गोंयां कुरकुरे घेवन येतालो. सदांच दोळ्यांर रे-बन आसतालें. तें पळोवन हांव इंप्रेस जालों जाल्यार खबर ना. म्हाका बाजारांत मेळटकच तें गॉगल बोटान नाकावेल्यान सकयल सरकयत (राजेश खन्ना स्टायलीन) म्हाका म्हणटालो 'भाऊ मला गोव्याची बघा ना.' हेवटेन दत्ता सांजेचो आकडो लायतना 'बाबा, कालिल्ली धूम बघ

विश्व कोंकणी

आशिल्ल्या बापायची व्यथा तुका कळचिना, धाचेर पांच लाय.' अशें म्हणून म्हाका इमोशनली ब्लॅकमेल करतालो. हांवेंय चितलें कोणाचेंय बरें जाता जाल्यार जावं. हांवें सोयरीक जमयली. रेडयेचो शेकरो आनी वाड्यावयल्या दत्ताचें सुमलें. दत्तान म्हाका विचारलें, 'बाबा हो शेकरो कुरकुरे घेवन येता खरो, वतना कुरकुरीत जावन वचना मरे?' हांवें दत्ताच्या खांदार हात दवरीत म्हणलें, ''दत्ता निश्चिंत राव तूं, शेकरो ज्या जाग्यार कुरकुरे घालता थंय हांवें खबर काडल्या. तो बियर लेगीत घेना.'' लग्न धूमधडाक्यांत जालें (पांच परतवणाक म्हाका आपयिल्लो).

रोखडीच हिणें बातमी हाडली. ''तुमी आमच्या महिला मंडळाच्या माजी सेक्रेटरीक (म्हणजे सुमलें) त्रासान उडयलें.''

''कितें जालें?''

''शेकरो सामको बेबदो.'' ही नाक फुलोवन.

''आगो हांवें तो कुरकुरे घालता त्या गाड्यार इन्फॉरमेसांव काडिल्लें मगो.''

''तुमी तो कुरकुरे घालिना त्या गाड्यार इन्फॉरमेसांव काडपाचें. असलें इन्फॉरमेसांव दुस्मान सारके दितात. तुमकां कोणें सांगलां सोयरिको जमोवपाक? तुमकां हांगां भुरग्यांच्या पेपरांतल्यो जोड्या जुळवा जमऽ ना. त्या पोराक बाबड्याक सामकें त्रासान उडयलें तुमी.'' ही सामकी तांबडी जाली. (ही लजतकचूय तांबडी जाता).

हिणें म्हणलां तातूंत कांयच चूक ना. दुसऱ्यांच्यो म्हाका जोडयो जुळोवपाक केन्नाच जमलें ना. म्हजीच हांगां जुळ्ळी ना, दुसऱ्यांच्यो खंय जुळयतलों? हिणें म्हणलां ते प्रमाणे परिक्षेच्या पेपरांतल्यो लेगीत जोडयो जुळोवप, म्हाका जमलें ना. एकदां म्हाका याद आसा परिक्षेक मॅच द फॉलोविंग करतना 'भाऊसाहेब बांदोडकर – कोंकर्ड गोवा इन १५१०' अशी जोडी जुळयिल्ली. आसूं!

ही आमगेली सोयरिको बरी जमयता. तिका तें कित्याक बरें जमता, म्हाका कित्याक जमऽना हाचेर हांवें बारीक अभ्यास केलो. मागीर म्हाका अशें दिसून आयलें की हें काम पार्ट टायम न्ही. आमकां तशें दिसता पूण तशें तें न्हय. सोयरिको जमयतलो जाल्यार तुका एलिजिबल कॅन्डीडेट खंय आसा तें पयलीं कळपाक जाय. ताची सुरवात अशी जाता 'तुगेल्या राधाक खंय दिलां गो?' ह्या प्रस्नावेल्यान राधा लग्न जालां काय ना तें कळटा. 'ताका भुरगीं कितलीं गो?' हांगां कितले कॅन्डीडेट आसा, चलो काय चली ह्या सगळ्या इन्फॉरमेसांवाची डेटा बँकेंत भर पडटा.

आतां इन्फॉरमेसांव कशें काडटा तें पळेया.

"व्हडलो कितें करता?" –ही.

"बँगलोराक आसता आय टी कंपनीन." –हें सोर्स ऑफ इन्फॉरमेसांव म्हणटा.

"आनी दुसरें?"

"मेडिकलाक निमणे वर्साक."

"दोतोर बी सोदता आसतले, तांचें थंयच जमता." – ही आतां चलयेचें कॅरेक्टर सर्टीफिकेट सोदता.

"ना गो तांकां दोतोर नाका तांकां इंजिनियर जाय." – सोर्स ऑफ इन्फॉरमेसांव.

"व्हडल्याचें पयलीं करतलीं?" – ही.

"हय तांकां घर सांबाळपीच जाय. चली नाका दोळ्यान बरी आसतकच जाली. तांकां कितें कमी आसा गो? घर भरुन वोतता."

अशे तरेन ही, एलिजिबल कॅन्डीडेट, ताचें शिक्षण, ताची आवड निवड, लग्न केन्ना जावंक सोदता, ही सगळी म्हायती आपल्या डेटा बँकेंत स्टोर करुन दवरता. ल्हान भुरग्यांक जेन्ना ही प्रस्न विचारता तेन्ना लेगीत हिचो हेतू होच आसता. 'बाबू तुका आई चड आवडटा काय बाबा?' ह्या

प्रस्ना फाटल्यान हो भुरगो व्हड जातकच कोणाचें आयकतलो, आवयचें काय बापायचें हें जाणून घेवपाचो हेतू आसता. नवेंच लग्न जाल्ले चलयेक ती ''आगो आमकां गूड न्यूज केन्ना गो?'' हो प्रस्न विचारता. म्हणचे आपल्या उमेदवारांचे वळेरींत भर केन्ना घालता हें जाणून घेवपाचें आसता.

''बाबू तूं व्हड जातकच कोण जातलो रे?'' ''बाबू शाळेंत तुजीं कोण कोण फ्रेंडां आसा रे?'' हे प्रस्न हेच वळेरींतले. हे ग्रासरुट इन्फॉरमेसांव गोळा करपाचे प्रकार.

आतां डेटा बँकेंत इन्फॉरमेसांवांची भर घाली म्हणून जायना, तें पडताळून पळोवचें पडटा, ना जाल्यार हांवें केला तसो घोळ जाता. हांवें हाचोय अभ्यास केला. ही इन्फॉरमेसांव जाय त्या मनशाकूच ज्यूस्त विचारता. तें कशें तें म्हाका विचरुं नाकात. ही बारशे, लग्नां, साखरपुडे, जात्रा आनी मरणां लेगीत चुकयना. हय मरणां लेगीत चुकयना. एकदां आमी अशींच मरणाक गेल्लीं. बायलेचें मडें हॉलांत आशिल्लें. ही भितर गेली 'स्वाती सवायशीण गेली तें बरें जालें सगल्यांच्याच नशिबान हें आसता अशें ना. तें सोड, आतां सुभाष लग्न जाता म्हणटा? ल्हान भुरगें आसा न्ही गो! कामतीलें मीना आसा. पळेयात तुमी. दीस जातकच कळयात.' अशें तांच्या घरच्यांक सांगून आयली.

हांवें वयर म्हणलां तशें डेटा बँकेतलें इन्फॉरमेसांव पडताळून पळोवचें आसता. ही सदांच इन्फॉरमेसांव उमेदवाराच्या शेजाऱ्याक, वावराडेक, दायज्यांक विचारता. हिच्या म्हणण्या प्रमाणे ही मंडळी म्हायती सामकी टू द पोयंट आनी सारकी दिता. हें इन्फॉरमेसांव काडपाक सगल्यांक जमता अशें ना. आतां सावंताल्या नंदाची सोयरीक जुळोवच्या वेळार हिणें शेवत्याची मजत घेतली.

''शेवत्या तू वयल्या वाड्यार सावंतागेर कामाक वतालें न्ही गो?''

''हय भाभी. कित्याक?''

“हरशीं गो, तागेलें नंदा बरेंऽ पोर न्हय गो?” - हिगेली गुगली.

“कोणें गे सांगलें तुका? तें हांगाची काडी थंय करना. लेंस लेगीत म्हाका उमळूंक घालतालें.” - शेवतें क्लीन बोल्ड.

अशें इन्फॉरमेसांव आमकां काडपाक जमतलें? केन्नाच ना.

आतां शेजारी आसल्यार तिची पद्धत वेगळी. कवळ्यां वता तेन्ना ही खांब्याक तेंकून बसता आनी हींच कामां करता.

“संजगिरी तुमचो शेजारी न्हय गो?”

“हय, कित्याक?”

“तुमगेर येवन वचपी? सामको शेजारी म्हणून विचारतां आं.”

“हय, कित्याक?”

“ना गो तांचो रमेश एकूच चलो न्हय अपुरबायेचो? ल्हान आसतना पळयिल्लो.” - हिची परत गुगली.

“अपुरबायेचो उरुना गो आतां, बेबदड जाला. घरान शिगमो करता. आमकां न्हिदपाक सुद्दां दिना.”- सोर्स ऑफ इन्फॉरमेसांव क्लीन बोल्ड.

“पाड पडूं! तांच्यो खबऱ्यो आमकां नाका, आमी किर्तन आयकुया.” अशें म्हणून ही सोर्स ऑफ इन्फॉरमेसांवांक फाट करून किर्तन आयकुपाक बसता.

अशे तरेचें कसब चुकून एकाद्या मर्दीं सापडटा आनी तीच सोयरिको जमोवंक पावता. अश्या मनशां भोंवतीं लोकांचो गराडो आसता. आमचे लागीं मूस लेगीत फिरकना. हिचे कडेन, जश्यो लाडली लक्ष्मी फॉर्मीं घेवपाक गर्दी जाता तश्यो नखेत्रां आनी कुंडल्यो दिवपाक गर्दी जाता आनी ही तें एन्जोय करता. ताचो फकत म्हाका त्रास जाता. रातचें मर्दींच म्हाका उठोवन ‘अहो मंगळ सरीताक आसा काय सीमाक? पयर हांवें तुमकां सांगिल्लें पळय?’ असलें इन्फॉरमेसांव विचारता. न्हीद मोडिल्ल्यान मागीर दीस भर हे ग्रह म्हजे भोंवती गरऽ गरऽ करुन फिरतात.

आतां आमकांय धूव आसा. चल्यांचें सोडा. सोयरीक जुळोवपी घरांतूच आशिल्ल्या कारणान बाकिच्या चलयांच्या बापांय भशेन म्हाका चलये खातीर जोतीं झरोंवचीं पडचीं ना अशी आस्त बाळगून आसां. कालूच आमगेलें व्हडलें टेर्रासाचेर *'शायद मेरे शादी का खयाल... इसिलिये मम्मी ने मेरे तुम्हे चाय पे बुलाया है.'* म्हणटालें. पळोवया कितें जाता तें.

महिला सबलीकरण

'**मी** अबला नव्हे सबला, मी अबला नव्हे सबला' अशें म्हणत ही एका हातान शिताची दाय तलवारी सारकी नाचयत सालांत आयली तशें जपाक बशिल्ले आईन आंग काडलें. 'हो अवतार गे बाये कसलो?' आईन विचारलें.

"हाका सेल्फ कंडिशनींग म्हणटात. अशें परत परत हांवें म्हजे म्हाकाच सांगतकच म्हाका तें खरें दिसपाक लागतलें आनी हांव अबला उरचिना. महिला मंडळाचीं सगलीं जाणां अशें करत आसात. हाका लागून बायलांचें सबलीकरण बेगीन जातलें."

"हांवें रस्त्याचें डांबरीकरण तितलें आयकल्लें, हें सबलीकरण कितें प्रकरण? आमच्या वाड्यावयल्या रस्त्याचें डांबरीकरण जालें रें?" आईन म्हाका विचारलें.

"आई हो फकांडांचो विशय न्ही, तुमच्या सारकीं बायलांच बायलांचीं दुस्मानां. हांवें धा रुपया भरुन म्हायती हक्क कायद्या खाला तुमी दिसांतल्यान कितले फावटीं म्हजे नांवाचो उद्धार करता ती म्हायती मेळयल्या."

''आमच्या घरानूय हो कायदो लागू जाता? धा रुपया खंय भरले?''

''धा रुपया हांचे कडेन दिल्ले.''

''हांवें ते तुज्या ड्रेसिंग टेबलार दवरल्या.'' हांवें बेगीन बेगीन सांगलें.

''ते खंयूय दवरूं, म्हाका मेळिल्ले म्हायती प्रमाणे तुमी दिसांतल्यान पंद्रा फावटीं म्हज्या नांवाचो उद्धार करतात. हाचे वयल्यान आमी आमचींच दुस्मानां हें सिद्ध जाता. मागीर आमचें सबलीकरण कशें जातलें?''

''आतां हांव सोळ्याव्या फावटीं उद्धार करतां. फळयेवयली लोणच्या भरणी कोणें काडली?''

''हांवें.'' हिणें नाक फुलयलें.

''ती सवळी म्हणून तुका खबर ना? इतले त्रास घेवन हांवें लोणचें घालां तें अशें पिड्डेर करपाक? म्हजें सवळीकरण कोण करतलो?''

''हेंच तें सवळें ववळें करुन आमचेच पांय आमी ओडटात. मागीर आमी अबलाच उरतलीं.''

''मागीर कंडिशनींग करत राव तर! 'मी नाही अबला मी आहे सबला'.'' अशें म्हणून आई परती जपाक बसली.

इतल्यांत आमगेलें व्हडलें (उगतें मळब फेम) कॉलेजीक वचपाक भायर सरलें.

''आगो तुवें सबलीकरण केलां मगो?'' हिणें ताका विचारलें.

''हय तर.'' अशें म्हणून ताणें बॅगांतलो नेल कटर काडून दाखयलो.

''व्हेरी गूड, कीप इट अप, म्हजी चली सोबता.'' हिणें ताळयो वाजयल्यो. ताणें थम्स अप करुन दाखयलो.

ह्या नेल कटरान म्हाकाय पिडला. हें बायलांनी कितें तरी नवें काडलां. पयर हांव मडगांवां वतालों. बायलां खातीर आशिल्ले सीट ॲज युजुअल बायलांनीच भरिल्ले. उरिल्ल्या राखीव नाशिल्ल्या सिटांचेरुय

तांचोच कब्जो आशिल्लो. हांव बरोऽसो सीट पळोवन विर्शीतले चलये शेजरा बसलों. हांव बसल्या बरोबर तिणें आपलें बॅग उगडलें आनी नेल कटर भायर काडलो आनी तातूंतलो व्हडलो चाकू उगडून म्हजे दिकेन धरलो. तिचो भेस पळोवन हांवें तिका इंग्लीशींतल्यान विचारलें 'व्हाय धीस?' 'जस्ट इन केस.' तिणें जाप दिली. 'आय ॲम नॉट ऑफ दॅट केस. आय ॲम हार्मलेस' हांवें थरथरत म्हणलें. मागीर तिणें व्हडलो चाकू दोडलो आनी ल्हान चाकू उगडून म्हजे दिकेन मडगांव मेरेन धरलो. एका आठवड्या उप्रांत परत हांव मडगांवां गेल्लों. हे फावटी बरोऽसो सीट पळोवन तिर्शींतले चलयेसरीं बसलों. हांव बसल्या बरोबर तिणें बॅग उगडून 'एमडीएच' चें मिरसांगे पिट्याचें पाकीट काडलें, तें उगडलें आनी म्हज्या हातांत दिलें. म्हाका दिसलें होवूय बी महिला सबलीकरणाचो प्रकार म्हणून. आतां ती 'तूंच ही मिरची पावडर तुज्या दोळ्यांनी घालून घे' हें केन्ना सांगता हाची वाट पळयत रावलों. पूण तशें कांय घडलें ना. तिणें परत आपली बॅग उगडली आनी बॅगेंतल्यान कातरिल्ली आंबली काडली, म्हजे कडल्यान मिरची पाकीट घेतलें आनी मिरची पिठो लावन एक एक फोड आपल्या तोंडांत उडोवन सूऽ सूऽ करुन खाली. तें पळोवन म्हाकाय सूऽऽ जालें.

महिलांचें सशक्तिकरण हो सबलीकरणाचो एक भाग अशें विचित्रशें मनाक (म्हज्या) न पटपा सारकें समीकरण आमच्या घरांत हिणें मांडलां. ताचो एक भाग म्हणून सद्या आमगेर चार लीटर दुदाची लावण हिणें लायल्या. नाशणे सावळो हाडून दिता. सत्वाचो मारो आपल्याचेर आनी व्हडल्याचेर ती करता. 'हें अशेंच चालू उरल्यार तुजें सबलीकरण हाता भायर वतलें' अशें आईन हिका सांगून जालें पूण हिका कांय फरक पडूना. 'आगे पापणी सत्व हें पचपाक जड आनी तूं तर सगल्या वटेनी जड. जाण्ट्यांचें आयकुचें केन्नाय' आई आपले परीन समजायता.

''नारी नारी का शत्रू है ये हमने जाना है, किसी हालत में महिला

सबलीकरण होना है'' हिणें सत्व खावन घोशणा केली.

''पळयलें मरें हिंदीची आनी बायलांची दुर्दशा आमच्या देशान कित्याक जाल्या ती.'' आईन म्हणलें आनी जपाक बसली.

महिलांचें सबलीकरण जावचे खातीर ही दर शेनवारा मारुतीच्या देवळांत वता आनी ताका तेल घालता. वतना ती 'अंजनी सूताच्या देवळान वता गे आई' अशें सांगून वता. हे बाबतींत हांवें शेवत्याल्या धाकट्याक विचारलें,

''आगो तुजें सबलीकरण जावंक ना गो?''

''आमचें परिवर्तन जाता, सबलीकरण न्ही'' ताणें फटाक करुन जाप दिली.

''म्हणून तूं शेनवारा देवळान वचना?''

''बाकिच्यांचे तेत्तीस कोटी देव 'गाईन' आसता, आमचे 'भाईन' आसा.'' अशें म्हणून तें दाराक स्टिकर लावपाक गेलें.

सरकारान जस्टीस वर्माचो रिपोर्ट अख्खो आपणावना पूण आमगेर ताची पुराय अंमलबजावणी जाता. रातची न्हिदतना ही आमचे मर्दीं उशें (सावरबोण्या कापसाचें) दवरता. ''आगो हें आनी कितें?'' हांवें पयले खेपे विचारलें.

''जस्टीस वर्मान म्हणलां घोवान केल्ली जबरदस्ती ही एक आगळीकूच मानची.''

''आगो जबरदस्ती सोड, म्हाका हरशींच कांय करन दिसना.''

''तरी सुद्दां हें उशें मर्दीं आसूनी.'' अशें म्हणून तिणें लायट काडली.

हें कर्म आपणें केलें तें केलें आमच्या भाड्याक रावपी नेपाळणीकूय सांगलें. ''लेकीन हमारे शादी को छ महिने भी नही हुए.'' नेपाळणीन लजत म्हणलें.

''तुम उशें बीच में डालना और खुद निकालना अपनी खुशी से, ये

जबरदस्ती नही होगी.''

''सच्ची?'' नेपाळणीन दोळे मोठे केले आनी खोशयेन भितर गेली.

पयर चामुण्डा देवी महिला मंडळान संवसारीक भलायकी दीस साजरो केलो. त्या निमतान हिणें अध्यक्षा ह्या नात्यान भाशण केलें. तें आयकून खंयच्याय दादल्याचीं गात्रां ढिलीं जावपाचीं. हांव हातूंतलो कांय वांटो तुमच्या फुडें (दादल्यां खातीर) दवरतां.

''बायलांनी आपल्याक 'बी हाय्व' समजूंक जाय. 'बी हाय्व' म्हणजे मधु माश्यांचें पोळें. ही कल्पना पयर दादल्यानूच मांडल्या पूण ती आमी आपणावपाक कांय हरकत ना. बरें कितेंय आपणावचेंच. आज संवसारीक भलायकी दीस, ह्या दिसा निमतान हांव एक मुद्दो मांडटां. म्हाका म्हगेर तिनूय चलयोच जावंच्यो अशें दिसतालें. पूण एकूच जाली. कित्याक तर दादल्याक लागून. ताचे कडेन *XY* क्रोमोजोम्स आसा. बायलां कडेन फकत *X* क्रोमोजोम्स आसता. इतलीं वर्सां जालीं पूण हें अशें कित्याक? आतां वेळ आयला आमच्या सबलीकरणाचो. आयज संवसारीक भलायकी दिसा आमी संकल्प करुया की फुडारान हीं दोनूय क्रोमोजोम्स आमचे कडेन घेवपाचीं आनी आमकां जाय तें करपाचें.''

हें भाशण आयकून म्हज्या कुडींतल्यान *XYZ* गळून पडलीं. तुमच्या? (हांव दादल्यांक विचारतां).

महिला दिन - तोय बी आमगेर

आठ तारखेर बायलांचो दीस आमगेर व्हडा दबाज्यान मनयलो गेलो. स्त्री शक्तिचो स्रोत आमगेर आसल्या कारणान आमगेर हे तारखेक चड म्हत्व प्राप्त जाता आनी म्हाका ताची झळूय बरीच लागता. त्या भायर ही चामुण्डा देवी महिला मंडळाच्यो अध्यक्षा म्हणटकच विचारूंच नाका. सात तारखेर रातचें, रांदचे कुडीचें जनेल बंद करतना महिला मंडळाच्या सेक्रेटरीन (मिसेस पोरोब) हिका हटकिली.

"आगो याद आसा मगो रातच्या बारांक?"

"याद आसा म्हणजे गो? विसरपाक हांव पिसावलां काय कितें गो? बायल जावन हें विसरप जाल्यार स्त्री जल्मा तुझी ही कहाणी."

म्हाका हीं कितें उलयता तें कळ्ळें ना.

"कितें गो, रातचे बारांक कितें प्रोग्राम?" हांवें हिका विचारलें लेगीत.

"तुमकां कळचेंना तें. त्या खातीर बायलांच्याच जल्माक येवपाक जाय." अशी कडक जाप म्हाका मेळ्ळी.

रातच्या बरोब्बर बारांक हिचो मोबायल वाजलो. हिणें तो घेतलो आनी आड्डली "हॅप्पी विमन्स डे मिसेस पोरोब. लोंग लिव अवर फ्रिडम."

"हेंच तें तुमी ठरयिल्लें बारा वरांचेर बोब मारपाची?" म्हजें चाळवलें.

"तुमी ओगी रावा. तुमकां कळना तें. स्त्री ही क्षणाची पत्नी आनी अनंत काळाची माता आहे. आतां आमी बायलां ओगी रावचीं नात. आज त्या भायर आमचो दीस."

सालांत आई उठून बसली. "आगो, बाबा आसा मगो बरो? कित्याक आड्डली तूं?"

"आई तुजो पूत बरो आसा कांय जांवना ताका. आज बायलांचो दीस म्हणून पोरोबाचे बायलेक परबीं दितालें."

"आज बायलांचो दीस जाल्यार बाकीचे दीस कोणाचे? आरे हिचीं नेरवां चाळवलीं रे, गुळयो दी रे हिका." आईक धडधडूंक लागलें.

"म्हाका कांयच धाड मारुना आज हांव कोणाचेंच आयकुपाची ना. आज मैं जवान हो गयी हूँ, गुल से गुलिस्तान हो गई हूँ, ये दीन ये साल ये महिना..." ही पदेवपाक लागली. आई हिचेर गाळयांचो शींवर करून न्हिदूंक गेली. हांवूय बेडरूमांत आयलों.

"तुमी हेवटेन न्हिदात, म्हाका बेड लॅम्पा कडेन न्हिदुनी."

"हें आनी नवें कितें काडलां?"

"तुमकां कळचें ना तें."

हांव निमुटपणान जागो बदलून न्हिदलों. ही बेड लॅम्प टक टक करुन एक दुजे के लिये सिनेमांतल्या वासू सारकी पेटोवन पालोवंक लागली.

"हें आनी कितें गो? टायम पळे रातचीं साडे बारा जाल्यां. भान आसा तुका?" हांव तापलों.

"आज तर सामकें भान आसा. हांव आनी मिसेस पोरोब लायट पीक पीक करुन आज ह्या दिसा आमी मुक्त आसां हाची एका मेकांक जाणीव

करुन दितात.''

तेवटेन पळेल्यार मिसेस पोरोब टक टक करुन हिका सिनालां दिता आनी भायर पडवेर मि. पोरोब टप टप करुन जळारां मारता. म्हाका दोळो लागलो म्हणटकच तांची टक टक केन्ना सोंपली कळपाक मार्ग ना.

सकाळीं फुडें उठल्या बरोबर म्हाका हिणें शिटकावणी दिली.

''आज दिसभर तुमी खंयच वच्चेनात, रांदचेकुडीन पडून रावतले.''

''हें आनी नवें कितें आतां?'' म्हजें घुंवलें. (म्हजें फकत घुंवता. ताचे फुडें आनी कांय जायना.)

''आज एका दिसाळ्याची वार्ताहार आमगेर येवपाची आसा तेन्ना तिका तुमी रांदचेकुडीन दिसपाक जाय.''

''ताणें कितें हासिल जातलें?''

''तिका आमगेर महिला दिन खऱ्या अर्थान साजरो जाला हें कळटलें.''

''म्हणचे? दादल्यांक राबयले म्हणचे तुमी मुक्त जालीं? ह्याच खातीर महिला दिन मनयतात?''

''आमी कितल्योशयोच पिळग्यो तुमच्या धाकान रावलीं, आतां खंय आमी वयर सरतात. आतां आमी आमचो पुरुषार्थ दाखोवंक लागल्यां. पुरुषार्थाक दुसरो शब्द ना दिसता. सॉरी, म्हणुनूच तो वापरलो. तुमकां हांव कितें म्हणूंक सोदतां तें कळ्ळें न्हय?''

''तुज्यो भावना म्हजे मेरेन पावल्यो.'' अशें म्हणून हांवें खांद्या वयलो तुवालो दोळ्यांक लायलो. (म्हाका घरांतल्या गड्याचें रुप येवचें म्हूण 'खांद्यार तुवालो उडय' असो आदेश आशिल्लो.)

सांजेची, मोटवी स्कर्ट घाल्ली एक दिसाळ्याची रिपोर्टर भितर सरली.

''येयात, येयात, येयात. मॅनी हॅप्पी रिटर्नस ऑफ द डे, हॅप्पी विमन्स डे, लॉन्ग लिव अवर फ्रिडम.'' हिणें येवकार दिलो.

रिपोर्टरान मोटवी स्कर्ट घाल्ल्या कारणान खंयचो पांय कसो घालून बसचें हातूंत पांच मिनटां गेलीं.

‘‘आं बसलें गो हांव, आतां सुरवात करतां. आयच्या दिसा तुमचें फिलींग सांगा.’’

‘‘काय बाई सांगु कसं मी सांगुं, मलाच माझी वाटे लाज काही तरी होऊन गेलय आज.’’

‘‘आयचो दीस तुमचो कसो गेलो हें सविस्तर सांगा.’’

‘‘आयचो दीस वेगळेंच ताजेपण घेवन आयिल्लो. हांवें हांकां साडे चारांकूच उठोवन घाले आनी आज महिला दिन हाची जाणीव करुन दिली. आज आमी कांयच पुल्लिंगी खालें ना. मेनूच तसो दवरलेलो. सकाळीं च्या स्त्रीलिंगी, बिस्किट स्त्रीलिंगी, मुद्दाम शिरो केलो ना पुल्लिंगी. तातूंतलो रवोय पुल्लिंगी, दनपारां जेवणाक लेडीज फिंगर भाजी. कोंकणीन भेणो पुल्लिंगी जाता म्हूण इंग्लीशीन, तेफळ कडी, मुगांची उसळी आनी ताका कडी. आज आमचें लक पळेया. आज शुक्रार, संतोषी मातेचो वार. सोमार बी आयिल्लो जाल्यार प्रॉब्लेम जातलो आशिल्लो. देव जालो तरी दादलो. मागीर आमी कितें करतलीं आशिल्लीं? मागीर आमी म्हणचे हांव आनी मिसेस पोरोब पणजे महालक्ष्मीच्या दर्शनाक गेलीं. बसीन चडल्या बरोबर आमी पयलीं लेडीज सीटाचेर नदर मारली. पळयल्यार सीटार पिडा कशीं बायलांच बसल्यां. दादले आशिल्ले जाल्यार आयच्या दिसा काय बरो निशेध उक्तावंक मेळटलो आशिल्लो. वाटेर स्पीड ब्रेकरार ड्रायवरान एकदम बस चडयली. आमी ताका तापोवन समज दिली. आमी ‘अशीं’ आशिल्लीं म्हणून बरीं ‘तशीं’ आशिल्लीं जाल्यार? ताकाय तें पटलें आनी ताणें सॉरी म्हणलें.’’

‘‘व्हेरी गुड! सुपर्ब! तुमी दादल्यांक स्त्रीशक्ती जागी जाल्या हाची जाणीव कशी करुन दिली?’’–रिपोर्टर.

‘‘गुड क्वॅस्चन. आज हांवें पिंजरीची डबी हांचे फुडें धरुन मॉंग भरो

सजना अशें म्हणलें. ताणीं माँग भरतकच, तुमी फकत कुकमाक आधार हें तांकां स्पष्टपणान सांगलें. मागीर आमी म्हणचे हांवें आनी मिसेस पोरोबान केंस मानेर सोडले आनी जीब भायर काडून उबीं रावलीं. घोवांक पांयांकडेन हात जोडून बसयले. अशे स्थितीन आमी फोटे काडले.''

''वॉट एन आयडिया सरजी.''

''सरजी म्हणुनाका. पुल्लिंगी.''

''वॉट एन आयडिया मॅडमजी. म्हणचे तुमी दोगांयजाणां दुर्गा आनी घरकार तुमच्या पांयांकडेन म्हणजे आयच्या दिसा बऱ्याचो वायटाचेर विजय.''

''एक्झेक्टली''– ही.

''गूड कॉनसेप्ट. खरेंच तोखणायेक पात्र तुमी. खऱ्या अर्थान तुमी महिला दीस साजरो केलो.''

मागीर हांव खांदार तुवालो उडोवन रांदचे कुडींतल्यान जिलब्यो, चक्र्यो आनी च्या सगलें स्त्रीलिंगी घेवन भायर आयलों. च्या पाणी जाल्या उपरांत बायलांनी 'हम हो गये कामयाब आज के दिन' हें गाणें म्हणलें. हांवें रांदचे कुडींत शेव चिवडो पुल्लिंगी खावन तें आयकलें.

दिल माँगे मोर

वडां पुनव लागीं पावता तशें म्हजे छातयेंत धडधडूंक लागता. हांव हरशीं देव देंवचार मानिना. पूण कितें कोण जाणां हें वडा पुनवेचें व्रत खूब कडक अशें म्हाका दिसता. ताका लागून हें खोड (बायल ह्या अर्थान) सेगीत सात जल्म म्हज्या गळ्यांत पडटलें असो म्हाका भंय दिसता. हे बाबतींत हांवें सावळ्याक विचारलें,

"बाबा तूं ओगीच टॅन्शन घेंव नाका. शुगर वाडटली."

"आरे सेगीत सात जल्म म्हणचे थोडे जाले रे?" म्हज्या दोळ्यांत दुकां आयलीं तशें, सावळ्याक भरुन आयलें. (हें वाचतना कितलेशेच जाणांक भरुन येतलें हाची म्हाका कल्पना आसा).

"आरे सत्यवानान फाटल्या जल्मांत पाप केल्लें."

"हो कहानी में ट्विस्ट खंयच्यान आयलो?"

"तुका कांय खबर ना तें. यमान सत्यवानाचो प्राण व्हरूं नाका, पतिव्रता सावित्री फाटल्यान आयली."

"तें बरें आसा, फुडें?" हांव उमळशिकेन.

"सत्यवानान यमाक सांगलें, तुमी रेड्यार बसून सवकसायेन येयात, हांव धांवत फुडें वतां, म्हाका परत सकयल वचून सावित्री बरोबर संवसार करपाचो ना, म्हाकाय म्हण चेंज जाय."

"हें म्हाका खबर नाशिल्लें मरे."

"आतां ओरिजिनल कितें मेळटा! रामायण, महाभारत सगळें डुप्लीकेट. हांवें आतां तुका कितें सांगलां तें ओरिजिनल वर्शन." सावळ्यान विडी पेटयली.

"मागीर फुडें कितें जालें?"

"आरे सत्यवानाचो सी. आर. (कॉनफिडेन्शियल रिपोर्ट) बरो नाशिल्लो. तेन्ना 'सी. आर.'आक खूब म्हत्व. महाभारतान धर्माचें कितें जालें?"

"हो धर्मा कोण?"

"तूं गोंयचो धर्मा आनी पुराणांतलो धर्मा मिक्स करुं नाका. हो धर्मराज."

"ताचो सी.आर. बरो नाशिल्लो?"

"आनी कितें तर? एका वाक्याक लागून ताचो आंगठो झडलो मरे! आतां तोच रुल तुका अप्लाय केल्लो जाल्यार तुजी अख्खी कूड झडटली आशिल्ली."

"तेंय खरें. तूं फुडें सांग."

"यम सत्यवानाक म्हणपाक लागलो: तुज्यो यातना म्हाका कळटा पूण ताका उपाय ना. तुका यमयातना परस खर यातना फावो जाता. तुका सावित्री बरोबर परत वच्चेंच पडटलें *No second thought*."

"हें इंग्लिशीन म्हळें?"

"ही म्हजी कल्पना शक्ति."

"मागीर सत्यवानाक झक्कत सावित्री बरोबर वच्चें पडलें. ही खरी

कथा. बायलांनी आपली इमेज व्हड करपा खातीर ही पुराणांतली घटणा कशी ट्विस्ट केल्या पळय." सावळ्यान तिडकीन दुसरी विडी पेटयली.

"पोरुं महिला मंडळाच्या बायलांनी आमच्या टेर्रासार चाळणी घेवन चंद्राक पळेल्लो तें प्रकरण कितें?" आतां हांवें विडी पेटयली.

"त्या प्रकरणाक करवा चौथ म्हणटात. हीं पिशेपणां बायलां आमच्या देशांतल्या उत्तर प्रांतान तशेंच सिरियलांनी आनी सिनेमानी करतात. त्या दिसाक बायलां घोवा खातीर उपास दवरतात आनी चाळणीन चंद्राक पळोवन उपास सोडटात. भाग्यश्रीक आनी काजोलाक चाळण घेवन टेर्रासाचेर पळयिल्ल्याक आमचीं बायलां चाळवल्यां. हातूंत सात जल्माची भानगड ना पूण घोवाक खूब आयुश्य मागून तीं ताका त्रासान घालतात."

"घोवाचो आनी चाळणीचो संबंध कितें?" म्हजो सावळ्याक प्रस्न.

"आरे हें कितें विचारता? घोवांची ह्या बायलां बरोबर आयुश्य काडून चाळण जाल्ली आसता ताचें प्रतीक तें."

"अशें?"

"हय."

"म्हाका पोरुं हिणें शेरवानी घालून टेर्रासार आफयल्लो आनी कपळाक नाम लायिल्लें."

"खरें, पोरोबाचेरुय हीच पाळी आयिल्ली. हिरो सदांच शेरवानी घालून वयर टेर्रासार येता ताचो परिणाम तो."

"अंदूं खंय ती उपकारची ना, अंदूं खंय सदरो. हांव शेरवानीचें कितें करूं?"

"अंदूं पंचमीक गणपती पावयतना घाल ती." सावळ्यान म्हळें.

सावळ्याकडेन उलयतकच जीव मात्सो हल्को जाता. जेवन साखर पळेली, देडशें मेळ्ळी, जिवाक आनीक बरें दिसलें. सांजेची म्हाका हिणें सामानाची यादी दिली.

“अणसां, आंबे–तोतापुरी, पणसाची शीर. सगळो पणस हाडश्यात पोरुं सारको! आनी सुतली.”

“सुतली शी?”

“सुतली शी म्हणचे? ही यादी कित्याक तर? फाल्यां वडा पुनव याद ना? वडाक बांदपाक.”

“सुता भिशटीण म्हण. सुतली म्हणटकच म्हाका दिसलें सूम म्हणून! इतलें घट बांदत जाल्यार हांव फुडले सात कित्याक चवदा जल्म सुटचो ना.”

“ज्योक केलो? आमी बायलां हें मना पासून करतात, दुसऱ्यांच्या भावनां कडेन खेळूं नाकात!” अशें म्हणून हिणें म्हज्या पांयांची धूळ आपल्या भांगांत घाली. म्हजे दोळे भरुन आयले. हांव “दिल को देखो चेहरा ना देखो....” हें पद गुणगुणत भायर सरलों.

दनपारचो हांव जेवन सालांत आड पडिल्लों. ही मिसेस पोरोबा लागीं उलयताली.

“कोण जाणां कितें म्हणून, दर वर्सा वडा पुनव आयली की म्हाका एक सपन पडटा.”

“कसलें मॅडम?”

“हे रेड्यार बसल्या आनी शारुख खानाक व्हरतात, हांव धवीच साडी न्हेसून फाटल्यान धांवतां.”

“*OMG!*” मिसेस पोरोब

“*OMG?*”

“*Oh My God!*”

“बरें. शारुख खानाचे ते परिस्थितीन लेगीत म्हाका सिक्स पॅक्स दिसतात.”

हांवें न्हिदिल्लेकडेन म्हज्यो स बरगड्यो सांसपिल्यो.

"हांव मागीर झगडून शारुख खानाक परत हाडटां आनी आमी मागीर छम्मक छल्लो डान्स करतात."

"फुडले जल्मांत मिसेस शारुख खान काय कितें?"

"आय होप सो."

मागीर येदोळ पांयांची धूळ भांगांत घालपी ही दोळ्यां सामकार आयली आनी परत म्हजे दोळे भरुन आयले.

सांजेची च्या घेतना आई आयली, "येदोळ आड पडिल्ली तेन्ना तुजो बापूय सपनांत आयलो."

"आगे वडा पुनव लागीं पावतकच सगळे सपनांत येवंक लागतात तुमच्या?" हांव बेजार जालों.

"हांवें आफयिल्लें तांकां?"

"कितें खबर खंय वयर?"

"फेविकोल का जोड है टूटेगा नहीं म्हणून हांसले." आई लजली शी.

"म्हळ्यार?"

"आरे हांव वडा पुनव करतालें न्हय म्हणून ते म्हाका याद करुन दिताले ये फेविकोल का जोड है म्हूण. हांवें म्हळें आतां रावा वयर हांव ये सर."

"म्हणचे सात जल्म खरे तर गे?" म्हजें पर्थून प्रेसांव वाडलें.

"आनी कितें? ते वयर खंय वेटिंग लिस्टाचेर आसात. प्रत्येकाच्यो परत्यो जोडयो लायता आनी सकल धाडटात अशे ते सांगताले, खरें फट देव जाणां! वयर वतकच कळटलें." आई जपाक बसली.

सकाळीं शेवत्यालें धाकटें एक भिशटीण घेवन आयलें.

"आगो तुजें अजून लग्न जांवचेंच आसा ती भिशटीण शीकां हांवें विचारलें.

WORLD KONKANI ... LIBRARY
MANGALORE

“हांव सूत गोंयकारांचे वतीन बांदतलें. जल्मो जल्मी आमकां भाईच सी.एम मेळूं म्हणून!”

“बांद गो तूं, म्हजी भिश्टीण खंय गेली?” हांवें ओगीच भिश्टीण सोदली.

हिणें वडाकडेन महिला मंडाळाच्यो अध्यक्षा म्हूण सूत गुंडाळच्या पयलीं एक ल्हानशें भाशण केलें.

“आज आमी आमच्या घोवांच्या नांवान वडाक सूत गुंडाळपाक आयल्यां. आमच्या पयकी जायत्या जाणांक आप आपल्या घोवांचो वीट आयला, हांव जाणां. पूण तशें कोण दाखयनात. आसूं, आमी ओगीच सूत वेस्ट करचें न्हय इट्स ए नॅशनल वेस्ट.आनी हें व्रत भोगावळ जांवचें न्हय ह्या खातीर जांकां तोच घोव जाय ताणीं वडाक सारकें सूत गुटलावपाचें आनी मनांत ‘जल्मो जल्मी हाच पती मिळावा गेऽऽ बाये’ अशें म्हणपाचें. आनी जांकां वरायटी जाय ताणीं उल्टे दिकेन सूत बांदपाचें आनी मनांत ‘दिल माँगे मोर’ अशें म्हणपाचें.”

रातचें म्हज्या सपनांत संध्या आयलें. ताणें म्हाकाच सूत बांदलें आनी म्हज्या कानांत म्हळें ‘दिल माँगे मोर’.

म्हजेर आकांत केन्ना येता....

आकांत हो शब्द हांवें जाल्या बरोबर आयकला. गोंयकारांचे तो नाळेकूच पुजला. पूण म्हाका तो कितलो लागींचो हें तुमकां सांगतां. हांव जातकच रडलोंना तेन्ना सुयिणीचेर आकांत आयलो आनी त्याच वेळा आमचे गायेक दोंगरार फुंकली म्हूण आईचेर आकांत आयलो. अशे आकांत खिणा खिणाक येवन गोंयकारांचीं कुरासांवां फ्राक जाल्यांत अशें दोतोर रायकारान (जीएमसी बॅच २००५) म्हाका एकदां म्हजो ई.सी.जी. पळेतना सांगलें.

सर्व सादारण मध्यमवर्गीय गोंयकाराची जीण सारकीच आसता म्हणटकच हांव म्हजेर आकांत येता ते प्रसंग सांगतां. ते मागीर जनरलायज करपाचे काय ना तें तुमचेर.

आतां, कोणूय आमगेर अचकीत भितर सरलो की म्हजेर आकांत येता. कारण आमगेर एक आसल्यार दुसरें नासता. हाचें कारण आमगेर कितें फाल्त आसा म्हणून न्हय (सरकाराचे दयेन मटको बरो चल्ला). कितलेंय

जाल्यार आमी गोंयकार. पयलीं तेंपार मागिलदारां म्हणून आसतालीं म्हणटकच सट्ट करुन ना तें हाडूं येतालें. ताची सुलूस आयिल्ल्या पावण्यांक लागऽ नाशिल्ली. आतां आमची पंचायत जाता आनी म्हजेर आकांत येता.

‘‘मात्सो भायर वचून येता आं!’’ (दूद सोपिल्लें आसता)

‘‘ओगीच त्रास घेंव नाका, आमकां कांय नाका. देवाक आयिल्लीं, भितर सरलीं’’ (पावण्यांक हांव खंय वता ताची कल्पना आसता कारण केन्ना ना केन्ना तांचेरुय ही पाळी आयिल्ली आसताच. आफ्टरऑल तींय गोंयकारांच.)

केन्ना केन्ना आकांताचो प्रसंग येता आनी प्रेसांव वाडटा.

‘‘हांव मिसेस पोरोबागेर रोखडीं वचून येता आं!’’ (पावण्यां भितर आमगेर पयलेच फावट आयिल्ली बायल आसता आनी तिका व्होंटयेक घालपाक आमगेर कपडो नासता.)

‘‘असोच कपलाक कुकूम लाय आं! व्होंट बी भरपाचे भानगडीन पडूं नाका आं!’’ (तिका ही पोरोबागेर कित्याक वता हाचो अदमास येता.)

मागीर ही पोरोबागेर वचून कपडो पदरा सकयल घालून जादुगरा भशेन दोनूय हात हालयत (आपणें येतनां कांयच हाडूं ना ह्या अर्थान) परत येता. प्रसंग हांगां सोपूं ना, फाटोफाट मिसेस पोरोब धांवत येता–

‘‘मॅडम (ही महिला मंडळाची अध्यक्षा म्हणून हें संबोधन) तुमकां कपडो दिला तो हलको, हो पळेया हाचें आंग बरें आसा.’’

तो मेरेन हिणें पावण्याची व्होंट भरुन कपडो (हलको) तिचे व्होंटयेंत घाल्लो आसता. मागीर आमी अळणी हांसतात आनी ओगींच दारा कडेन पळेतात. पावणी मागीर ‘आसूं आसूं म्हाका होच कलर आवडटा’ म्हणून वेळ मारुन व्हरता.

म्हाका कोणाकूय पाचारपाक वचचें म्हळ्यार आकांत येता. पोटांत

घांस मारता आनी तळवे तेंवेंतात. मागीर पांय ओडीत सुटका न जाल्ल्या कारणान हांव वतां. मागीर आमचें उलोवप सादारण अशें जाता–

"बरो नाशिल्लो?"– हांव.

"हय" (कितें जाल्लें तें सांगऽ ना).

"कितें जाल्लें?"

"अल्सर" (खंय आशिल्लो तो सांगऽ ना).

"खंय आशिल्लो?"

"होस्पीटलान" (खंयच्या तें सांगऽ ना).

"जीएमसीन?" (कितले दीस उरलो तें सांगऽ ना).

"कितले दीस उरलो?"

एक आठवडो (तो खंय गेलो तें सांगऽ ना).

"होस्पीटलानूच गेलो?"

"ना मागीर दोतोरान घरा व्हर म्हळें." (केन्ना गेलो तें सांगऽ ना).

"आज दनपरां कळ्ळें म्हाका. सकाळीं गेलो?"

"ना काल गेलो. भयण बँगलोराक आसता तिका रावतात." (मरण केन्ना तें सांगऽ ना). असल्यानी थंय म्हजें मरण जाता. ह्याच खातीर पाचारपाक वचप म्हणटकच म्हजेर आकांत येता.

आतां म्हजे कडच्यान कितलेशेच जाण अडी अडचणीक पयशे मागून व्हरतात. तातूंतले थोडेच परत करतात. कारण म्हजेच मागून व्हेल्ले पयशे परत मागचे म्हळ्यार म्हजेर आकांत येता. आतां आंकडो चड व्हड आसल्यार झक मारत मागचे पडटात.

"दत्ता केन्ना दिता रे?" (हांव तकली खाजयत).

"कितें रे तें?" (दत्ता विडयेचो धुंवर म्हजे तोंडार सोडीत).

"पयशे रे."

"कसले रे?" (विडयेची बोटान ॲश उडयत).

"फाटीं तुवें घेतिल्ले रे ते."

"हांवें घेतिल्ले? कितले रे?"

"मदेराक म्हूण घेतिल्ले ते पांच हजार"

"दिवंक ना हांवेन ते?" (परत म्हज्या तोंडार धुंवर).

"ना."

"सारकी याद आसा तुका?"

"ना जाल्यार हांव तुका कित्याक विचारतां?"

"मागीर दिंवया मरे."

"केन्ना रे? तीन म्हयने जाले."

"हांव खंय वाडो सोडून पळून वतां? नंबर लावपाक तुजेच कडेन येवपाक जाय आमकां. सुटका करतले म्हळ्यार लेगीत सुटका ना."

"पळे मरे बेगीन, फाटलें लॉज उस्तीलां." (हांव परत तकली खाजयत).

"म्हजे नाड्यार मदेर करतलो? म्हाका उस्तुच्या पयलीं विचारलेलें? मात मनीसपण आसा रे तुका बाबा?"

"कितें उलयता रे तूं दत्ता?"

"कितें उलयता रे? हो जागो रे पयशे मागपाचो? तुका म्हणून ओगी रावलां, आनी कोणाकूय जाल्यार व्होशिमार म्हणपाचों. हांवेन कितें तुका नाडून खाला?"

"ना रे पूण पयश्यांची याद धर." अशें म्हणून हांव शेण खाल्ल्या भशेन तोंड करून घरा येतां.

हिचे बरोबर भायर सरप म्हळ्यार म्हजेर आकांत येता कारण केन्ना कितें जायत सांगूं येना. एकदां पुण्याक लक्ष्मी रोडार आमी खरेदीक गेल्लीं.

"आरे, ही ती उजव्या हाताक साडी आसा ती दाखव रे." हिणें दुकानदाराक म्हळें.

“अहो बाई मी तुमच्या वडिलांच्या बरोबरीचा, अरे तुरे करु नका.” दुकानदार तापलो.

“ईश्श्य! तुमी म्हाज्या वडिलांच्या बरोबरचा? म्हाजे वडिल १९३९ सालातले. १९४२ सालात ते मुंबयला गेले होते तेव्हा क्विट इंडिया चालू होती. वडिल चुकून हात सोडून गर्दीत गेले. आता ते मी क्विट इंडिया मद्धे होते म्हणून सांगतात. तुमचं पण तसच?” तो दुकानदार जो काऊंटर क्विट करुन गेलो तो परत आयलोच ना.

खंयच्याय हॉटेलांत कांटे चमचे म्हजे सामकार दवरतकच म्हजेर आकांत येता. हाका लागून हांव हातानी जेवपा खातीर खाणावळीनीच वतां. हॉटेलांत वतकच म्हजी दुर्दशा जाता. एकदां चुकून हांव पणजे हॉटेलांत गेलों आनी चिकन शागोती रायस मागयलो. ठरयल्लें हांव हातानीच कालोवन जेवतलों म्हूण. ताणी तांचे पद्धती प्रमाणे कांटे चमचे म्हजे सामकार दवरले. आतां आशी कुशीक सगळे कांटे चमच्यानी जेवताले म्हणटकच हांवेंय हातांत कांटो चमचो घेतलो. हांवें शागोतींतल्या पिसाक कांटो तोपतना देवतेचें नांव घेतलें. शागोती नॉन व्हेज आसल्या कारणान घडये देवतेन दगो दिलोच. तो कुडको उसळून कुशीक कांट्या चमच्यान धही भात जेवप्याच्या ताटांत पडलो. ताणें ताका कांटो तोपून फोड तोंडांत उडयली आनी परतें म्हाका ‘तो नॉन व्हेज आयटम होता का हो?’ अशें विचारलें. हांवें नंदी बैला सारकी मान हालयली,

“कांट्या चमच्यांनी जेवता येत नसेल तर माणसानी हातानी जेवत जावं. आम्ही पुण्याचे ब्राह्मण. आम्हाला असलं चालत नाही.” आतां तो रामशास्त्री प्रभुणे सारको म्हाका केन्ना देहांताची शिक्षा फर्मायता हाची हांवें वाट पळेली. पूण तशें कांय जालें ना. वयल्यान ताणें वतना तोंडांत बडीशेप उडयत ‘ह्या डिशीचं नाव काय हो?’ अशें म्हाका विचारलें.

म्हाका लग्नांत सव्यार न्हवरो व्हंकलेक हात दिवंक वचपाक, म्हणचे

लग्नाचीं परबीं दिवंक वचपाक आकांत येता. हालीं सगल्या लग्नानी विडियो शूटींग आसता. ताच्या फॉगान हांव दिपकावतां. म्हाका हात दिवपाक केन्ना एन्ट्री घेंवची हें ठरयतना आकांत येता. एकदां तर आकांतान हांव न्हवऱ्या व्हंकलेच्या मदीं वचून उबो रावलों. दोग तीग जाणानी म्हाकाच न्हवरो समजून हात दिवन केळवणिचीं पाकिटां दिलीं. एकल्यान "रजनी, रावन रावन शेवटीं कोणा कडेन लग्न जालें गो?" अशें व्हंकलेच्या कानांत विचारलें तें ज्यूस्त आयकूंक आयलें.

आतां तुमी हो लेख वाचून कितें चिंततले हें चिंतून म्हजेर आकांत आयला.

सिनालां

आईच्या हातचें नुस्त्याचें जेवतकच मात्शें आड पडचें पडटा. तो सुवाद जिबेर घोळयत मागीर दोळो लागता. (आज मानशेच्यो खरचाणी आशिल्ल्यो). इतल्यान मेजार पिक पिक जावपाक लागलें.

"मातसो आड पडपाक लेगीत दिना." हांव कसलो आवाज तो पळोवपाक फडफडत उठलों.

"म्हजो मोबायल तो." – व्हडलें (उगतें मळब फेम).

"मागीर तो धड वाजना, फकत पिकपिकता सो?"

"ताका मिस कॉल म्हणटात. सुरेखाताई मिस कॉल दिता, आमचें सिनाल तें."

"ताका जनेलार रावन आड्डूंक येना? ताची आवय आड्डता तशी तुजे आवयक आफयतना?"

"मॉडर्न वेज ऑफ कम्युनिकेशन आसतना प्रिमिटिव वेज ऑफ कम्युनिकेशन कित्याक वापरपाच्यो बाबा?" (तें पास जावन बि.ए. निमणे वर्साक पावलां).

“आड्डप आतां प्रिमिटिव जालें रे?” हांवें सांजेचें सावळ्याक विचारलें.

“तशें म्हणू येता, टार्जन पयलीं तसोच आड्डतालो आनी छाती बडयतालो.” सावळ्यान विडी पेटयली.

“हांवूय छाती खूप फावटीं बडयतां.”

“तूं बडयता ती दुसऱ्या कारणांक लागून. तो साद घालतालो आनी जनावरांक बी आफयतालो. आतां उलो मारप लेगीत प्रिमिटिव जालां आसूंये कारण आतां मोबायल बी आयल्या पूण सिनालां करप अजुनूय आसा.”

“अशें?”

“हय. सैन्यान सिग्नल्स म्हणून एक वेगळी शाखा आसा हाचे वयल्यान तूं पळे.” सावळ्यान म्हज्या ज्ञानांत भर घाली.

“पूण सिनालां करपाक आनी तीं कळपाक तकली जाय.” हांवें म्हळें.

“आमच्या ब्लँक एसएमएसाक मेरेन अर्थ आसता आनी तो ब्लँक एसएमएस खंयच्या वेळार धाडला त्या प्रमाणे बदलता.” – व्हडलें.

“अशें?” म्हाका दिसतालें हाची तकली सदांच ब्लँक म्हणून पूण ब्लँक एसएमएस डीकोड करपा इतली तकली हाका देवान दिल्या तें पळोवन मात्शें जिवाक बरें दिसलें.

“हांवें केल्लीं सिनालां केन्ना कोणाक कळ्ळीं ना, खूब कमीं जाणानी जिणेंत म्हाका सिनालां केलीं तींय म्हाका कळ्ळीं ना.” हांवें म्हळें.

“ताका तकली फीन जाय रे.”– सावळो.

“पदेर येतकच ताचो हॉर्न वाजोवन हांव वर्सभर एकट्याक सिनाल करत रावलों, शेवटाक हांव थंयच उरलों तें पदेराचो हात धरुन धांवलें.”

‘‘जाणा हांव.’’ सावळ्याक भरुन आयलें.

‘‘संध्याक शेवण्यो घालतालों सकाळची, दनपारची, सांजेची, रातची. वेळे प्रमाणे राग बदलतात तशी म्हजे शेवणेची ट्यून बदलताली. हें सिनाल संध्या खातीर आशिल्लें हें संध्याक सोडून सगळ्या वाड्याक खबर आशिल्लें. संध्याची दुसरे फावट जेन्ना डिलिवरी जाली, हांव आपोलां घेवन (रु.१६०/– किल) होस्पिटलांत गेलों, तेन्ना म्हाका संध्यान विचारलें, ‘ती शेवणी तू म्हाका घालतालो रे?’

‘‘ओगीच हांव तुका ट्रेजेडी किंग म्हणिना.’’ सावळ्यान इमोशनल जावन विडी पालयली.

‘‘थंयच उबे आशिल्ले नर्सीन मुकद्दर का सिकंदर आनी युवर्स सेम टू सेम अशें दोळे पुशीत म्हळें. हांवें म्हळें इन मुकद्दर का सिकंदर इट वॉज हॅन्डरायटींग. इन आवर्स, इट वॉज शेवणी.’’

‘‘मागीर?’’ सावळ्यान परत विडी पेटयली.

‘‘मागीर आनी कितें? हांव पाळण्यांतल्या भुरग्याक शेवणी घालून घरा आयलों.’’

‘‘तुमकां म्हजीं म्हूण सिनालां खंय कळटालीं?’’ ही ताकाबाटली हालयत भायर आयली.

‘‘ही नविनूच व्हंकल म्हणून आयिल्ली तेन्ना सिनालां नांवां खाला दोळेशी पिटपिटायताली आनी वताली ‘केला इशारा जाता जाता’ टायप. आनी वताली तीय बी खंय, रांदचेकुडींत. हांव बाबडो धांवतालों फाटल्यान.’’

‘‘मागीर रे?’’ आमगेल्या व्हडल्याक मागीर कितें जातालें हातूंत उमळशीक.

‘‘मागीर, वयली बरणी काडा मात्शी, डब्याचें धाकण काडा असलें कितें तरी आयकूंक मेळटालें.’’

‘‘सो बोरिंग!’’ आमगेलें व्हडलें लेगीत केन्ना न्ही तें बोर जालें आनी गेलें.

"पयलिंच्या बायलांचे सगले मूड्स सिनाला वयल्यानूच कळटाले."
- सावळो.

"बायलांक वेगळे मूड्स आसता?" म्हजो प्रस्न.

"मागीर!"

"ना हांवें फकत पिरंगण पळेल्या म्हणून म्हणटां."

"तीं पयलीं दारा कडेन रावन, हुंबऱ्या कडेन पांयांच्या आंगठ्यान शेणाची जमीन उस्तीतालीं."

"म्हणचे कितें समजप?" म्हजो परतोय प्रस्न.

"तीं लाडांत आयल्यां."

"हांवूय उस्तीतलें आशिल्लें पूण हांगां जमनीक शिमीट." ही आतां लोणी काडपाक लागली.

"तुवें म्हाका उस्तिला तितलो पुरो, फुडें सांग रे सावळ्या." हांवें म्हळें तशें ही नाक फुलोवन भितर गेली.

"मागीर बोट दांतान चाबप आनी हात अस्सो झाडप."

"कसो? हांवें केन्ना हें पळोवंक ना मरे!"

"हांव दाखोंव? हांव दाखोंव?" ही परत धांवत भायर आयली पूण हिचो बोचो आसल्या कारणान बोट चाबप जालें ना अर्दें ताक मात सकल सांडलें.

"तुका कोणें सांगल्या ह्यो राटावळी? ताक मात ना केलें. आज सेगीत सत्राव्या दिसा म्हाका खुटी कडी दिसता." हांव बेजारलों.

"सावळ्या, म्हज्या कुळारा न्हीं आमचीं सिनालां आसतालीं." हिणें म्हजें कानामानार घेतलें ना.

"सांग मगे भाभी." सावळो हिका फुलयता तें म्हाका कळ्ळें.

"आमच्या संडासाक मरे खिळी ना आनी आमी भितर आसतकच आमी भितर रावन पदां म्हणटात म्हणचे कोण तरी भितर आसा हें कळटा.

थोडा सा ठहरोऽऽऽऽ वा थोडा है थोडे की जरुरत है...'' (खिळी अजून ना. हांव एकदां त्रासांत पडलां)

''हीं पदां हांचीं जालीं. हिचो बापूय संडासान आसतकच एकूच पद म्हणटा 'नाच रे मोरा आंब्याच्या वनात'. हें तो कित्याक म्हणटा तें लग्नाक वीस वर्सां जालीं तरी म्हाका कळूंक ना.'' म्हजो आवाज मात्सो चडलो. कित्याक खबर ना.

''हालीं बोटाचीं V सायन करपाची फॅशन आयल्या, तुंवें नोट केल्या रे बाबा?'' सावळ्यान विचारलें.

''हय पूण ती केन्ना करता तें खबर ना. हिणें आमचें लग्न लागतकच म्हज्या गळ्यांत माळ घालून V सायन केली. तो फोटू अजून आल्बमान आसा, विचार हिका.'' म्हजे आंगार यादीन कांटो सो आयलो.

''खंयचेय चलयेक चल्या गळ्यान माळ घालप ही विक्टरीच, म्हाका ती मात्शी चड जाणवली.'' –ही.

''तें सोड. आमगेल्या दत्तान संडासांतल्यान भायर येतना एका हातान तांबयो, दुसऱ्या हातान V सायन करुन काडिल्लो फोटू आपले सालांत लायला. ही कसली विक्टरी?''

''आतां हिच्या म्हणण्या प्रमाणे प्रत्येकाक मना प्रमाणे काम करप विक्टरी दिसता जांवये.'' हांवें म्हळें तशें हिणें नाक फुलयलें. इतल्यांत आई जप करुन भायर आयली.

''आरे सिनाल म्हणटकच याद जाली...''

''आई तूं जप करताली?'' सावळ्यान साधेपणान विचारलें.

''सावळ्या तूं बुदवंत म्हूण म्हाका खबर आसा. आयक तर.. हाचो बापूय पुजा करतना भायर नुस्तेकान्नीन साद घालतकच खांकतालो. म्हणचे म्हाका सिनाल, भायर वच आनी नुस्तें कितें आयलां तें पळय. जर हांवें लक्ष दिलें ना जाल्यार मागीर आचमन करतना बारीक पेडवे य नमः फडफडीत

वेल्ल्यो य नमः अशें म्हणप म्हणचे बारीक पेडवे, ताज्यो वेल्ल्यो हाडल्या जाल्यार पळे. हे मंत्र रुची प्रमाणे बदलताले. एक दीस तिसऱ्यो य नमः डांगरे य नमः बी जातालें."

"म्हणचे डांगरे करपाक तिसऱ्यो बी घे."

"सारकें, ओगीच हांव तुका बुदवंत म्हणना. आरे तेन्ना आतांच्या बायलां सारकीं आमी फर्र फर्र करी नाशिल्लीं. आमी मर्जमापीक आसतालीं. जाण्टे मांय मांवां सामकार सगलें उलोवप सिनालानींच जातालें" आई हिका पळयत.

"आई म्हाका शी पळेता? हांव फर्र फर्र करतां?" हिणें फर्र करुन पेपर पिंजलो आनी नुस्तें उजरावपाक घेतलें (शेतकां).

"तुका कित्याक, तुजे भयणीक लेगीत नवी लग्न जावन आयिल्ली तेन्ना पळेल्या."

"कितें करताली ती?"– हांव.

"तूं तोंड घेवन खंय गेल्लो तर? दनपारचीं 'मी आड पडायला जाते रे रमेश तू येतो तर ये.' समराझेक सांगिल्ले भशेन आड्डताली. एक दीस ती आड्डलिना. पोरोबान रोखडेंच जनेल उगतें करुन म्हाका विचारलें, आज नलू आड पडू ना काय कितें?"

"कितेंय सांग आई सिनालां शिवाय आमची जीण अळणी म्हणुनूच एस.एच. बिहारीन म्हळां.

'इशारों इशारों में दिल लेने वाले
बता दे हुनर तूने सिखा कहाँ से.'– सावळो.
मागीर आमी कोरसान सावळ्याक जाप दिली
'निगाहों निगाहों में जादू चलाना
मेरी जान सिखा है तुमने जहाँ से.'

सिरियल किलर

कोण खंयच्या रुपान तुमचो फाटल्या किंवा ह्या जल्मांत केल्ल्या पापांचो बदलो घेता सांगू नजऽ. म्हजे बाबतींत हें काम टि.व्ही.चेर चलपी मराठी वा हिंदी सिरियली करतात. म्हाका धड जेवपाक, खावपाक आनी न्हिदपाक लेगीत दिनात. हय, न्हिदपाक सुद्दां दिना. रातची ही मर्दींच म्हाका उठयता आनी विचारता,

"कितले वाजले हो?"

"कित्याक गो? न्हीद गो मात्शें."

"दोन जालीं जाल्यार पळयशात?"

"कित्याक गो?"

"म्हाका 'मैं सुहागन पडोसी की' आनी 'तुम न होते तो कितना अच्छा होता' सिरियलींचो रिपीट टेलीकास्ट पळोवपाक जाय. फाटले सुक्रारा आमीं कामणे मावशेगेर गेल्लीं न्हय, म्हाका ह्यो सिरियली चुकिल्ल्यो."

एक दीस मटक्या बीटीचे पयशे चड जाले. ते दवरपा खातीर हांव आंगणांत भितर सरलां मात, हिच्यो घरांत हुयेल्यो आयकूंक आयल्यो.

स्कुटर आंगणांत दवरुन भितर गेल्यार ही सालांत आडवी-उबी लोळटा. आमगेलीं तिगांय भुरगीं हिका समजायतात,

"माँ नाका गे रडूंक!"

"कितें जालां गो?" हांव.

"बा गेली." ही रडत.

हिचे कुळारचो एक मेंबर कमी जाला आसतलो हें चिंतून जाल्लो आनंद भितर लिपयत हांवें विचारलें,

"केन्ना शी गेली? हांतुणार आशिल्ली?"

आपल्यालें रडप मदींच थांबयत ही म्हणपाक लागली,

"म्हजीं घरचीं वयर वता काय म्हणून वाट पळयत रावा तुमी, आमगेली बा न्हय!!"

"मागीर?"- हांव निर्शेल्ल्या सुरान.

"मैं उसकी तो वो किसकी? ह्या सिरियलींतली बा!"

"हांव गेल्यावरी बोबो कित्याक मारता तर?" - हांव मात्सो तापून.

"तुमी गेल्यार लेगीत जितलें रडचेंना तितलें हांव आज रडलां. मेजून हांवें २५३ एपिसोड पळयल्या. आतां ती म्हाका परती केन्नाच दिसची ना. दनपारां तिनांक घर सामकें खावंक येतलें. तुमकां म्हज्यो भावना समजुच्यो ना!" अशें म्हणत हिणें आपलो दोन मिण्टांचो ब्रेक सोंपयलो आनी पर्थून रडपाक लागली.

पूण दुसरेच दिसा 'बा' परत आमचो जीव खावपाक आयली. हिचे भशेनूच खंय सगले कडेन बायलांनी रडून घर माथ्यार घेतलें म्हणून 'बा'क हार्ट अॅटेक येवंक ना फकत सादी घुंवळ आयिल्ली अशें दाखोवन तिका परती जिती केल्ली.

दनपारां जेन्ना हांच्यो सिरियली नासतात तेन्ना सिरियलांचेर हांची चर्चा आसता,

“तू *तशी मी* आयज पळयल्लें मगो?” – मिसेस पोरोब.

“हय, कित्याक?”– ही.

“काय बरें जोडपें न्ही गो? तो तिका काय बरो गजरो माळटा न्ही गो? ना जाल्यार आमगेलो! माड्डोळच्यान फोन करता, आगो येद्देश्या जायां पोडाक पन्नास रुपया सांगता, कितें करुं?” – मिसेस पोरोब.

“तू *हिचा मी तिचा* सिरियलींत उमेश राजश्रीच्या दोळ्यांत दोळे घालून वरभर काय बरो पळेता न्ही गो?”

“आव्वयस ! टायम सुद्दां खबर आसा न्ही तुका?” – मिसेस पोरोब.

“मागीर? हांवें दुदा पिशवी फोडून दूद तापत दवरिल्लें तेन्ना ताणीं दोळ्यांत दोळे घाल्ले, दूद तापून ओतलें तरी ताणीं नदर काडू नाशिल्ली. खरीं रोमेण्टीक!!”

“हें सगलें वयल्यान मागून येवपाक जाय मॅडम, आमच्या नशिबान खरेंच ना तें” – मिसेस पोरोब.

ही आनी भुरगीं विंगड विंगड चॅनलांचेर मराठी आनी हिंदी अश्यो दिसाक वट्ट तेरा सिरियली पळेतात. मागीर सगलोच घुस्पागोंदळ.

“आगो, सुमनाक भुरगें केन्ना जालें गो?” – ही.

“आगे, श्वेता (हिरोईन) वट्ट स सिरियलांनी काम करता. तातूंतल्यो तूं चार पळेता आनी घुस्पता.” – आमगेलें व्हडलें (उगतें मळब फेम).

“मात्शें सांग पळोवया म्हाका.”

“आयक, *ह्यांच्या साठी झुरली आनी कापटी झाली* हातूंत श्वेता सुमन जालां. हे सिरियलीन ताका भुरगीं ना म्हणून ताची मांय ताका थोमणो मारता. *बाळच आमच्या कर्माची साक्ष* हातूंत श्वेता मंदा जालां. तातूंत ताका पांच चलयो.सगल्यो चलयो म्हूण ताची मांय ताचो जीव खाता. *शादी... ना बाबा* हातूंत तें जीया जालां.हे सिरियलीन तें आयिल्ली सोयरीक मोडटा म्हूण ताची आवय बापूय मोरोंक तेंकल्यां. *सबका मालीक एक* हातूंत तें नन जालां म्हणटकच भुरगीं जावपाचो प्रस्नूच ना. आतां सारकें लक्षान दवर आं.”

सांजचीं चारांक सुमार, ही, *हे पण खायचं असतं* सिरियल पळेता. हातूंत खंय टी. व्ही. सेलेब्रिटी खावपाचे नवे नवे जिन्नस करतात. आमगेर तो एपिसोड पळोवन ताचो प्रयोग म्हजेर जाता. फाटीं एक दीस सुरण आनी माडी ह्यांची चवी पुरती मीठ घालून केलेली भाजी आमच्या ताटार पडली. ती खावन मागीर आमच्या आईच्या ताळ्याक 'मरे पर्यंत खाज' सुटली जी मेजून एक म्हयनो एकुणीस दीस उरली.

ही पयलीं इंग्लीश सिरियली पळेताली. त्यो पळोवन आपली इंग्लीश इबाडटा म्हणून त्यो पळोवपाच्यो सोडून दिल्यो. हो सोद ही मिसेस पोरोबा कडेन उलयताली तेन्ना लागलो.

'Did you look friends serial today with sub titles?'

'Yes Madam.'

'Did you look sub titles closely? They spell colours as colors, Labour as Labor. They are spoiling my English.'

'Madam your English is so high and with minute details.'

'It is their mother tongue and see where they reached now. Do you know I comes before E? Friend, view ect.'

'Madam your English is really high.'

'I have maintained it like my figure. Preparing poetry is also my left hand's play. I will show?'

'Go show.'

'They ruled against our wish'
But they gave us parting gift English
From Birth Certificate to Death Certificate
There is English and nothing
People may say something
Without English is there anything?'

'Wow. After hearing this poetry my hair is standing on my body.'

हांव हें सालांत आड पडून आयकतालों. खरेंच मिसेस पोरोबा भशेन म्हज्याय आंगार कांटो आयलो आनी *Available Unavailable strenghth went from my body* (आशिल्ली नाशिल्ली शक्त म्हज्या आंगांतल्यान गेली हें तुमच्या खातीर).

हांच्यो सिरियली म्हजो एकदीस जीव घेतली हाचे बद्दल म्हाका मात्तूय दुबाव उरुंक ना. कित्याक तें सांगतां. हिका न्हिदेंत उलोवपाची संवय आसा. आनी जेन्ना उलयता तेन्ना हिचे दोळे उगते आसतात आनी ही सिलिंग फॅनाक पळेता. जागी आसतनाय हिची उलोवपाची स्टायल तीच. हाका लागून म्हजो घुस्पागोंदळ जाता. ही जागी आसून म्हजे कडेन उलयता काय ही सपनेल्या तें म्हाका कळना.

''हांवें गॅसार दूद दवरलां जाल्यार पळेया.'' ही सिलिंग फॅनाक पळयत.

हांव रांदचेकुडींत धांवतां. रांदचे कुडींत सगलें धांपिल्लें आसता, हांव धांपेंत परतो येतां.

''आगो रांदचेकुडीन सगलें बंद आसा मगो.''

''हांव सपनेल्लें.'' ही सिलिंग फॅनाक पळेत आतां जागृत अवस्थेंत.

पयर अशेंच,

''मैं तुम्हारे बच्चे की माँ बनने वाली हूँ.'' सिलिंग फॅनाक पळेत.

''क्या? काय कू? कैसे?'' म्हज्या तोंडांतल्या हिंदी कशी भायर सरली म्हाकाच खबर ना. हांव घामान बुडलों आनी कडकडपाक लागलों. ''तुमको खराब सपना पडा है क्या?'' परतीय हिंदी.

''ये सपना नहीं राजन हकिकत है. जीवन की बगिया महकेगी लहकेगी चहकेगी.'' ही परत सिलिंग फॅनाक पळेत.

''मेरी माँ अंदर आओ गेऽऽऽ.'' हांवें सालान धांव मारली. आईचें प्रेसांव वाडलें वेगळ्या कारणाक लागून.

''इस उमर में मैं कैसे बांयटेर निकालुंगी?'' – आई.

मागीर आमी दोगांयनी हिच्या तोंडार उदक मारलें. ही धडपडत उठली. हांवें कितें जालां तें सांगतकच ही लजून तांबडी जाली.

''हांव सपनेल्लें. *तेरी निशानी मेरे गोद में* हे सिरियलींतलो डायलॉग तो.''

''ऐसा कुछ नावरुप करनेसे पहले मुझे बता दे.'' आईक थाऱ्यार येवपाक टायम लागलो. मागीर तिका दोतोर रायकारागेर व्हरची पडली.

आमच्या घरांत आमचींच मनशां वावुरतात काय सिरियलिंतलीं पात्रां हें कळपाक कठीण जालां. काल हांव जेवपाक बशिल्लों, फाटल्या शिताक कडी जाय आशिल्ली.

''आगो कडी वाड गो.'' हांवें व्हडल्याक म्हळें.

''मुझे मेरे हाल पे छोड दो'' अशें म्हणून तें भायर गेलें. हांवें उठून कडी घेतली. हांवें हिचेकडेन कंप्लेन केली,

''आंवंय तुमकां कळ्ळें ना?''

''कितें तें?''

''*मुझे रब ने बनाया मिस्टेक किया* हातूंत रिमा पावला पावलाक फ्रस्ट्रेट जावन हेंच म्हणटा.''

''रब ने तुम सबको बनाया मिस्टेक किया.'' अशें म्हणून हांव फॅना सकल बसलों.

हांवें आतां घरच्यांक समजावपाचें सोडून दिलां कारण ह्यो सिरियली काय बंद जावपाच्यो ना आनी आमचीं घरचीं संवगां सुदारपाचीं नात. आतां हांवूय *हीच का आमच्या लग्नाची फळं* (चॅनल आम्हीच मराठी ७.३० p.m.) ही सिरियल पळोवपाक लागलां.

चलता है...

“**त्या** दिवशी वडा जवळ गडद काळोखात...” आमगेलो तिसरो चोपडेंत पळोवन कितें तरी वाचतालो. हांव सालांत आड पडिल्लेकडेन हें आयकतालों. म्हाका दिसलें हांव आयकुपाक बी चुकलां जायत, वया प्रमाणे कान दोळे आतां साथ दिनात. आसूं.

“त्या दिवशी वडा जवळ गडद काळोखात...” पर्थून तेंच.

“आरे, बाकीबाबान असलीच कविता बरयल्या न्ही रे?” म्हाका म्हजोच दुबाव येवपाक लागलो.

“तीच ती. त्या दिवशी वडा जवळ...” - आमगेलो तकली वयर काडी नासतना.

“मागीर तिची ही स्थिती कशी जाली?”

“आमचे कोंकणी टिचरीक कोंकणी येना.”

“परत सांग!” म्हाका म्हज्या कानाचोच न्हय सगळ्याचोच दुबाव येवपाक लागलो.

“आमचे.. कोंकणी.. टिचरीक.. कोंकणी.. येना.”

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY विश्व कोंकणी पुस्तकालय MANGALORE

“आरे आड्डता कित्याक? सगळ्या जगाक कळटलें तुमच्या कोंकणी टिचरीक कोंकणी येना तें.”

“ताचो कांय फायदो जांवचो ना.” सावळो भितर सरलो.

“तातूंत अजाप कसलें?”–आमगेलो.

“ताचें बरोबर.” – सावळो.

“Et tu Brutus!” – हांव तापलों.

“आरे तातूंत अजाप कसलें करता? कोंकणी टिचरीक कोंकणी येना.– *As simple as that*, चलता है.” – सावळो.

“त्या दिसा वडा कडेन गडद तिनसना गुणगुणत आमी वयार आयले. त्या वयार हेच कवितेक लागून कितलीं सपनां पळेलीं, तीं खरीं जालीं ना तें सोड. ते कवितेचें त्या दिवशी वडा जवळ गडद काळोखात जांवचें?”

“फुडें वाचून दाखोंव?”– आमगेलो.

“नाका काळोख पडला तितलोच पुरो.”

“बाबा आमची टिचर पुणेची तिका कोंकणी कशी येतली?”

“मागीर तिका कोंकणी शिकय म्हूण कोणें सांगलां?”

“तें हांव नकळो.”

“आरे ताचेर राग कित्याक काडटा?”– सावळो.

“आरे आमच्या बाकीबाबान....”

“बाळकृष्ण भगवंत बोरकर”– आमगेलो.

“आतां हें आनीक कितें?”

“बाळकृष्ण भगवंत बोरकर हे एक कवि होते.”

“एक कवि होते?”

“हो. आमकां टिचरीन सांगलां.”

"आयक!"– सावळो.

"आनी कितें सांगलां?"

"बाळकृष्ण भगवंत बोरकर, राहणार बोरी गोवा. हे एक कवी होते. ते शुद्ध मासाहारी होते. त्यानी गोव्यात राहून निसर्गावर कविता लिहिल्या."

"आरे तूं हें म्हाका मराठीन शें सांगता? तूंय पुणेचो?"

"आमी न्ही टिचरीक कोंकणी धडे, कविता मराठींत अणकार करुन दितात. मागीर ती आमकां शिकयता. कोऽऽऽमीक न्हय!"

"आव्वयस! हें अशें चल्लां? पुणे तेथे काय उणे?"– ही ताकाबाटली हालयत आयली.

"पुण्यात कांय उणें ना. उणे ते आमी, तकलेन." हांव तापलों.

"आमच्या नलून मुंबय शिशू मंदीरान शिकोवपा खातीर मुलाखत दिल्ली. घेतलें ना ताका."

"कित्याक गे भाभी? तें हरशीं अय्या ईश्श म्हणटालें मगे मराठींत."– सावळो.

"तसली मराठी तांकां कोंताक येता?"

"पाणिनीच्या संधी प्रकरणाचा मराठी व्याकरणावर परिणाम आहे काय? अशें ताका मुलाखतींत विचारलें. आमचे नलून, मराठीत संधी नाही, संधी साधू तेवढे आहे अशें सांगलें. ताणी भलतेंच चितलें आनी ताका भायर मारलें."

"आयकलें मरे सावळ्या?"

सावळ्यान व्हडलो सुस्कारो सोडलो.

"बाकीबाबान मराठींत कविता केल्ल्यो म्हणून सुटलो."

"कित्याक रे सावळ्या?"

"म्हणून टिचरीन ते एक कवि होते अशें भुरग्यांक सांगलें. बाकीच्यांचें

कितें जातलें कोण जाणा!''

''आनी कितें सोद लायला रे तुजे टिचरीन?''– हांवें कादेर्न हातांत घेतलो. ''जिबेक स्वाद नासप म्हणचे जिभेची रुच जाणेऽऽऽ?'' हांवें किळांच मारली. ''पातिशेर जावप – खलास होणे, धनी म्हणचे पात्राम.'' हांव खलास जालों आनी कादेर्न बंद केलो.

''बाबा इतलो बेजार जावं नाका. टिचर तामिळनाड वा केरळांतली बी आशिल्ली जाल्यार आमचे आनीक हाल जावपाचे.'' आमगेल्यान म्हाका समजायलो.

''कशे रे शाण्या?''– ही.

''आगे आतां आमी टिचरीक कोंकणी धडे, कविता मराठींत अणकार करुन दितात. ती तामिळ, केरळायट बी आशिल्ली जाल्यार आमचे हाल जावपाचे न्हय? मात्शें चीत मगे.''

''शांतादुर्गे पाव गे आमकां.''

''आनी कितें शिकयलां रे तुमकां पुणेच्या कन्येन?''

''आतां न्ही आमी पालखी काडपाचे आसा.''

''कोणाची?''

''कोणाची तें आमकां सांगूं ना. म्हाका टिचरीन तुकाराम जा सांगला.''

''आषाडी एकादसीक दिसता.'' – ही कवतुकान

म्हाका आतां कोणाचो गळो दाबचो हो प्रस्न पडलो. तरी हांवें स्वताक सावरलो.

''बरी मरे तुमची कोंकणी टिचर.'' – सावळो.

''मग! आमी वर्गात पुष्कळ गम्मत जम्मत करतो.''

''आरे पापया तूं पुण्याक जल्माक येवंक ना. तूं सात आठ अठ्ठ्याणव हे तारखेक बांबोळे जल्माक आयिल्लो. जल्म दाखलो नंबर णवशें अठ्ठ्याणव

तारीख आठ णव अठ्ठ्याणव!'' हांवें एका स्वासान म्हणलें.

''आरे बाबा तूं इतलो वयर सकल कित्याक जाता? तुजें प्रेसांव ओगीच वाडोंव नाका. आतां सावंताली नात कितें शिकून आयल्या ती आयक,

Dark yellow Frog
Standing on edge of farm
I asked him where are you from?
Frog jumped and said ...'

''डरांव डरांव.''– हांवें म्हळें.

''ना चुकलो *Croak Croak*.''सावळ्यान म्हळें.

''आतां ही शिकोवपी टिचर इंग्लंडची अशें म्हाका सांगूं नाका.''

''ती खंयच्यान आयल्या ती जाणकोण. पूण सावंताली नात हें म्हणटा तें खरें.''

''बाबा आनी एक व्हड प्रोब्लेम. टिचर म्हाका तापयतली. तुला मात सुद्धा डोकं नाही म्हणटली.''

''तुकाच कित्याक आमकां कोणांक ना, सांग कितें जालें?''

''हो धडो म्हाका अणकार करपाक सांगला मागीर ती शिकयतली.''

''मागीर?''

''सुर्वेकूच पळय कितें आसा तें...म्हजी धाकली भयण पयलेच खेप हांव शीण काडटां म्हूण आमगेर आयली आनी ज्यूस्त रात्नीर दवरिल्लें दूद फुटलें. म्हाका कच्च जालें आनी शेळो घाम सुटलो म्हळ्यार जाता... हें मराठींत कशें करुं?''

''मराठींत अणकार करिना जाल्यार तुमकां शिकयना मरे ती? मागीर घात जालो मरे!''– ही.

''मागीर तूं कर तर अणकार.'' हांव तापलों.

‘‘पळय आं... माझी धाकटी बहीण, मी शीण काडते म्हणून आमच्याकडे आली होती तेव्हाच चूलीवर ठेवलेले दुद दुभंगले. मला कल्ल झाले...’’

‘‘आसूं तें!’’ म्हजी तकली सुन्न जाली. अशें जातकच गोंयकार जें करता तेंच हांवें केलें, आड पडलों. सावळोय गेलो. ही त्या दिवशी वडा जवळ गडद काळोखात गुणगुणपाक लागली.

शणै गोंयबाबाल्या ‘मोगाचें लग्न’ ह्या नाटकांतलो ‘बोंबबाब’ हांगां चड जाल्यात हेंच खरें!

ज्याच्या हातांत स्टेअरींग

पांडव कित्याक जिकले, हाचें कारण पार्थसारथी. सारथी बरो आसत जाल्यार कितेंय शक्य आसा. म्हाका हें तत्वज्ञान सुचपाचें कारण म्हळ्यार ही गाडी शिकता. कशी शिकता तें ही, ड्रायविंग स्कूल आनी वयलो हांकांच खबर आसा. कारण लर्निंग लायसेंस काडपाक गेल्ली तेन्नाच म्हाका चिन्ना बरीं दिसऽ नाशिल्लीं. लर्निंग लायसेंस घेवन येतना ही काजू बर्फी घेवन आयली.

"अहो घेया."

"म्हजी शुगर तुमी अडेश्यांचेर पावयल्या." – हांव.

"अहो एक कुडको खाल्यार कांय जायना. बायल लर्निंग लायसेंस काडून आयल्या, मात कवतूक ना."

"मेळ्ळें?"

"मागीर बर्फी कित्याक हाडल्या तर? फाल्यां महिला मंडळा वतीन सत्कार आसा."

"असो कितें पराक्रम केला तर तो?" – आई.

“आई तुका खबर ना लर्निंग लायसेंस म्हळ्यार अर्दें ड्रायविंग लायसेंस, आरटीओ प्रस्न विचारता तातुंतूच मनीस घुस्पता.”

“तू आनी घुस्पता? तेच घुस्पल्या आसतले तुका प्रस्न विचारुन.” – आई.

“अशें कितें विचारलें गो तुका?” – हांव.

“एक खाट विचारली आनी एक मानाय विचारलो.”

“हें आनी कितें?” – हांव.

“अहो आईन हो प्रस्न विचारल्यार सोबता. तुमी ड्रायविंग लायसेंस काडलां मूं? तुमकां खबर आसपाक जाय हें सगलें.”

“तें बरें आसा पूण एक खाट आनी एक मानाय समजूं ना.”

“पयलीं बर्फी खाया मागीर तुमकां समजायतां. तुमकां लायसेंस कशें मेळ्ळें तें कळ्ळें म्हाका.”

हांवें एक कुडको खालो.

“आतां सांग.”

“अहो इन्स्पेकटरान एका चित्राचेर बोट दवरुन विचारलें हें कितें, हांवें म्हणलें खाट. मागीर एक मनीस खणटालो त्या चित्रार बोट दवरून विचारलें हें कितें, हांवें म्हणलें मानाय.”

“मागीर?”

“तो म्हणू लागलो गूड! बरी ड्रायविंग करतली. जालें. हांव पास जालें.”

“अशें? बरें आसा.”

“हीं चिन्ना बऱ्याचीं रे?” आईक ओगीच धडधडपाक लागलें.

“आगे सगलीं बायलां अशींच शिकतात.” – हांव.

“आई *Now no looking back. Looking back only while taking reverse.*” अशें म्हणून ही गेली.

बायलांक हो कॉन्फिडन्स खंयच्यान येता तेंच म्हाका कळना. हांवें सायकल शिकपाक लेगीत बापाय कडल्यान परवानगी घेतिल्ली.

"हांव सायकल शिकपाक सोदतां."

"तूं चलपाक शिकलो हेंच आमच्या माथ्यार व्हडले उपकार. आतां सायकल शिकता? हात पांय धड दवरतकच जाले. शीक, मी तुझ्या पाठीशी आहे." बापायन म्हाका आशिर्वाद दिल्लो तो म्हाका अजुनूय याद आसा.

मागीर आमच्या टेर्रासार हिचो महिला मंडळा वतीन सत्कार जालो.

"आज सोनियाचा दिवस, आमची मॅडम आतां स्टियरिंग हातान धरतली...."- मिसेस पोरोब.

हिणें सत्काराक जाप दितना म्हणलें, "आज मेरेन जिणेंत तीन पावट पाळण्याची दोरी धरपी बायल पयलेच खेप स्टियरींग धरतली ही अभिमानाची गजाल. (ताळयो). हांवें मुद्दम बायल मनीसूच आशिल्लें ड्रायविंग स्कूल सोदून काडलां. (ताळयो). आतां जिणेचीं गियरां कशीं पडटा तें तुमी पळेया. (ताळयो). आनीक एक गजाल, दादले फर्स्ट गियर घालून मागीर बाकिचीं गियरां घालतात. हांव डायरेक्ट सिक्स्थ गियर घालून गाडी चलोवपी, बाकिचीं गियरां दादल्यां खातीर. (घेऽ ताळयो). ज्याच्या हातान स्टेअरींग तीच खरी डॅरिंग!" (घेऽऽऽ ताळयो)

"आरे गाडयेक गियरां कितलीं आसतात रे?" आईन भाशण आयकून विचारलें.

"हांवूय विसरलां आतां सावळ्याक विचारचें पडटलें. आमची ८०० न्हय? तिका चारुच गियरां आसात."

"आमची धांव चार गियरां पर्यंतूच तें हांवूय जाणां, उरिल्लीं गियरां ही कुळारच्यान घेवन येतली दिसता." - आई.

"जायत."

हांवें मनांतल्या मनांत आमचे गाडयेचीं गियरां परत एकदां मेजलीं.

“गाडी शिकपाक खंयचो ड्रेस बरो? साडी काय सल्वार कमीज? साडी न्हेसल्यार घुस्पूंक जातलें न्हय?” ही सकाळफुडें.

“आगे हाफ पॅण्ट चड सुटसुटीत, कांयच घुस्पुचें ना.” – आई.

“आई तुका कांय खबर ना, पांयां कडेन साडी घुस्पल्यार?”

“म्हजी णव वारी न्हेंस आनी काष्टो बरो घट्ट मार.” – आई.

“आई म्हाका आनीक आबूज करुं नाका आं हांव पयलींच नर्व्हस जालां.”

“ज्याच्या हातीं स्टेअरिंग तीच खरी डॅरिंग तुवेंच भाशणांत म्हणिल्लें न्हय”– आई.

“तें मागीर स्टेअरिंग हातान येतकच.”

“अशें?” – आई.

“हांव जोतें खंयचें घालूं? उंच खोटीचें घाल्यार प्रोब्लेम?”

“तूं हातानी गाडी चलयतली काय पांयांनी तो आतां म्हाका प्रस्न पडला.”

“आगेऽऽ *ABC* पांयां कडेन आसता न्हय?” – ही.

“ही बाराखडीशी मदींच?” – आई.

“आगेऽ– *A for Accelerator, B for Brake, C for Clutch.* काल रातीं जागरण मारुन *Guide to safe driving* पुस्तक वाचलां... अहो, आज बँकेन वचून म्हजीं मोतयां काकणां हाडात आं.”

“आगो आतां ड्रायविंगाचो आनी काकणांचो कितें संबंध?”

“अहो ड्रायविंग करतना जनेला भायर हात घालून सिनालां करचीं पडटात. हात सामके खाली दिसतात. भरिल्ले हातान मात्शें इम्प्रेशन पडटा.”

शेवटाक ही भायर सरली. घरा येतकच मागीर ड्रायविंगेचेर चर्चा सत्र...

“आगो हांगाच्यान वतनाच नागवेकाराचो कोनसो उडोवपाचें.”

“आगे म्हजे बायेऽऽऽ!” – व्हडलें (उगतें मळब फेम)

“पूण उडयलो ना कट मारलो, दोन फुटां वयल्यान.”

“तरी बरें !”

“रिमा म्हाका ओगीच आबूज करता.”

“हें रिमा कोण?”

“ड्रायविंग शिकयता तें गो. ताका हांवें सांगलें हांव B आनी C चें कॉम्बिनेशन करुन A– दांबतां तर तें कशेंच आयकना. पूण येतना म्हजो बरोच इम्प्रूवमेण्ट आशिल्लो आं, नागवेकाराचो कोनसो एका फुटान वाटावलो.”

“दोन फुटा वेल्यान एका फुटार पावली? *Good! Keep it up!*” – व्हडलें.

रातच्या एकाक सुमार म्हाका उठयलो...

“ओव्हो उधारे न्हिदा.”

“आगो ह्या वेळार उधारो सो?”

“ओव्हो हात दाणो कसो धरा आनी मूठ आवळा आनी तोंडान व्होंऽऽऽ असो आवाज काडा. मात्शीं गियरां प्रेक्टिस करतां. सेकण्ड गियर त्रास करता. सेकण्ड गियर कित्याक दिलां कोण जाणां.”

“व्होंऽऽऽऽऽ....” हो हांव गियर कम बॅकग्राऊंड.

“आरे कसले आवाज काडटा रे! कितें करतात तें ओगी रावन करपाक जायना?” आई सालांतल्यान तापली.

“हांव कांय करना ही गियरां घालता गे.”

“गाडयेक गियरां घालचीं पडटा तें खबर आसा, आतां तुकाय घालचीं पडलीं? न्हिदपाक म्हणून दिनात.”

एकदांची हिची प्रॅक्टिस सोंपली. सेकण्ड गियर काय पडलें ना.

फांत्यार हिणें किळांच मारली.

"पडलें पडलें..."

"आगो तूं खाटीरुच आसा."

"अहो सपनांत म्हजे कडल्यान सेकण्ड गियर पडलें."

"सुटलीं आमीं एकदांचीं." सालांतल्यान आई.

ही दुसरे दिसा सामकी एक्सायट जावन आयली,

"कितें गो? शिकलें?" हांवें विचारलें.

"ना. आतां हांवें एक उपाय सोदून काडला."

"कसलो?"

"गाडी फर्स्टांन घालप आनी डायरेक्ट थर्ड घालप. सेकण्ड गियराची कटकट ना."

"आगे तूं शिकता ती गाडी आनी शिकोवपी अजून सारकीं आसा?" आई.

"आई तुजीं फंकांडां नाका आं! तुका अशीऽऽऽ राऊंड मारुन हाडटां."

"राऊंड मारुन परती हाडटा मगे? तशें जाल्यार या."

आमी आमच्या ८००त बसलीं...

"हें फूल घाल रे देवतेच्या फोट्याक." आईन म्हाका गाडयेंतल्या देवतेच्या फोट्याक फूल घालपाक दिलें. हिणें स्टार्ट मारली.

"आगे ही गाडी थरथरताशी?"

"विमान टेक ऑफ करतना अशेंच जाता."

"ही ८०० म्हणून तुका विचारलें. आतां तूं –*ABC* चें कितें करपाचें तें सारकें कर." – आई.

"तूं भियेंवं नाका."

“शेऽऽऽ हांव भियेंना. तू ज्या दिसा घरान आयल्या त्याच दिसा बरें वायट तुज्याच हातान जातलें हें म्हाका कळिल्लें.”

आमी एक राऊंड मारुन आयलीं. मेजून चाळीस वेळां गाडी बंद पडली आनी आठतीस वेळां आमच्यो तकल्यो आदळ्ळ्यो. आसूं.

सद्याक आमची ८०० ही चलयता. आकारावेल्यान ८०० म्हूण कळटा. तिचो आवाज मोटारसायकलीचो, चलता रिक्षे भशेन आनी गती रणगाड्याची जाल्या. ती चलोवपाक आतां खूब डॅरिंग जाय.

शेवटाक ज्याच्या हातांत स्टेअरिंग ...

जायरात

“इसकी कमीज मेरे कमीज से सफेद कैसी?” हें आयकलें आनी म्हजी तकली फिरली. हांवें हे विशीं सावळ्याक विचारलें.

“आरे ती तरी जायरात. आमचे सदचे जिणेंत आमी कितें करतात तुवें विचार केला? आपूण कितलो बरो तें सांगपाक दुसरो कितलो वायट हें पयलीं सांगतात.”

आतां सावळ्यान कितेंय सांगतकच हांव ताचेर विचार करतां. फाटीं ताणें म्हाका म्हणिल्लें,

“तूं केन्नाय बस स्टोपार उबो रावता तेन्ना, तूं जंय वता थंय सोडून बाकिच्यो बशी दोन दोन मिण्टांनी येतात, हाचेर तुवें विचार केला?” मागीर हांवें ताचेर दोन दीस विचार केलो. पूण तातूंतल्यान कांय निश्पन्न जालें ना. आसूं.

घरा यो जाल्यार आमगेलो तिसरो दिवो आपल्याले मार्क आवयक सांगतालो,

“म्हाका भूगोलान पन्नासांतले तीन पडल्या.”

"इतले कमी कशे रे?"

"कामतील्या सचिनाक दोन पडल्या."

"मागीर त्या मानान तुका बरे पडल्या मरे!" हिणें मिक्सर लायत म्हळें.

"आरे तुजो पेपर हांगां हाड." हांवें म्हळें.

ताणें आपलो भूगोलाचो पेपर म्हज्या हातांत दिलो. तातूंत पळोवपा सारकें कांय नाशिल्लें, सोडून टिचरीन दिल्ले शून्य, जे तिणें पृथ्वी भशेन वाटकुळें काडिल्लें. मॅप रिडिंगाक आमगेल्यान काडिल्लो मॅप कसो धरचो तोच कळना जालें.

"आरे ही श्रीलंका? ही अंदमाना कडेन काडल्या मरे तुवें."

"बाबा, कामतील्या सचिनाचो पेपर पळेल्यार तूं कितें म्हणटलो?"

"कितें?"

"ताणें श्रीलंका गोंयाक तेंकून दाखयल्या. तुवें फेरीबोटींतल्यान सुद्दां वचूं येता, इतली लार्गी!"

"कितें सांगता रे तूं! इतलो बोंडेंर तो?"

"तातूंत ताची कांयच चूक ना. ताका ताच्या बापायन सांगिल्लें खंय आपल्या भुरगेपणान आकाशवाणी पणजे वयल्या खळार मळारा परस रेडियो सिलोना वयली बिनाका गीतमाला सामकी क्लीयर आयकूंक येताली म्हूण. त्या खातीर ताका दिसलें श्रीलंका हांगां लागींच खंय तरी असतली म्हण."

"ताचे परस तूं परवडलो मरे!"

"मागीर!"

आमगेल्या धाकट्यान आपूण कितलो हुशार तो, कामतीलो सचिन कितलो बोंडेर हें दाखोवन पटोवन दिलें. मागीर मार्क खंयूय पावूं!

पयर हांव पंचमीक कवळ्यां गेल्लों. फेमस खांब्याक तेंकून बसलों आनी म्हजे कान उगडले. आमगेलीं म्हाजनां उलयतालीं.

“आमगेलें सीमा त्या चलयां पयकी न्ही आं!”

“त्या चलयां पयकी म्हळ्यार कोण गो?”

“हांव तशें दुसऱ्यांल्या चलयांचीं नांवां घेना! कश्योय जावं कोणाल्यो तरी चलयो त्यो, खपपाक जाय त्यो. तूं सदां पळेता तांकां!”

“आं कळ्ळें. आमच्या शेजाऱ्याल्यो गो? तांचें तुवें कित्याक सांगपांक जाय? सगल्या मडगांवांक खबर आसा.”

“तेंच म्हणटां! आमचें सीमा त्या पयकी न्ही. कपडे सोबऽ सारके करपाक जाय मगो? कितें गो तें! हांवें सीमाक सांगलां तूं मोटवें घाल पूण आमकां तुजे बरोबर येवपाक लज दिसपाक जायना. तीं घालता ते कपडे गो?”

“तीं गार्डना कडेन येतात म्हळ्यार ट्राफिक जाम जाता.”

“हें कितें गो बाये?”

“तांकां पळोवपाक सगळे गाडयो स्लो करतात, मागीर जाम!”

“पळेलें! आमचें सीमा रस्त्यार चलता तेन्ना ट्राफिक स्मूथ आसता गो बाये. तुज्या पळोवपान चलो आसा जाल्यार सांग आं, आडवोच आसल्यार चड बरो.”

हांव हो संवाद आयकून धन्य जालों. आतां खंयूय मडगांवां ट्राफिक स्मूथ आसा थंय हांव सीमाक सोदतां.

दुसऱ्याचें तासऽ नासतना चल्याचे खरें गूण सांगता तें हांवें एकूच कडेन आयकलां तें ‘शोलें’त. अमिताभ धर्मेंद्राचे गूण लीला चिटणिसाक सांगता तेन्ना तो दुसऱ्या चल्यां परस धर्मेंद्र कितलो बरो तें सांगिना. तो दुसऱ्यांचें कोणाचें तासय बी ना. *खूबसूरत* ह्या सिनेमांत रेखा आपले भयणीक, पदांतल्यान, जावपी भावोजीचे गूण सांगता. हे दोन म्हाका खबर आशिल्ले अपवाद. बाकीकडें म्हाका दुसऱ्यां परस आपलो चलो किंवा चली कशी बरी हेंच पुराण आयकूंक येता.

“लोकां भशेन आमगेले दादले बार्रान बसून पियेना गो!”

“दादले म्हळ्यार कोण गो तुमगेल्या घरांत? तुगेलो मिस्टर आनी पूत!”

“हय. हो आनी राजेश. दोगूय जाण ड्रिंक्स घरा हाडून पियेतात. पियेवन भायर शो करप म्हाका पयलीं आवडना. लोकांक चलता तें. हांवें सांगलां घरांत जाय तितले पियेया. हांव चिप्स करतां. भायर पियेल्ले म्हाका चलचें ना.”

“राजेश बापाय सामकार पिता तर गो?”

“पियेवपाक कितें जालां? बापायचें जोतें जाता ताका. म्हणटकर नाव ही इज एलिजिबल एज पर द लॉ.”

थोडक्यांत आपलो तो पांडू दुसऱ्यांलो पांड्या.

आतां आमगेलें व्हडलें साहित्यिक. साहित्यिक म्हणचे ताका कविता सुचता. ताका दिसता आपल्याक कविता स्फुरता, दुसरीं कविता करता.

“बाबा ह्यो कविता वाचपाच्यो रे?”

“मागीर? पेपरान आयल्यो म्हणटकच वाचच्यो पडल्यो ना?”

“तुका कवितेंतलें कांय कळना म्हणून तूं वाचता!”

“तुज्योय वाचता मगो?”

“म्हाका तूं तांचे बरोबर कम्पेर करता?”

“कम्पेर करपाक तुमच्यो कविता म्हाका कळपाक जाय मगो?”

“म्हाका सकाळींच सुचिल्ली कविता तुका वाचून दाखयतां.”

“आतांच वाचून दाखोवंक जाय?”

“म्हणचे? तुवें म्हाका प्रोत्साहन दिवपाक जाय. बाकिच्यांचे बापूय पळय, भुरग्यांक टेलंट नासतना तांकां घेवन नाचतात. नाजाल्यार तूं!”

“बरें वाच.”

“कवितेचें नांव आसा *नाका*

केन्नाय कोणूय विचारतलो भलतें सलतें
उलोंव नाका सांगूं नाका.''

''कळ्ळें. पु. शी. रेगेच्या कवितेची वाट लायता?''

''बाबा पु. शी. रेग्यांच्या कवितेचो म्हजे कवितेचेर प्रभाव आसा. ही इज ॲन इन्स्पीरेशन टू मी! भा. रा. तांबे, बा. सी. मर्ढेकर, बा. भ. बोरकर हांचो ऑलरेडी कोणा ना कोणाचेर प्रभाव पडला. पु. शी. रेगेचो अजून कोणाचेर प्रभाव पडूंक ना अशें म्हाका दिसलें म्हणून हांवें ताका सिलेक्ट केलो. आनी राव रे, तुका कवितेंतलें कांय कळना. मागीर पु. शी. रेगेच्यो कविता कित्याक वाचल्यो?''

''जांच्यो कविता कळूंक जाय त्यो कळटा म्हाका.'' हांवें म्हळें तशी आमची कवयित्री चूप जाली.

जेवणाक बसलों की म्हजें आनी हिचें वाजता. ही आपल्याक शिजोवंक लेगीत येना हें मान्य करऽना मागीर ती खंयूय घसरता.

''आगो हो पालो कसलो?''

''तुमच्या तोंडांक रुच ना तर? तुमकां बरो तो.''

''आगो गोरवां रंवथ करतात. हांव कितें करुं?''

''तुमची न्ही जीब मातल्या. तुमकां मचमचीत जाय आशिल्लें जाल्यार आडव्यांली चली करपाची, त्यो सुगरण! आमी अशींच.''

''आगो, आतां एक चूक जाली, तूं तांचेर कित्याक पावलें?''

''ना, सांगतां. फॉर यूवर इन्फोर्मेशन!''

''आमकां आमच्यो चलयो कश्यो त्यो तुमी सांगपाची गरज ना!'' मागीर आई तोंड घालता.

''आगो तें सोड! हो पालो कसलो?''

''ती मेथये भाजी. तुमकां डायबेटिक्सांक बरी म्हणून हांवें केल्ली ती. आमगेर उब्यांगेर फकत शिजयतात. हांवें तरी मिठ घालां.'' अशें

म्हणून ही तोंड घेवन वता आनी फुडले पंदरा दीस हांव मागीर रंवंथ करतां.

"नलू म्हजीच भयण." ही न्हिदतना म्हणटा.

"जाणा म्हजी मेवणी."

"तें खंय कांयच करना, आई सांगताली."

"मागीर?"

"तें तुमकां मेळूं जाय आशिल्लें."

"ह्या वयान तें आनीक कित्याक?"

"आनीक न्हय! म्हजे जाग्यार म्हणटां. तुमकां सारकें लायनीर हाडटलें आशिल्लें!"

"आतां हांव लायनीर ना तर?" हांव खाटीर जाता तितलों सरळ जालों.

"असले विनोद करुन तुमी सगळें पचयतात." अशें म्हणून हिणें लायट काडली.

आमचें मनशांचें सोडात, देवां मदीं सुद्दां खंय, आपूण दुसऱ्या परस कसो बरो हें पटोवपाक ते दुसऱ्यांचें धुतात अशें सावळो सांगतालो. देखीक, पार्वती लक्ष्मीचें, लक्ष्मी पार्वतीचें. खरें फट वयर वतऽकच कळटलें.

जेथे जातो तेथे

'जेथे जातो तेथे तू माझा सांगाती' हो संत तुकाराम महाराजानी सुमार सोळाव्या शेकड्यांत बरयिल्लो अभंग. सोळाव्या शेकड्यांत मोबायल नाशिल्ल्या कारणान ताणी विठ्ठलाक उद्देशून बरयला हातूंत दुबाव ना. होच अभंग एकविसाव्या शेकड्यांत बरयिल्लो जाल्यार तो मोबायलाक उद्देशून बरयला हें आमी छाती बडोवन सांगतले आशिल्ले.

आज हे भूंयेर जंय वता थंय हो मोबायलूच आमचो सांगाती आसता हातूंत दुबाव ना. म्हजे बाबतींत जर उलोवपाचें जालें तर हांव वता थंय हो मोबायलूच म्हजो वांगड करता. तो म्हजे बरोबर आसा हाची हांव दोन दोन मिण्टानी बोल्सां सासपून खात्री करून घेतां. बोल्सां सासपून सासपून म्हजीं सगलीं कलसांवां बोल्सार झिरझिरतात आनी पिंजतात अशें म्हाका दिसून आयलां. एकवेळ हांव म्हजे बायलेक विसरन पूण हांव ह्या मोबायलाक विसरना. ही म्हणपाची गोष्ट न्हय अशें घडटा सुद्दां. हिका दोतोरागेर व्हरपाची आशिल्ली (थंडी जाल्ली). दोतोरागेर पावतकच पळयल्यार फाटल्यान स्कुटरीचेर ही ना. बोल्स सासपून पळयल्यार बोल्सांत मोबायलूय

ना. कल्ल जालें (बोल्सांत मोबायल ना म्हणून). सोमतो घरा गेलों. बायलेन हांसत विचारलें 'म्हाका हांगाच विसरले म्हणून धांवत परत आयले?' हांवें म्हणलें 'ना. म्हजो मोबायल ड्रॉवरानूच उरलो म्हणून धांवत आयलों.' हांव हिचें रियेक्शन पळोवपाक रावलों ना, सोमतो भितर गेलों, ड्रॉवरांतलो मोबायल काडलो आनी बोल्सांत घालो तेन्नाच म्हाका सूऽ जालें. इतलो हांव मोबायलाक पातयेना.

मोबायल बोल्सांत नासल्यार म्हाका कॉन्फिडन्स येना. एकवेळ बोल्सांत फुटी कवडी नासल्यार जाता (त्रिशूलांतल्या अमिताभा भशेन) पूण मोबायल हो जायच. मोबायल बोल्सांत नासल्यार म्हजीं उतरां लेगीत भायर पडनात. हें तुमकां सांगल्यार फट दिसतलें पूण हो फॅक्ट. जागेपणी सोडा सपनांत लेगीत म्हाका बोल्सांत मोबायल जायच. हो म्हजो विकनेस म्हज्या लागचेल्यांक (बरडाल्या संध्याक बी) खबर आसा. सावळो तर 'बाबा, बोल्सांत मोबायल आसा जाल्यार पळय, जाल्यारूच हांव फुडें उलयतां' अशें म्हणटा. मागीर हांव म्हजीं बोल्सां सासपितां आनी उपरांत आमचीं फुडलीं उलोवणीं सुरु जातात.

एकदां मजा जाली. हिच्या महिला मंडळाच्या कसल्या तरी सुवाळ्याक म्हाका अध्यक्ष म्हणून आफयल्लो. हांव म्हज्या भाशणाक उबो रावलों, बोल्सां सांसपिलीं, पळयल्यार मोबायल ना. हांव एकदम मोनो जालों. शेवत्याक परिस्थितीचो अंदाज आयलो. ताणें सोमतो मायक हातांत घेतलो आनी सांगलें, 'आमी सगळींजाणा अध्यक्षाचें भाशण आयकुपाक आतूर जाल्यांत, तांचे भाशण आयकूंक मेळप म्हणजे एक पर्वणीच, पूण तांच्या हाताक बोल्सांत जाय तें लागलेंना. ह्या अपर्याय कारणाक लागून ते मोने जाल्ल्या भशेन जाल्या. म्हणून ते उलोवंक शकनात. हे खातीर हांव तांचे वतीन माफी मागतां. देव बरें करूं.' ताळयांचो कडकडाट जालो. इलेक्ट्रॉनीक गॅजॅटांचेर निंबून रावप्यांक हीं गॅजॅटां कशीं अपंगूळ करून उडयतात हाची

कल्पना येतली. तांकां हांवें सांगिल्ली ही गजाल अतिशयोक्ति दिसचिना.

हांव न्हिदतना म्हजो मोबायल म्हज्या उश्या पोंदां दवरतां आनी मदीं मदीं ताका हात लावन ताचो फील घेतां. हांव म्हज्या मोबायलाचो उपेग अलार्म, मनरिजवण आनी फोन असो करतां. म्हजो दीस मोबायलावेल्या अलार्मान उजवाडटा. सकाळीं 'सं'क मोबायलावेलो अलार्म वाजता.

मलमली तारूण्य माझे तू पहाटे पांघरावे हो टोन हांवें अलार्माक घाला. ह्या टोनान दीस बरो गेल्यार गेलो म्हणून. कारण असले बोल सकाळफुडें कानार पडले म्हणटकच दीसभर बरे विचार मनांत येतात. तुमचें मत हे बाबतींत कितें तें हांव नकळो. आसूं.

हांव वता थंय मोबायल घेवन वतां अशें म्हळ्ळां ताका संडास अपवाद जावंक शकना. संडासांत हांव धा मिण्टांचो अलार्म लावन बसतां. कारण घरच्यांनी म्हाका संडासांत धा मिण्टां बसपाची परवांगी दिल्या. ताच्या वयर बसल्यार दार धाडावंक लागतात. तांचीय चूक ना. हांव एकदां संडासांत बसलों की म्हाका तंद्री लागता. मागीर हांव कितलींय वरां थंय बसूंक शकतां. थंय बसून म्हजे कडेन कितें घडटा अशें न्ही, संवय ती. एकदां म्हाका घरच्यानी सांगलें *जब व्ही मॅट* हो सिनेमा टि.व्हीचेर चलतना करीना घरच्यान पळून वता तेन्ना हांव संडासांत गेल्लों तो ती सगळ्याक भोवन घरा परत आयली तरी हांव लागींच आशिल्ल्या संडासांतल्यान घरा पावऽ नाशिल्लों. त्या खातीर म्हजें कितें जाता तें जावं लोकांक त्रास नाका म्हूण हांव धा मिण्टांचो अलार्म लावन संडासांत तंद्री लावन बसतां. धा मिण्टां भितर कितें पदरांत पडटा तें पडटा. सोडा.

न्हातना मोबायलाचेर,

गङ्गेच यमुने चैव गोदावरी सरस्वती

नर्मदा सिन्दु कावेरी जलेऽ स्मिन् संनिधिं कुरु... असले श्लोक चलता. हाणें दोन कामां जातात. नळाच्या उदकांत ह्या श्लोकाक लागून

पवित्र नदयांचें उदक पावता आनी हांव भितर न्हातां म्हूण सगळ्यांक कळटा. म्हजी कालेत मातशी फ्राक आसल्या कारणान आई म्हाका खंयच्याच दाराच्यो खिळयो घालपाक दिना. भितर म्हाका कितेंय जायत म्हणून.

तर मोबायलाचेर म्हर्जी ऑफिशियल कामांय जातात (ओपन, क्लॉज आंकडे कितले आयले हाचो एसएमएस येता). मोबायल नाशिल्लो जाल्यार धंदो चौपट जावपाचो.आज बीट इतली आयली, ताचो ब्रेक अप, कल्याण इतली येणावळ, मुंबय बाजार इतली येणावळ. मटको साधो समजू नाकात, आमकांय वयर कळोवचें पडटा. हाय कमांड नासता इतलेंच.

दीस वयर सरता तसो एसएमएस, कॉल्स हांचो पावस पडटा. भायर आसतना एसएमएस चडश्यो हिच्योच आसता. ही उलयतना एके भशेन उलयता आनी एसएमएस धाडटना ही ती न्हीच अशें दिसता. देखीक, बाजारांत पावतकच हिचो एसएमएस येता. 'प्राणनाथ हांव तें....' (हजार खेपे हिका सांगलें तुज्या नंबरा वयल्यान तूं कोण तें कळटा, तरी आसतना सुधारणा ना) '...एसएमएस धाडपाचें कारण की दारांत बांगडे घेतल्या, तुमी जितीं तेफळां मेळटा जाल्यार पळेया. बरें तर तुमचीच स्वीटहार्ट' हांवें तिका सांगलें एसएमएसाक 'सॅल्युटेशन, बॉडी, क्लोजींग' बी नासता. तरी आपलें तेंच. हेंच हांव घरा आसल्यार 'घरान एक पासून तेंफळ ना खाया तुमी तशेंच हुमण' हें आयकुचें पडटलें आशिल्लें. म्हणुनूच हिचो एसएमएस परवडलो. हिची भयण नलू, ती हिच्या फुडली. तिचो एसएमएस येता (ती मुंबय माहीमाक आसता) 'शांतादुर्गा प्रसन्न तारीख... भावोजी हांव तें नलू (फॅमिली ट्रेडमार्क) आज काल उरिल्ल्या पावांचो सांजो केलो, तुमची याद आयली. ताई कशें आसा? लागीं आसा जाल्यार म्हाका परत एसएमएस करा. मागीर ताका हांव फोन करतां. धाकल्यांक आशिर्वाद तुमचें नलू, माहीम ४०००१६.'

हांवें प्रत्येकाक वेगवेगळे रिंग टोन घाल्या. ताका लागून म्हाका कोणाचो फोन आयला तो मोबायल बॉल्सांतलो काडच्या पयलींच कळटा.

सावळ्याल्या धाकट्याच्या नंबराक तर हांवें सायरनाचो रिंग टोन घाला. कारण ताचो फोन आयल्या बरोबर उखलचो पडटा. एकदां ताचो कॉल घेवपाक मात्सो उशीर जालो तर ताणें फोन घेतकच 'बाबा तो मोबायल फकत बोल्सां सांसपूपाक दिवना. तो वाजतकच उखलचो आसता हें लक्षान दवर.' अशें सुनायलें. संध्याल्या नंबराक हांवें *सुन सायबा सुन प्यार की धुन* रिंग टोन घाला. ताणें म्हाका एकदांच फोन केला. हांवें हॅलो म्हणटकच ताणें *'तेरे सांसों से जो मेहक आ रही है'* अशें म्हणिल्लें. हांवें ताका पिश्या भशेन 'हांवें विक्को वज्रदंतीन तोंड धुलां म्हणून तुका कशें कळ्ळें' विचारिल्लें. ताणें म्हाका फकत 'पिसो खंयचे कडलो' इतलेंच म्हळें. असले कॉल वन्स इन ब्लू मूनुच येता. चड्शे कॉल हिचेच आसतात. 'अहो हांव तें, मोरी तुंबल्या कितें करुं?' ते 'अहो हांव तें बशीन आसां पोटान घांस मारला कितें करूं?' मेरेन आसता. मागीर हांव, 'हांव हे बाबतीन हांगांच्यान कांयच करुंक शकऽना आनी थंयूय बी आशिल्लों जाल्यार हे बाबतीन कांयच करुंक शकचो नाशिल्लों' अशी थंडपणान जाप दितां.

मोबायल बरोबर आसल्या कारणान म्हजेर एक प्रकारचो लगाम आसता. ना जाल्यार हांव उधळिल्ल्या घोड्यावरी. वितोराल्या तावेर्नार गेलों तो थंयच उरलों असली म्हजी गत. मागीर रोखडोच आईचो कॉल येता (तुम कितनी अच्छी हो...... ओ माँ हो रिंग टोन घाला)

"आरे पापया तूं गालमो हाडपाक गेल्लो तो खंय पावलो? वैकुंठाच्यान तुका विमान येवपाक, हांवें तितलें पूण्य करूना. तुवें तर नाऽच ना. चुकून आयलांच जाल्यार गालमो घेवन थंय वचूं नाका. तो हांगा दी आनी वच." असो कॉल येतकच आनीक थंय रावं येता?

थोडे जाण म्हणटा मोबायल सतत काना कडेन धरून उलयल्यार कॅन्सर जाता. हीं तांचीं पिशेपणा. आतां बायल सतत काना कडेन कचऽ

कचऽ करता तेन्ना कानाक कांय जायना. हांव म्हजेच बायलेचें उलयना. हांव जेनरलाय्ज करतां. कारण थोडे फार प्रमाणान सगळे कडेन तेंच घडटा. आतां मोबायल कसलीं तरी किरणां सोडटा. आमचीं बायलां कितें सोडटा तो सोद लागूना इतलेंच. थोडे जाण म्हणटा मोबायल डिस्चार्ज जातना उलयल्यार जिवाक आनीक हानिकारक. मागीर तो तुमी सदांच चार्जड कित्याक दवरिना? ती संवय लावन घेवपाक जाय. हांव वितोराल्या तावेर्नार म्हाकाय चार्ज करतां आनी मोबायलूय चार्जींगाक लायतां. मागीर हो चार्ज दोगांयकूय दीसभर पुरो जाता.

इजिप्तांत खंय मम्मी करतना तांचे बरोबर जिवनावश्यक वस्तु दवरताले. म्हणचे तांचो वयरचो प्रवास सुखऽकर जावंचो म्हणून. हांवेंय हांव वयर वतकच म्हजे वांगडा मोबायल दवर म्हणून सांगला म्हणजे म्हजो वयलो प्रवास सुखकर जातलो. हांव वयर वतऽकच तुमकां म्हजो कॉल येत जाल्यार ओगीच अजाप जावं नाकात. वयर बरी कनेक्टिविटी आसता अशें सावळ्यान सांगलां.

घटस्फोट

बॉम्बस्फोट ह्या शब्दा सारखोच घटस्फोट हो शब्द आज काल आमकां संवकळीचो जाला. ताका आमी डायवोर्स अशेंय म्हणटात. डायवोर्स शब्द चड वापरांत येता कारण घटस्फोट हो शब्द वापरल्यार आमकां आमी मागासलेल्या भशेन दिसता. तर हो शब्द आमकां सामको संवकळीचो आनी लागींचो. हालीं तर गोंयान आमी आधार कार्डाक अर्ज करतात तशेंच घटस्फोटाक अर्ज करतात खंय अशें म्हाका सावळ्यान सांगलां. सावळो आमचो केन्नाच फट सांगिना आनी पयर हांवेंय हाचो अणभव घेतला.

पयर हांव मडगांवां वतालों. म्हजे कुशिच्या सिटार दोन स्लीवलेसां बशिल्लीं. तिशींत आसपाक जाय, आसू. तर एकटेन कंडक्टराक पयशे दिवपा खातीर पर्शींत हात घालीत सहज म्हळें,

‘‘आगो हांव सद्दां घरा वचून हाका डायवोर्स दितलें म्हणटां पूण टायमूच मेळना फायल करपाक.’’

‘‘आगो स्वता खातीर टायम काडपाक जाय. आतां पयलीं भशेन

व्हडल्यो राटावळी करच्यो पडनात. रोखडो मेळटा. आधार कार्डाक पसून टायम लागता.'' दुसरी स्लीवलेस.

हो संवाद आयकून म्हाका व्हडलें अजाप जालें ना. कंडक्टरानूय (कदंबाचो) तिकीट दितना 'आदोगाद बरो पळेया, आदोगाद बरो आसल्यार आनीकूय काम बेगीन जाता' असो सल्लो दिलो. म्हाकाय ओगीच कदंबा महामंडळाचो अभिमान दिसलो. तांची आर्थिक स्थिती खंयूय पावूं मनस्थिती म्हाका बरी दिसली.

घटस्फोटा बद्दल जागृताय पोलियो लसीकरणा परस चड आसा अशें म्हाका दिसता. आनी ती भुरग्यांमदीं फावो त्या प्रमाणात पावल्या अशेंय म्हाका दिसता. अभ्यासाचे कुडींत (फकत नांवाक अभ्यासाची कूड! हांगा अभ्यास सोडून सगलें चलता) आमगेल्या व्हडल्याक आनी पोरोबाल्या सुरेखाक उलयतना आयकल्लें,

''आगो लग्न जावन घोवा बरोबर चडान चड दोन वर्सां रावप, तेंय बी सगळ्याक भोवन घेवपाक.'' सुरेखा.

''मागीर गो?'' आमगेली अज्ञानी धूव.

''मागीर, झट येप्लीकेशन पट डायवोर्स.''

''मागीर हिरोइनी करतात तशें अनाथालयांतलें भुरगें ॲडोप्ट करप न्हय?'' आमगेलें.

''आनी कितें तर! तातूंत तुका मागीर फाम मेळटा. कळ्ळें मगो? जालें तर!'' सुरेखा.

हांव तांचें हें उलोवणे आयकून धन्य जालों. आतां हांव दोळे धांपपाक मेकळों अशें म्हाका ओगीच दिसलें.

डायवोर्स घेवपाक भिन्न भिन्न कारणां आसूं येतात. घोव, मांव, मांय, नणंदो बीन त्रास दितात वा बायलेचें अफेअर आसा असलीं कारणां जूनी जाल्यांत. फाटीं आमचें सोयरें राखी (गुप्तते खातीर नांव बदल्लां) म्हाका

विचारपाक लागलें,

"हो हालीं खूब घोरेवपाक लागला, हांव डायवोर्स दिवपाक सोदतां. अमेरिकेक ह्या कारणाक लागून रोखडोच मेळटा, हांगां चड वेळ लागतलो?"

"आगो तुजो घोव हालींच घोरेवपाक लागला मगो? ही पयले राती पसून घोरेता. हिका डायवोर्स दिवचो अशें म्हज्या मनांत सुद्धां केन्ना आयलें ना." हांव.

"म्हणचे तुमी नॉर्मल न्हय तर!" अशें म्हणून राखी (गुप्तते खातीर नांव बदल्लां) गेलें. म्हणूनी बाबडें पूण खऱ्यानीच ही कुशीक घोरेता, सकाळीं स वरांचेर गजर जातकच हांड्याक उजो घालपा खातीर उठोवपाक कोंपरान धोंगशिता (बरगड्यो दावे वटेन किणेल्यात), तरी म्हाका केन्नाच हिका डायवोर्स दिवंचो असो विचार आयलोना.

आज काल लग्न जाल्या बरोबर डायवोर्स दिवन धूव कितले बेगीन घरा परत येता हें एक भूशण जालां. ह्या वर्सा हळडी कुकमा वेळार कामतील्या रिनालो (गुप्तते खातीर नांव बदल्लां) डायवोर्स हो चर्चेचो मुखेल विशय आशिल्लो. कपलाक लायतना, 'आगो कामतीलें रिना परत आयलें जाणां मगो?' हें वाक्य कानार पडटालें

"हुशार पोर दुसऱ्याच दिसा परत आयलें!"

"ताचीच फाटली भयण शर्मिला अजून घोवागेर आसा. सामकी पेज!"

"सीता और गीता."

हिगेल्या ह्या विनोदाचेर सगलें महिला मंडळ हांसलें.

डायवोर्स दिवपाक दादले म्हण फाटीं नात. आमचो सोयरो केशवान (गुप्तते खातीर नांव बदल्लां) आपले बायलेन रोशनान सदांच मुगांची उसळ घालून आपलें पोट बिगडून उडयलां ह्या कारणा खातीर घटस्फोट मागिल्लो. पूण रोशनान केशवाक पयलीं पसून गॅस ट्रबल आशिल्लो आनी

हाका लागून आपल्याच नाकाक लग्न जायत सावन कसो त्रास जाला हें कोर्टांत सिद्ध केल्ल्यान तांचो डायवोर्स मातसो लांबला, हो एक अपवाद.

घटस्फोटाचें म्हत्व भुरग्यां मेरेन पावोवपाचें पवित्र काम शाळांनी चल्लां हें तुमकां सांगल्यार तुमी अजाप जातले. ही गजाल म्हाका सावळ्यान सांगूंक ना, ती हांवें म्हज्या दोळ्यांनी पळेल्या. हांव म्हत्वाच्या कामांक लागून मडगांवां वतालों (तुजें आनी कसले म्हत्वाचें काम आसतलें असो प्रस्न तुमच्या मनांत उप्रासला आसलो जाल्यार तो मनांतूच दवरात). फुडल्या सिटार शाळेतलीं भुरगीं बशिल्लीं. परिक्षेच्या पेपराची चर्चा चलिल्ली, मराठी पेपर आशिल्लो. पत्र लेखन ह्या माथाळ्या खाला हो प्रस्न विचारिल्लो, रमेश सावंत रहाणारा घर क्रं. १०३, खालचा वाडा, रिवण गोवा आपल्या पत्नीला सौ. राधिका सावंत, घर क्रं.२०१, वरचा वाडा सांगे गोवा हिला, आंबटीत शेंगा न घातल्या मुळें घटस्फोटा साठी अर्ज केल्याचे कळवितो. प्रस्न वाचून बरें दिसलें. ह्या मराठी शिकोवपी शिक्षकाचो खरेंच शिक्षक दीन दिसा सत्कार करपाक जाय. असल्या शिक्षकांची आमी दखल घेनात म्हणून आमच्या शिक्षणाची अशी स्थिती जाल्या.

आनीक एक गोष्ट म्हाका हांगां प्रामुख्यान सांगीनशी दिसता. ती म्हणल्यार, मध्यम वर्गीयांचो घटस्फोटा संबंदीत दुष्टीकोणान जाल्लो कमालीचो बदल. सगळे जाण मध्यम वर्गियांक सदांच सगले बाबतींत दुशण दीत आसतात. हो वर्ग सामको भितरो. हो वर्ग खंयचेच बाबतींत रिस्क घेना. पूण घटस्फोटा बाबतींत ह्या वर्गान फुडाकार घेतला हें पळोवन छाती अभिमानान फुडें येता. (हालीं हांव म्हजी गणना मध्यम वर्गियांत करपाक लागलां म्हणून छाती फुडें आयली. हालीं आर्थिक परिस्थिती मातशी सुधारल्या). पयलीं घटस्फोट वयले सोसायटींतूच पळोवंक मेळटाले. कारण ही सोसायटी बारीक गोष्टी सुद्धां गंभीरपणान घेता. चली पार्ट्यांनी वचना, ड्रिंक्स ऑन द रॉक्स घेना(सोडा घालून घेता), मिनी स्कर्ट घालिना असल्यो गोष्टी हो वर्ग सामको

सिरियसली घेता. खास करुन चलयां बाबतींत. असली पेज आमचे सोसायटींत कोंताक येना अशें म्हणत चलो डायवोर्सा खातीर अर्ज करता. पूण अशें आमच्या मध्यम वर्गियां मदीं पळोवंक मेळ नाशिल्लें. आमचे मदीं कॉम्प्रोमायज करपाचो गूण आनी चलता है attitude आशिल्ली. पूण हालींसराक आमच्या मदीं व्हडलें transformation जालां. हे बाबतींत हम भी कुछ कम नहीं हें दाखोवंक आमी फुडें सरल्यात. हें फकत पेपरार न्हय तर कृतींत करुन दाखोवपाक लागल्यांत.

आमच्या नात्यांतूच चलयेन चल्याक चवथीच्या दुसरे दिसा म्हणचे पंचमी दिसा ताणें चंद्र पळयलो म्हणून डायवोर्स दिलो. तिच्यो धार्मिक भावना दुखयल्यो गेल्यो अशें तिणें कारण दिलें आनी कोर्टान तें मानून घेतलें. आमच्याच नात्यांतल्या आनीक एकट्यान भावना दुखावन डायवोर्स घेतिल्लो आनीक एक देख आसा.(आतां आमच्याच नात्यांत भावना कित्याक दुखावतात असो प्रस्न तुमकां पडला आसतलो! आमचीं सगलींच सोयरीं इमोशनल ताका हांव तरी कितें करुं?) तर, चलयेक पांचव्या म्हयन्यार फुलां माळ्ळीं तेन्ना तिका कृष्ण केलो ना म्हणून तिच्यो भावना दुखावल्यो गेल्यो आनी तिणें घटस्फोटा खातीर अर्ज केलो. कोर्टाक तें पटलें आनी डायवोर्स मंजूर जालो. हाचे वयल्यान आमचो मध्यम वर्ग भावनांक कितलो म्हत्व दिता तें कळटा.

पयलीं आमचो मध्यम वर्ग डायवोर्स दिवपाक फाटीं फुडें जातालो ताचें एकमेव कारण म्हणचे भुरगीं. डायवोर्स दीत जाल्यार तांचें कितें जातलें (परिणाम ह्या अर्थान) ही काळजी आसताली. आतां हिवूय बी काळजी ना शी जाल्या. अंदू हळडी कुकमाक आमगेर एक हिरोइन (नात्यांतली न्हय) आपल्या ल्हान भुरग्याक घेवन आयिल्ली. तें भुरगें आपले आवयक सारकें दी गे मम्मी, दी गेऽऽ, एकदांच दी गे म्हणून जीव खातालें. म्हाका आवयक पळोवन (नाका दोळ्यान बरी आशिल्ली)

भुरग्याची काकुळट दिसली,

"कितें, चॉकलेट दी म्हणटा तें?" हांव.

"हेंऽऽ! ताच्या डॅडीक डायवोर्स दी म्हणटा. जीव खाता सामको!" हिरोइन.

"कितलेक आसा तें?" हांव.

"फर्स्टाक. डायवोर्स सुद्धां धड म्हणपाक येना म्हण दी गे दी गे म्हणून फाटल्यान लागलां. ताचे फ्रेंडाचे आवयन दिला खंय बापायक. म्हणून हाका कमीपणां आयल्यां." हिरोइन.

हें आयकून हांवें म्हज्याच तोंडांत तिळगूळ उडोवन तिळगूळ घ्या गोड गोड बोला म्हळें आनी ओग्गी बसलों.

हालींच घटस्फोट आनी बायलां मदीं 'उदासिनता' ह्या विशयाचेर परिसंवाद आयोजित जाल्लो. ही अध्यक्ष स्थानार आशिल्ली. हो परिसंवाद आमच्या टेर्रासार आयोजित जाल्ल्यान म्हाका आयकुपाचो योग आयलो. (रिफ्रेशमेंट दिवपाक हांव आशिल्लों). घटस्फोटा बाबतींत गोंयचीं बायलां सामकीं उदासीन आसात असो नाराजीचो सूर ह्या परिसंवादांत उमटलो. कारण मेळ्ळ्या बरोबर धपक्याक डायवोर्स फायल करपाक जाय, थंय वेळ काडपाक जायना. मिक्सरार वाट्टना, बायलां मिक्सराचो बटण एक नंबरा वेल्यान घुंवडावन तीन नंबरार व्हरतात आनी वांटप कशें बेगीन वांटून घेतात, तशेंच डायवोर्सा बाबतींत कित्याक घडना असो खडो सवाल शेंवत्यान उपस्थितांक केलो. सगल्यांनी ताळयांचो कडकडाट केलो. (हांवेंय ताळयो वाजयल्यो. कित्याक खबर ना).

सगल्यांनी गोंयच्या विंगविंगड वाठारांनी घोवाक घटस्फोट दिवपी बायलांचो अभिनंदन करपी ठराव ह्या वेळार पास केलो. कल्ली उजरावंक येना, भाणशिऱ्यान शीत वाळपाक येना आनी फॅन चार स्पिडीचेर दवरुन न्हिदता ह्या कारणा खाला बायलानीं डायवोर्स घेतिल्ले. म्हाका खत्यांनीच

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
MANGALORE

ह्या बायलांची तोखणाय दिसली. पूण हांवें ती थंय उगती केली ना इतलेंच.

मागीर सेक्रेटरी मिसेस पोरोबान, अध्यक्षांक (म्हणचे हिका), स्वता डायवोर्स घेवन बायलां सामकार देख दवरची अशी विनंती केली. हिणें 'आपल्या लक्षांत आसा तें' अशें माफक उत्तर दिलें. हें सगलें आयकतकच म्हाका ह्या विशयाचेर चार ओळी सुचल्यो त्यो अश्यो

लग्न म्हणचे खेळ न्हय भातुकलीचो
तो अटूट संबंध सासणाचो
तूं घोरेता काय न्हिदलां
म्हाका पडून वचूंना
तुवें नग कसलो पानार वाडला
तो रुच घेवन पसून कळना
पूण केन्नाच तुका डायवोर्स दिवचो
अशें म्हाका दिसलें ना ।।

ह्या परिसंवादाचो प्रभाव बरोच जाला अशें म्हज्या कानार पडलां. आमच्या वाड्या वेल्यो दोन धुवो घटस्फोट घेवन परत आयल्यात अशेंय हांवें आयकलां. एकटेन आपलो घोव हिमेश रेशमियाचीं पदां आयकता म्हणून आनी दुसरेन घोव जळारां खातीर कासव छाप अगरबत्ती लायता म्हणून डायवोर्स दिला अशें समजता.

काल आमचो मुंबयकार सोयरो आयिल्लो. तागेले धुवेक मोटरसायकलीचेर दोशी वटेन पांय घालून बसपाक येना म्हणून घोवान डायवोर्स मागला खंय! आतां हिकाय तें येना. म्हाका हें फुडारा खातीर लक्षांत दवरचें पडलें.

माय तापता

आमच्या गोंयकारांचो माय तापता. पयलीं तो माया म्हयन्यांतूच तापतालो, हालीं तो फेब्रेर येता म्हणसर तापपाक लागता. ग्लोबल वॉर्मिंगाचो परिणाम जाल्यार हांव नकळों.

माय तापता म्हळ्यार कितें हें पयलीं जाणा जावन घेवंक जाय. जांचो तापना तांच्या खातीर हांव म्हणटां. जशी गरमी वाडटा तशी जांची तकली फ्राक आसा (आई म्हणटा हांव ते कॅटेगरीन येता म्हणून) वा जांकां नेरवांचें बी आसा तांचीय ती चाळवता. ह्या लोकांची ह्या म्हयन्यानी खूब जतनाय घेवची पडटा. बाकी कडेन हांवें अश्यो केसी पळोवंक ना. म्हणुनूच ह्या दिसांनी गरमेन 'आरे ताचो माय तापला रे' अशे रिमार्क आयकूंक येता.

जशी गरमी वाडटा तसो आमच्या घरांत शिगमो जाता. सगळींच एकाच माळेचीं मणी (आई सोडून). पयर तर भाड्याक रावपी नेपाळीण आमच्या जनेला कडेन अशें कितें घडलां तें पळोवपाक आयली. आईन तिका थंडपणान समजायली. 'हुस्को करनेका नही. मिर्ग आने तक सब ठीक हो जायेगा. कालोर बढ गया है ना.' आईन सगळें हातवारें करुन सांगिल्ल्या कारणान गरमेक लागून घरांत गंभीर अशें कितें घडलां हें नेपाळणीक कळ्ळें. तरी गरमेक लागून मनशाची अशी स्थिती जाता हें तिका बरेंऽ पटलें

ना. 'हमारे घर में तो ऐसा होता नहीं.' नेपाळणीन दोळे मोटे करीत म्हणलें. 'घराणे का दोश है मैं और क्या बताऊँ. देवी को प्रसाद लगाया तो वो बोलती है बारिश आने तक पासियेंस काडो, तब तक सब जगह पे पडेगा.' आईन पिरंगत सांगलें. आतां मळबान कुपां दिसल्या बरोबर नेपाळीण बाबडी 'आई बारिश आया बारिश आया' म्हणत धांवत येता. ती आमच्या खातीर शेतकामत्या भशेन मळबाक दोळे लावन बसल्या. पावस पडून आमी जाग्यार येतलीं अशी ती आस्त बाळगून आसा.

आईन 'घराणे का दोश है' म्हणलां तें बरोबर. म्हज्या बापायचीं नेरवां गिमांत चाळवतालीं ही खरी खबर. हरशीं म्हजो बापूय चड उलोवपी न्हय. ताची कटकट कोणाकूच नासताली. घरांत आसा काय ना कोणाक पत्तो लागनाशिल्लो. एकदां खंय तो गादयेचेर तोंडावेल्यान पांगरुण घेवन न्हिदिल्लो. आईन पळय नासतना गादी बापाय सकट कवळ्ळी तरी ताची जाप ना, इतलो थंड. पूण गिमा दीस जशे सुरु जाले ताचो माय तापपाक लागतालो. तो चड व्होकल जातालो. ताचो माय तापपाक लागलो हें ताचे पुजा करपाचे स्टायलीवेल्यान कळटालें. हरशीं ताणें पुजा केली हें देवाक घाल्ल्या फुलावेल्यान कळटालें पूण जशें ताचें फिरलें, तो पुजा व्हडल्यान मंत्र म्हणीत करतालो आनी गायत्री मंत्र 'चाफा बोलेना' चालीचेर म्हणटालो. मागीर घेऽ आईच्यो बोबो! 'माया म्हयनो लागलो दिसता, अहो गायत्री मंत्र बायलानी आयकुंचो न्ही, पातक लागता.' बापायक ताचो कांय फरक पडनाशिल्लो. हरशीं हांव कितें करतां, कितलेक पावलां हें ताका खबर नासतालें. पूण ह्या दिसांनी पावला पावलाक 'कसो चल्ला रे तुजो अभ्यास?' असो म्हाका ताचो प्रस्न आसतालो. हांव 'चल्ला सदां भशेन' ही म्हजी ठरावीक जाप दितालों. मागीर तो गळो सासपीत 'बच्चे जिस स्कूल में तुम पढते हो हम उसके हेडमास्टर रह चुके हैं' असो डायलॉग मारतालो.

म्हजें म्हज्या बापायच्या ओपोजीट. म्हजो माय तापतकच म्हजें

तोंड धरता अशें आई म्हणटा. म्हजे तोंड मातशें वितोरागेर (तावेर्नाचेर) वचून येतकच्यूय धरता म्हणटकच आईचो प्रोब्लेम जाता. म्हजें फिरलां म्हणून हांव ओगी बसलां काय हांवें कुट्ट केलां म्हणून असो अवतार धारण केला हें आईक कळना. मागीर ती नातरांक सांगता 'आरे तो शेण खावन आयला जाल्यार पळेया रे.' मागीर म्हजीं भुरगीं ट्राफीक पुलीस कशीं तोंडा कडेन येवन वास घेवन सर्टीफिकेट दितात. 'तशें कांय ना गे, समर सुरु जालो सो दिसता.' हें माय तापला हाचें इंग्लिश वर्शन. ह्या दिसांनी म्हजी मनस्थिती सारकी नासल्या कारणान हांव म्हत्वाचे निर्णय घेना. एक निर्णय ह्या दिसांनी घेवन ताचें प्रायश्चित हांव अजुनूय भोगतां.(म्हजी सोयरीक गिमांतूच जाल्ली). ह्या दिसांनी म्हाका सारकी यादूय उरना. आईक दिसता हांव मुद्दम करतां म्हणून! पूण म्हज्यो व्यथा हांव कोणाक सांगतलों? एकदां तर हांवें आमच्या भुरग्यांक 'पोरानो तुमी कुठून आलात? कोणाची तुम्ही सांगा बरं' अशें मायेन विचारलें. भुरग्यांनी म्हजी स्थिती अशीच उरची अशी आंगवण केली, धाकट्यान तर गणपती सात दीस दवरतां अशें सांगून घेतलें खंय! पानार नाका म्हण्टा आसतना मेथये भाजी वाडटकच हिका हांवें रोमेन्टीक जावन 'कशी तुझ समजावु सांग' हें घोगऱ्या आवाजांत पद म्हणलें तें मे म्हयन्यांतूच. ही ती गोष्ट दोळ्यांत दुकां हाडून अजुनूय सांगता. म्हजी तकली ह्या दिसांनी कितली आवट जाता हें तुमकां हाचे वेल्यान कळ्ळां आसतलें.

हांवें वयर म्हणलां तशें आमकांच हो त्रास कित्याक जाता, आमच्योच तकल्यो कित्याक फिरता, बाकिच्यांक गरमी लागना? एकदां मुंबयकार आयिल्ले कडेन आईन ताका विचारलें सुद्दां 'मुंबयला तुम्हाला कालोर बादत नाही? आमच्याच कडे कसे तकली फिरवून घेतात?' मुंबयकारान 'आमचं डोकं गरम होतं फिरत नाही' म्हणत घोटांच्या सांसवांक भुरको मारलो. तांचेंय बरोबर. गिमांत लोकांच्यो तकल्यो तापतात आमच्या सारक्यांच्यो फिरतात.

गरमेचो आमच्या सारक्या मनशांकूच त्रास जाता असो ना. विद्वानाचेरुय ताचो परिणाम जाता. म्हाका याद आसा, भर गिमांत, दनपारां, आमच्या पाटील गुरुजीन 'एक मे हा कामगाऱ्यांचा स्वातंत्र दिवस आहे' अशें आमकां सांगल्या बरोबर दत्तान तशें जाल्यार 'म्हाजा बापूय दिसवाड्यावर कामगार आहे. त्याने आपला बावटा का उबवला नाही?' असो परतो सवाल केलो. पाटील गुरुजीन ताका धरुन मस्तीलो पूण जसो मिर्गाचो पावस पडूं नाका ताणे आपली चूक सुधारली आनी 'एक मे हा कामगार दिन आहे' अशें जाहीर केलें.

आतां आमच्या घरांत फकत म्हाकाच गरमी बादता अशें ना, हिकाय ती बादता. तिचीं नेरवां चाळवता. गरमी वाडटा तशी गुळयांचो डोज डबल करपाक दोतोर सांगता. हिची वेगळी तरा, हिका एकदम तंद्री शी लागता. गॅसार कितेंय दवरलें, लागली हिका तंद्री. मागीर ती जनेला भायर वरांचीं वरां एकटक पळयता. एकदां तर गॅसार दवरिल्ल्या कुकराची शिटी वाजतकच आपल्या तोंडार हात दवरुन अशोक कुमारा भशेन 'रेल गाडी झुक झुक...' (आशिर्वाद १९६८) करत भायर आयली. आईन, 'हें आनी कितें गे बाये?' अशें विचारतकच हिणें कॅलेंडरा कडेन बोट दाखोवन आपलो मे म्हयनो सुरु जालो ही याद करुन दिली.

आमकां गरमेन अशें कित्याक जाता हाची जाप vidnyaanak सापडल्या अशें हांवें अजून आयकुना. आनीक एक गजाल, आमी तरी आमचो माय तापतकच वेगवेगळीं पिशेपणा करतात पूण आमच्या वाड्यार नारायण (इकरावी, पुणे बोर्ड). मे म्हयन्यांत स्वताक श्रीराम लागू समजता. ताचे धुवेचे लग्न मे म्हयन्यांतूच आशिल्लें. कन्यादानाच्या वेळार कन्यादान करचें सोडून न्हवऱ्याक म्हणजे आपल्या जांवयाक 'कुणी घर देता का घर' विचारलें खंय! लग्न मोडटां मोडटां वाचलें.

आतां ग्लोबल वॉर्मिंगाक लागून गरमी वाडत आसा हें आमी मतींत

दवरपाक जाय. हाका लागून चड आनी चड लोकांचो आतां माय तापतलो हातूंत दुबाव ना. जागतीक आरोग्य परिशदेन हाची नोंद घेवपाक जाय आनी आपल्या दुयेंसाचे वळेरींत हाचोय आसपाव करुन घेवपाक जाय. तांच्या दुयेसांचे वळेरींत सतरा काय कितलीं दुर्लक्षीत दुयेंसां आसात तातूंत हाची भर पडटली. परिशद फकत एड्साच्या दुयेंतीकडेन सहानुभूतीन पळेया म्हणटा. आमचें कितें? लोक आमचीं 'तांचो माय तापला रे, नेरवां चाळवलीं रे' अशें म्हणून फकांडां करतात. तशें जावपाक जायना, आमकांय सहानुभूती मेळपाक जाय.

कोणाक खबर तुमीय एक दीस मे म्हयन्याच्या कडक वतांत 'देवा घरचे न्यात कुणाला' म्हणटना आमकां दिसत! मागीर आमी 'हांचो माय तापला रे' म्हणल्यार तुमकां बरें दिसत?

हांवूय लेखक

'*Once you get people laughing, they are listening and you can tell them almost anything.* ' अशें हर्बर्ट गार्डनर म्हणटा. हें लिखाणाकूय लागू जाता अशें म्हाका दिसता म्हणटकच सुनापरांतांत 'चिमटे धुमके' ह्या सदरा खाला बरोवंक लागलों आनी म्हजे जिणेंत व्हड उलथापालथ जाली. म्हाका कांय प्रस्न पडले.

१. म्हाका वाचप्यांक चिमटावंक, धुमकावंक आनी वेळा प्रसंगाक कुटलावंक लायसन्स मेळ्ळें काय?

२. हांव कोंकणी भाशेंतलो एक विचारवंत लेखक जालों काय?

३. कोंकणी भाशेंत जी विचारवंतांची पोकळी निर्माण जाल्या ती हांव भरुन काडटलों काय?

४. हांव इतलो तेंप म्हाकाच वळखूंक शकलों ना काय?

मागीर हांवें हारश्यांत वचून पळेलें, खाडकी मुठीर धरुन पळेली. बरो झेत आयलो ना. विचारवंत कसोय दिसलों ना, दाडीय विचारवंताक फाव तितली पिकूंक ना. आई म्हणटा तें फट न्ही, म्हजें तोंड इतलें

अजागळ की अनवळखी कुत्रे लेगीत म्हजेकडेन पळोवन भुकऽ नात. म्हजेर भुंकप हें तांकां बिलो डिग्नीटी कशें दिसता.

हे वाडिल्ले दाडयेचो फायदो कांयच जायना, नस्तो उपद्रव मात जाता. फाटीं बँकेंत पयशे काडूंक गेल्ले कडेन काऊंटरा वयल्या बायन म्हजेकडेन पळोवन म्हाका सिनियर सिटीजनांचे लायनींत उबो राव म्हणून सांगलें. हांवें आशीकुशीक महिला वर्ग ना शें पळोवन थंयच्यान कूस मारली. तर, आतां धवी दाडीय ना आनी फाटल्यान परते वळोवपा इतले केंसूय ना म्हणटकच हांवें खादी ग्रामोद्योगांतल्यान एक सदरो आनी एक बोटवो हाडलो. हांचेरुच हांवें सद्या समाधान मानून घेतलां.

हालीं घरच्यांनी म्हज्या आहारांत फावो तो बदल केला. हरशीं सकाळीं खुटी च्या आनी फाती आसताली, आतां घराव्या तुपान केल्लो सांजो (बदाम पिस्ते युक्त) म्हज्या फुड्यांत येता. हांवें ह्या संबंदान मात्शी चवकशी केली. 'आरे तूं बरयता न्हय, तुजे फ्राक तकलेचेर ताण पडटा म्हणून हो तुका घटसाणेक बदाम बी घालून सांजो.' आमचो शेजारी पोरोब हांव केन्नाय भायर दिसल्यार सदचे प्रस्न "आज ओपन कितलो आयलो?", "आज बीट कितली रे?" सगळे प्रस्न मटक्या बाबतींत. पूण हांव बरोवंक लागिल्ल्याक ताच्यांतूय बरोच बदल जाला.

"कितें पात्रांव?" (ह्या उतराची संवकळ नाशिल्ल्यान सुरवेक हांव आंग काडटालों)

"कितें पोरोबबाब?"

"सद्या कित्याचेर बरोवप चल्लां?"

"तुमी म्हजे लेख वाचता काय कितें?"

"तुमी बरयत जाल्यार आमी आनी वाचिना?" हें आयकून म्हजी नाशिल्ली छाती फुडें आयली.

पयर जेवतना हांवें आईक म्हळें की हांव आतां कितलीशींच वरसां मटक्याच्या धंद्यांत आसां आनी ह्या धंद्यांतलो म्हज्या अणभवाचो लोकांकूय

फायदो जावंचो अशें म्हाका दिसता.

“मागीर तूं कितें करपाक सोदता?” आईन तळिल्लो शेवटो पानार वाडीत विचारलें.

“आतां म्हाका बरोवपाची नाय म्हळ्यार घटाय आयल्या तेन्ना होच विशय विंगड विंगड प्रकारान हांव लोकां सामकार हाडपाक सोदतां.”

“कर बाबा कितें करता तें. आमच्या घरान दोनी वटेन कोणेंच धव्यार काळें केलें ना. तूं पयलोच हें करपी. मटक्याचेर बरोवपाक कसली लज? हांगां कितलेशेच कॅसिनो उजळ माथ्यान मांडवीन उबे आसा.”

“आई तुज्या उतरांनी म्हजो गळो भरुन आयलो.”

“उणी लागली दिसता. उदक पी. तुजीं पुस्तकां हांव छापतलीं.” (पेन्शन सोळा हजार).

ज्या पुस्तकांचेर म्हजें बरप चल्लां ती अशीं :

१. मटको आनी हांव. (आत्मचरित वजा पुस्तक).

२. हा खेळ आकड्यांचा. (मराठी व्यावसायिक नाटक).

३. जत्रे कडे गडगडा खेळटाना घ्यावयाची काळजी.
(मराठी. खास करुन सिंधुदुर्ग आनी कोकणांत गडगडो खेळप्यां खातीर).

४. मटको चार दिसांनीं शिका.

५. नंबर लावंक गेल्लो खंय पावलो? (तियात्र).

६. तूं ओपन हांव क्लोज. (खास स्पर्धे खातीर एकांकिका).

७. *Zo laitolom takach lagtolom.* (रोमींत)

म्हाका दिसतालें सुनापरांत फकत कोंकणी मोगीच वाचतात. साप फट. पयर बाजारांत निमकर गुरुजी मेळ्ळे. (गुरुजी फक्त शुक्रवारीच मटका खेळटात). ‘नमस्कार साहेब.’

साहेब म्हणटकच हांवें पयलीं आंग काडलें. “नमस्कार.”

“फार छान लिहितात हो तुम्ही.”

“गुरुजी तुमी पण वाचले?”

‘‘मग काय! विचार करायला लावता बुवा आपण. साहेब एक काम होतं.’’(परत साहेब).

‘‘हुकुम गुरुजी.’’

‘‘आपण एकदा शाळेत येऊन आमच्या मुलाना दोन शब्द सांगावेत.’’

‘‘गुरुजी आमचा वालोर तो काय? आमी इश्कोलात येवून मुलाना काय सांगणार?’’ हांवें म्हळें. तरी निमकर गुरुजीन आपलो हट्ट सोडलो ना. मागीर तांच्या हट्टाक लागून हांवें शाळेंत वचून म्हजे दोन शब्द सांगले.

‘‘भुरग्यानो खंयचीय गोष्ट अती जाली की ताचो त्रास जाता. अभ्यासाचो लेगीत. *All work and no play makes Jack a dull boy.* आतां तुमच्या गुरुजींक पळेया. ते मटको फकत शुक्राराच खेळटात. मटक्याचें व्यसन गुरुजींक अजून मेरेन लागूना. मास्तरां सारके तुमीय तुमचेर ताबो मेळोवंक शिका आनी व्हड जाया.’’ भुरग्यांनी ताळयो वाजयल्यो, गुरुजीय बी आपली देख दिली म्हणून खूश जालो.

आतां हांव बरो उलोवपी म्हूण म्हाका फाम मेळ्ळ्या. हालींच हिच्या चामुण्डा देवी महिला मंडळान मुखेल उलोवपी म्हणून म्हाका आपयिल्लो. उलयतना हांवें ‘राम खरोच पुरषोत्तम आशिल्लो काय?’ असो गंभीर प्रस्न केल्या बरोबर सगळीं बायलां व्हडा व्हडान हांसपाक लागलीं. पयलीं म्हाका कळूंक ना. मागीर, हांव विनोदी बरयतां म्हणटकच हांव उलयतां तें सगळेंच कॉऽऽमीक म्हणून तीं हांसतात अशें हिणें म्हज्या कानांत सांगलें आनी हिवूय बी हांसपाक लागली. तांचीय चूक ना. सद्या म्हजी इमेजूच कॉऽऽमीक जाल्या. पयर म्हजी स्कूटर आमच्या दारांतूच पंक्चर जाली. हांवें पोरोबाक म्हळें, ‘आयचो दीस बरो ना सो दिसता, स्कूटर सकाळ फुडेंच पंक्चर.’ अशें हांवें म्हळां मात ‘आव्वयस’ म्हणून तो सोप्याचेर आडवो उबो लोळपाक लागलो. आमगेलो पदेर, ताका हांवें विचारलें ‘‘तोर्राद पाव आसा रे?’’

‘‘पात्रांव सॉलीड ज्योक मरे’’ अशे म्हणून सायकल स्टॅण्डार काडली आनी सकयल बसून हांसपाक लागलो.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY MANGALORE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

हालीं लोक म्हजी प्रतिक्रिया विचारपाक लागल्यात. फाटीं म्हजो आमीग भायर पडलो. आमीग फामाद. म्हाका मराठी दिसाळ्याच्या प्रतिनिधिन म्हजी प्रतिक्रिया विचारली 'तो गेला तो सुटला बाबडो, हातरुणावर पडल्यावर कोण काडणार होतं त्याचं' अशी हांवें प्रतिक्रिया दिली पूण ती दुसऱ्या दिसा छापून आयली ना. कित्याक खबर ना. आसूं!

आतां आमचें घरुय लेखकाच्या घरा सारकें दिसचें अशी जतनाय ही घेता. हिणें देवा कुडींतल्यान दासबोध, भगवद् गिता, तुकाराम गाथा, नामदेव गाथा, गुरु चरित्र हे ग्रंथ भायर सालांत हाडून दवरल्यात (हे ग्रंथ सोडून आमच्या घरांत आनीक पुस्तकां नात). आमचीं घरचीं सगळीं अलंकारीक भाशा उलोवंक लागल्यांत. देखीक "म्हजी स्थिती मगो सचिना भशेन जाली. बॅट घाल्यारुय आऊट बॅट घालिना जाल्यारुय आऊट."-ही.

"म्हाका जाग आयली तेन्ना पयस पदेराचो आवाज येतालो, जनेलार माजर बशिल्लें आनी घरान हांड्याचो धुंवर भरिल्लो"- व्हडलें. (उगतें मळब फेम).

"आमचो पीएम वरसांतल्यान जितले फावट तोंड उगडटा तितले फावट हांवें पुस्तक उगडलें तरीय हांव पास जालों"-दुसरो.

"त्या दिसा घराकडेन गदड तिनसना, मेजार दवरलें पाकीट खंय गेलें अजून सापडना."- तिसरो.

आज घराकडेन आयल्या बरोबर हिणें हातांत पाकीट दिलें. उगडून पळयल्यार महाराष्ट्र साहित्य संघाचें परिसंवादाक आपोवणें.

विशय, महाभारतातील द्युत - एक चिंतन.

सद्याक सुनापरांताचे आनी तुमचे वाचप्यांचे उपकार मागपाक म्हजे कडेन उतरां नात.

तुमकां सगळ्यांक देव बरें करूं.

चिमटे धुमके



कृमच्या बरपाचो हांव एक निस्सिम भक्त. जे जे कोण म्हाका मेळळ्यात, जाणीं कृम वाचला ताणीं तर ताच्या लेखनाची भरभरून तुस्त तोखणाय केल्या. ती करतना सुर्वेक हांसल्यात. कृमच्या दरेक लेखांत, लेखांतल्या दरेक पानार, पानावेल्या दरेक परिच्छेदांत, परिच्छेदांतल्या दरेक उतरांत ताणें कोणाची तरी उडयल्या हाची कल्पना येता. एक दोनूच अपुर्बायेचे प्रसंग आसल्यार मोरत्र म्हूण ते सांगूं येतात पूण हांगा दरेक उतरूच त्रोसां मारीत मारीत वता. तेन्ना खंयच्या प्रसंगाच्या वर्णनाक हांसचें आनी खंयच्या प्रसंगान अंतर्मूख जावंचें तेंच कळना. त्रोसां मारलीं, ताचेर कोणूय हांसलो म्हूण साहित्य उजवें आसना, पूण अंतर्मूख जावन ताचेर विचार करूंक लायता, हांसतां हांसतां मनांत तिडक हाडटा तें साहित्य मोलावप भोव कठीण.

– दिलीप बोरकार

बिम्ब प्रकाशन